जावडाळी घरवीट

ओलिव्हींन गोमिश
Olivinho Gomes

[illegible]
6-3-94

मोनजाती घरभाट

बरोवपी :

डॉ. ओलिव्हींन गोमिश्

DR. OLIVINHO GOMES

मोनजाती घरभाट

ज्योर्ज ओर्वेल–च्या “ *Animal Farm* ” –चो अणकार

कोंकणींत बरोवपी :

डॉ. ओलिव्हींन गोमिश्

कोंकणी सरस्पत प्रकाशन

© सौ. येज्लिन्दा गोमिश्, १९८५

पयलें उजवाडावप :

गांधी जयंती, १९८५

उजवाडावपी :

आवेलीन कुतीन्यु,
कोंकणी सरस्पत प्रकाशन,
कवडी-चांदर-गोंय-४०३७१४

मोल : २५ रुपया

छापपी :

परिमल प्रिन्टर्स,
खडकेश्वर,
औरंगाबाद (महाराष्ट्र) ४३१००१

भायलें चित्र :

सुभाष अवचट
पुणें (महाराष्ट्र)

पयलो आवेस्वर

व्हडल्या घरभाटाचो धनी, जोन्स्बाब, हाण राती पासत कोंबयांचे घूड धांपून कुलपाक लायिल्ले पुण हेरां घुडां गोठचांच्यो बुराखा-कवडचो धांपूक जाय म्हणपाचो उगडास धरपाक तो चड पियेवन बेबदो जाल्लो. ताच्या हातांत आशिल्लो लांपयांव अेके वटेन सावन दुसरे वटेन धोलता नाचतालो आनी तांतल्यान भायर सरुन भोंवतण्यां मुदये भशेन पडटलो उजवाड घालीत, तो आंगणांतल्यान लखत, लवंडत फुडें गेलो. फाटल्या दारा लागीं पावतकूच ताणे खोंट मारुन आपल्या पायांचे मोचे मोखून दिले, रांदचे-कुडींत आशिल्ल्या बल्लांतलो आपल्याक बियेराचो निमाणोसो अेक ग्लासा घोंट घेतलो, आनी बाज्जे मेरेन वचून तिचेर तो सरपटून शेवटलो. थंय तर ताची बरकान्न हचा आदींच न्हिद्वन पडून घोरेताली.

तांचे न्हिदचे-कुडींतलो दिवो पालोवना फुडें, सगळचा घरभाटांतल्या घरां-घरांनी कितें तरी हालतलें, खडखड जाल्लें फडफडटलें-शें दिसून आयलें. त्या दिसा खंय सगळेकडेन अेक खबर पातळिल्ली कि व्हडल्या जाण्टेल्याक, घुबघुबीत उठून दिसपी मधल्या धव्या सोलग-दुकराक ते आदले राती अेक आथवेंच सपन पडिल्लें आनी ताची खबर तो हेरां सुकण्यां-सावदांक सांगूंक सोदतालो. अशें थारायल्लें आनी तें सगळचांनी मान्य केल्लें कि जोन्स-बाब तांचे वाटेवेलो सुरक्षीतपणी मेकळो जाल्या उपरांत, सगळचांनीं ताणी व्हडल्या शेता-कडचा लागीं अेकटांय येवून मेळचें. व्हडलो जाण्टेलो ताका म्हणटाले, जरी ताका प्रदर्शनांत दाखयल्लो तेन्ना दिल्लें नांव तर "Willingdon Beauty" (विलिंगडनांतली सोबिताय) हें आसलें. त्या घरभाटांत हचा

व्हडल्य। जाण्टेल्याक येंदया भोवमानान लेखताले कि तो साँगता तें आयकुपा खातीर सगळीं सुकणीं-सावदां सदांच तयार आसत्ती, ताका लागून अेका वराची न्हीद लेगित पिडेर जाल्यार जाताली.

मोठ्या कडचाच्या अेका तोंकाक, वयर उबारिल्ल्या व्यासपिठा सारक्या सोप्याचेर व्हडलो येन्नाच आपूण येवन सुक्या तणाचे बाज्जेर गोठेंवन सुसेगाद विसवतालो. ताच्या माथ्या वयर अेका वांश्यार थावन अेक लांपयांव उमकळटालो. व्हडल्याची पिराय बारा वर्सांची आशिल्ली आनी हालिच्या तेंपार तर तो सामको गुट्टी कसो मातिल्लो. पुण तरी आसतना तो आटचा-पाटचान दबाजीक दिसपा सारको सोलग–दुकर आसलो. पळोवपाक तो शाणो आनीं बऱ्या मनाचो असो दिसतालो, जरी ताचे दांत केन्नाच काडूंक नाशिल्ले. चड वेळ लायनासतना हेर मोनजाती अेका फाटल्यान अेक येवूंक लागल्यो आनी आप-आपले परीं बसकण मारून सूस्त गोठेल्यो पयलीं तर तीं तीन सुणीं आयली, ब्लूबेल, जेस्सी आनी पिन्चर नांवांचीं, आनी उपरांत ते सगळे डुकर जे व्यासपिठा मुखार अशिल्ल्या लागशिल्ल्या तणा मांचयेर वचून गोठेल्यो. कोंबयो जनेंलांचे पडवेर बसल्यो, कवडे पाखटे फडफडावन कण्ण्यांचेर बसले, मेंडरे आनी गायो दुकरां फाटल्यान गोठेल्यो आनी किर्ते तरी चाबडांवन तोंड हालोवंक लागल्यो. गाडयाक बांदपाचे दोन घोडे अेकटांय चलत आयले. ते ल्हवान चमकत येताले आनी आपली केंसाळ लाटी–पावलां जतनायेन फुडें घालताले, त्या सुक्या तणांत कोणूय ल्हान सान जीव-जिवकुटां मोनजात लिपिल्ली बी आसत म्हणपाचें येवजून. तांतली वलोवर, ही शावया सारकी जड–मोटी जाल्ली घोडी जावन आसली जी मदले पिरायेक लागीं पाविल्ली. चोवथें फावट वियेल्या उप्रांत तिचें आंग-पांग आदले भशेन घटमूठ उरूंक नाशिल्लें. दुसरो घोडो म्हळयार बोक्सर, व्हडली–वरीष्ट मोनजात जाल्ली, सुमार अठरा हात उंचायेचो आनी दोन सामान्य घोडयांक अेकटांय हाडून केल्ल्या येंदया बळकट ततुनायक घटायेचो. ताच्या नाखां सकयल्यान देंवतलो धवो पाट ताका अक्कल नाशिल्लो असो दिसपा सारको करतालो खरें म्हळयार ताची बुद्द तर पयल्या दर्ज्याची नाशिल्ली, पुण ताचो सबाव थीर आनी वावर कश्ट करपाची शक्त मोटी आशिल्ल्यान, ताका सगळे मान दिताले. घोडयां फाटल्यान आयली मुरयेल, ती धवी बोकडी, आनी बेन्जामीन, तो गाडव जो घरभाटांतल्या मोनजातीं मदीं सगळयां परस पिरायेन जाण्टो आशिल्लो आनी रागआयल्यार रोखडें उसळटालो. तो केन्नांय असो चुकुनूच तोंड उगडटालो म्हळयार जाता आनी जेन्ना जेन्ना तो तोंड उगतें करुन उलयतालो तेन्ना तेन्ना तो सदांच कसलो तरी टीका-

करपी-उदगार काडयलो देखीक : तो म्हणटालो कि देवान ताका जी शेंपडी दिल्या ती मुसांक आंबुडपा खातीर, पुण ती शेंपडी नाशिल्ली आनीं मूस नाशिल्लें जाल्यार अेकवेळ चड बरें जातलें आसलें. घरभाटांतल्या सावदां भितर तो अेकूच असो आसलो जो केन्नांच हांसू नाशिल्लो. कित्याक काय म्हुण विचाल्ल्यार, तो म्हणी कि हांसपा सारकें आपणाक तर कांयच दिसना. तरी आसतना, उगतेपणीं मानून घेनासतना, तो बोक्षराक भोव आदरान मानतालो; ते दोगूय आपलो आयतार अेकटांय जावन फळ बागिच्या पेल्यान उरल्ल्या ल्हान-सान बंये भितल्ले सुवातेर आपलो वेळ सारताले, अेकामेका बांगडा चरवताले पुण अेकामेकाकडेन केन्नाच उलयनासले.

घोडे निकतेच बसून गोठेल्ले जेन्ना त्या कडयांत बतकां-पिलांचे भिरें अेके रांगेन भितर येवूंक लागलें. तांची आवय भायर पडिल्ली. तीं ल्हवान चींव चींव करीत आनी अेके वटेन सावन दुसरे वटेन आडवीं तिडवीं चलत कोणाच्या पायां पोंदाक पडचीं न्हय म्हणपाची काळजी घेवून आपल्याक सुवात सोद-ताली. आपल्या मोठ्या फुडल्या दोंक्यान क्लोवरीन तांचे भोंवतणी अेक दुरीग कशें तयार केल्लें आनी बतकां-पोरांनी त्या दुर्गा भितर आपली चुंबी केल्ली आनी आनी थंयचे थंय तीं झेमेत न्हिदून पडलीं. निमाणें कडेन आयली मोली, मातशी-पिशी-शी, सोबीत धवी वोडी जी पयलीं. जोन्स् बाबाची गाडी ओडटाली. कितें तरी तोंडात हालयत ती भितर आयली, नटून-तटून साकरेचो कुडको चाबडायत, तिणें फुडले अेके रांगेंत आपलो जागो आडायलो आनी आपलो धवो-फुल्ल माने-कांटो असो तसो हालोवंक-धोलोवंक लागली. तांबड्या गुंज रिबिनांनी बेणी बांदिल्ल्यान ती सगळ्यांचें लक्ष आपले वशीं ओडपाची अित्सा दाखयताली. सगळ्यां परस निमाणें माजर आयलें. ताणें आपले भोंव-तणी नदर भोंवडायली आनी सदां भशेन आपल्या खातीर सगळ्यांत उबेचो असो जागो सोदलो आनी निमाणें बोक्षर आनी क्लोवर, हांचे मदेकत चिड्डून ताणें आपली सुवात आडायली; थंय बसून, व्हडल्याचें भाशण चलतना, तो म्हणटा तें अेक उतर आयकनासतना तें धादोसकायेन मियांवक लागलें.

आतां सगळीं घरभाटांतलीं सुकणीं सावदां हाजीर आशिल्लीं भायरा-वेन मोजेस, बावडें घरावी कावळ्या-बोकें जें फाटल्या दाराच्या फाटीं आशिल्ले अेके कण्णेर बशिल्लें आसलें. जेन्ना सगळ्यांनी आप-आपले भशेन आपलो जागो आडायल्लो म्हणपाचें व्हडल्यान पळोवन घेतलें आनी तीं जनावरां लक्ष घालून आयकूंक रावतात म्हणपाचें ताका कळून आयलें, तेन्ना ताळो सुरांटून

ताणें अशें सुरू केलें :

"सांगात्यांनो, कालचे रातीं म्हाका अेक आथर्वेंच सपन पडलें म्हणपाचें तुमी आयकलां जातलें. पुण सपनाची खबर हांव मागीर करतलों. ताचे पयलीं म्हाका आनीक कितें सांगपाचें आसा. म्हज्या वांगड्यांनो, तुमचे मदीं हांव चड म्हयनें उरत सो म्हाका दिसना. देखून, हांव मरचे आदीं, जें कितें गिन्यान-शाणेंपण हांवें मेळो वन घेतलां तें तुमचे सुवादीन करचें, हें हांव म्हजें कर्तव्य मानतां. म्हाका बरें लांबदिक आउक फाव जालां. म्हाका म्हजें गायरेंत अेकलोच अेकसुरो बशिल्लो आसतना चिंतपाक, मनन करपाक जायतो वेंळ मेळ्ळा, आनी हे धर्तरे वेल्या जीविताच्या चाल-चलणुकेची म्हाका समजिकाय मेळ्ळ्या, अशें म्हाका दिसता, जितली समजिकाय घडचे खंयच्याय जिव्या आशिल्ल्या मोनजातींक आसूंये. हे समजिकाये गिन्याना विशीं हांव तुमचे लागीं उलोंवक सोदतां.

"आतां, वांगड्यांनो, हें म्हाका सांगात पळोंवया. आमगेलें जीवित म्हळ्यार कितें? ह्या प्रस्नाक फुडो करूंया : आमचें जीवित अदृष्टाचें, वावरान भारावल्लें आनी मोठ्व्या कश्टाचें जावन आसा. आमी जल्माक येतांव आमच्या आंगा-पांगात अिल्लो स्वास तिगून दवरपाक जाय म्हणपाक फावो तितलेंशेंच जेवण खावळ आमकां दितात, आनी आमच्यांतल्यांक जांकां तांक आसा तांकां आमच्या शक्तिचो निमाणो कण गळच मेरेन वावर करपाक बळान लायतात, आनी ज्या वेळार आमची उपकाराक पडपी शक्त सोंपून येता तेन्ना भयांकृत क्रूरतायेन आमची गोमटी मारून उडयतात. अिग्लंडांत आशिल्ली खंयचींच मोनजात अेका वर्साचे पिरायेची जाल्या उप्रांत, सुखाचो वो आयत्या, उसरपतीच्या वेळाचो अर्थ समजूंक केन्ना पावना. अिग्लंडांत खंयचीच मोन-जात मेकळी ना. मोनजातीचें जीवित म्हळ्यार अदृष्ट आनी गुलांमपण जावन आसा : हेंच कि खेरलें सादें सरळ सत् जावन आसा.

"पुण जायतं हो सैम्बाच्या मांडावळिचो फकत अेक भाग? जायत घडये हो आमचो देस अितलो गरीब-दुबळो कि थंय जियेतल्यांक ताच्यान बरें-शें जीवित फाव करूंक जायना, व्हय? ना, म्हज्या सांगात्यांनो, अशें केन्नांच जांव नज, केन्नांच ना! अिग्लंडची जमीन पिकाळ जावन आसा, तिचें हवामान बरें बलायकेचें जावन आसा, तिच्यांत जेवणा-उत्पन्नाची येदी व्हडली तांक-शक्त आसा कि आयज थंय जियेतात ताचे परस कितल्याश्याच पटींनी

चड मोनजातींक जेवण दिवपाची तिच्यांत भरपूर तांक आसा. ह्या आमगेल्या अेकाच घरभाटाच्या म्हालवजार अेक डजन घोडे, बारा तरी गायो, शेंबर यांनी मेंडरे पोसूं येंतात – आनी ताचे वयर सगळयांनो आमच्यांनी आयज आमचे कल्पनेंत आशिल्ले परस चड मापान चैंनीन आनी भोवमानान जियेवूं येता. अशें जाल्यार ह्या अदृष्टाचे परिस्थितींत आमी अजून कित्याक लोळत आसांव, व्हय ? आमच्या हुमेन वारयल्ल्या वावराचें चड–शें फळ मनीस–जात आमचेकडल्यान कित्याक चोरून व्हरता, व्हय ? ही आसा, म्हज्या सांगात्यांनो, सगळचा आमच्या प्रस्नांची जाप ! अेकाच उतरान सांगचें जाल्यार–मनीस. मनीस, हो अेकूच आमचो खरेलो दुस्मान. मनश्याक काडून उडयात, आनी भुकेचें आनी आमकां चड–वावर करपाक लावपाचें मूळ कारण सासणाक नांच्च जातलें.

“ मनीस, हो अेकूच प्राणी जावन आसा जो उत्पन्न करीनासतना खाता–पिता. तो दूद दिना, तो तांतयां घालिना, जोत ओडपाक तो चड अशक्त आसा, सोंशे धरपा खातीर ताचे लागीं चड वेगान धांवूंक जायना. तरी आसतना तो सगळचा मोनजातींचो धनी जावन आसा. तो तांकां वावराक लायता, तीं जनावरां भुकेन मरना जावपाक पुरो तितलें उण्यांत उणें तो तांकां परत दिता आनी हेर सगळें आपुण आपल्याकूच दवरता. आमचो वावर जमीन कसून घेता, आमचें शेण तिका सारें दिता, आनी तरी आसतना आमच्यांत अेकलो ना जाच्या धनीपणाचें अेक कुस्कुट आसा, ताची निखटी कात सोडली जाल्यार. तुमी गायो ज्यो म्हजे मुखार हांगा म्हाका दिसतात, ह्या गेल्ल्या वर्सांत तुमीं कितले शेर दूद दिलां जायत ? आनी ह्या दुदाचें कितें जालें, ज्या दुदाच्या आदारान तुमचीं पाडकां-वासरां टुट्टीत घटमूठ जावंक जाय आसलीं. त्या दुदाचो अेक अेक थेंबो आमच्या दुस्मानाच्या गळचा सकला गेलो. आनी तुमीं कोंबयांनो, फाटल्या वर्सा कितलीं तांतयां घालींनांत ! आनी त्या तांतयांतल्यान कितलीं-शीं पिलां काडलीं जायत ? उरिल्लीं सगळीं बाजारांत गेलीं जोन्स्–सायबाक आनी ताच्या मनश्यांक दुडू हाडचे पासत. आनी तूं गे क्लोवर, तुवें काडिल्लीं चार पोरा खंय गेलीं गे ? तीं तुज्या म्हातारपणांत तुका तेंको आनी धादोसकाय फाव करपाक मेळटलीं आसलीं ! अेका वर्साचे पिरायेचें आशिल्लें आसतना प्रत्येकाक विकून उडचल्ल्यान, तांतलें अेकलें लेगित तुका केन्नाच पळोवंक फावलें ना. चार बाळांतेर आनी शेतांत सगळो श्रम-वावर करचे करून तुका केन्ना कितें मेळ्ळां गे बगर तुजें निखटें जेवणा–रेशन आनी रावपाक गोठो घोडवळ ?

" आनी तें अदृष्टांचे जीवित लेगित जें आमीं झरत-मरत नज व्हय काडटांव तें पसून सैम्बान थारायलां तितले तरी लांबायेचें आमकां खंयं मेळटा ? म्हजे खातीर हांव पिरंगना, कित्याक हांव भाग्यवानां मदलो अेक आसां. म्हजी पिराय आतां बारा वर्सांची जाल्या आनी म्हाका चारश्यां वयर भुरगीं बाळां जाल्यांत. ही जावन आसा अेका दुकराची सैम्बान थारायल्लो जीण. पुण खंयंचेच मोनजातीक निमाणे कडेन सुरयेचो क्रूर मार चूकना. तुमीं तन्नीं दुकरा-लयतांवां जीं म्हजे मुखार हांगा बशिल्लीं आसात, तुमच्यांतले दर-अेक दुकर अेका वर्सा भितर कापणेच्या मणकुटयाचेर गोमटी मारून किळंच्यो सोडीत मरतलें. त्याच भंयांकृत अनर्थाक आमी सगळीं पावतलीं– गायो, दुकरां, कोंबयो, मेंडरे, सगळयो मोनजाती, घोडयांक आनी सुण्यांक लेगित ताचे परस बरें नशीब ना. तूं, बोक्षर, ज्या दिसा त्या तुज्या हातांच्या पोवटांक शक्ती उरचीना, त्या दिसा जोन्स्बाब तुका घोडे मारप्या कडेन विकून उडयतलो. तो मनीस तुजी गोमटी मारतलो आनी शिकारे-सुण्याक खावळ तयार करपाक तुका उकडून काडटलो. सुण्यांचें सांगचें जाल्यार, जेन्ना तीं म्हातारीं आनी दांत-पडीं जातलीं तेन्ना जोन्स्बाब तांच्या गळया भोंवतणी अेक वीट बांदतलो आनी लागशिल्या अेका वोंडयांत उडोवन तांकां बुडोवन मारतलो.

" आतां सांगात, म्हज्या वांगडयांनो, कि आमच्या ह्या जीविताचीं सगळीं वायटां ह्या मनश्यांच्या जुलमांतल्यान उत्पन्न जातात, हें तुमकां निगूत, उगतें दिसना? फकत मनश्याक नांच्च करात आनी तेन्ना आमच्या श्रम-वावराचें फळ उत्पन्न आमचेच लागीं उरतलें. अेके राती भितर म्हळचार जाता आमी ताण गिरेस्त-श्रिमंत आनी मेकळे जातले. देखून आमीं आतां कितें करुंक जाय? कितें सांगूं, दिस आनी रात, सगळे आमचे कुडीन आनी आत्म्यान वावर-कष्ट करूंया आनी मनीस-जातीक निखळावन उडोंवया! होच म्हजो संदेश आसा तुमचे खातीर, म्हज्या वांगडयांनो : बंडाय करात ! ती बंडाय केन्ना घडून येतली तें हांव नकळों, ती घडये अेका सातोळयांत येत वो शेंबर-वर्सांच्या काळांत येत, पुण हांव जाणा, ह्या म्हज्या पायां पोंदाक आशिल्ल्या सुक्या-तणा अितले खरेले खात्रीत जाणा–कि आयज नाल्यार फाल्यां आमकां न्याय-नीत मेळटली. वांगडयांनो, तुमच्या उरिल्ल्या मोटव्या-श्या जीवितांत तुमची नदर ते मोखिचेर दवरात! आनी सगळयां परस म्हत्वाचें म्हळचार, हांवें दिल्लो हो निरोप तुमचे फाटल्यान येतल्या सगळयां जाणांक दियात, अशे भशेन कि फुडराक येतल्या पिळग्यांनी आमची चळवळ जैतीवंत

जाय मेरेन नेटान फुडें व्हरची.

" आनी हाची विचिरकाय धरात, म्हज्या वांगडयांनो, तुमचो निर्धार केन्नाच हालूंक-पडूंक दिवूं नाकात. खंयच्याच मुद्द्याक लागून तुमी तुमच्या मार्गा-वेले कडसरूंक फावना. केंन्नाच तुमच्या कानांनीं आयकनाकात जेन्ना तुमकां सांगतले कि मनीस आनी मोनजातीचे अितेरेस हेतू अेकूच जावन आसात, कि अेकाची बरेपणा-भरभराट दुसऱ्याचेर आटापून आसा. हीं सगळीं फटीगपणां. मनीस आपणाक सोडून खंयच्याच प्राण्यांचो अितेरेस कल्याण पळेना. आनी आमच्या मोनजातीं मदेकत संपूर्ण अेकवट आसूंक जाय, आमचे चळवळींत पुराय वांगडीपण. सगळे मनीस आमचे दुस्मान जावन आसात. सगळी मोनजात आमची वांगडी-सांगाती जावन आसा. "

हयाच खिणा आकांताची करांदाय जाली. जेन्ना व्हडलो उलयतालो तेन्ना चार मोठे हूंदीर आपल्या बिळांतल्यान भायर सरिल्ले आनी फाटल्या पायांचेर उकडयां बसून कानांत तेल घालून म्हळ्ळें भशेन ताका आयकताले. सुण्यांनी तांकां रोखडेंच आपणाल्या नदरेंत फारायले. आपणाल्या बिळां कडेन झपझपीत धांव माल्ली देखून हुंदरांनी आपलो जीव बाटायलो. तेन्ना व्हडल्यान आपलें दावकूल उबारून मोवन पाळात म्हणपाचें फर्मायलें.

" वांगडयांनो, " ताणे म्हळें, " हांगासर अेक प्रस्न आसा जाचेर आमी थारावणी घेवपाक जाय. रानवटी प्राणी, हुंदीर आनी सोंश्यां सारकेले, ते आमचे अिष्ट वो दुस्मान, हें सांगात पळोंवया! हें मतदानाक घालूंया. ही प्रस्न हांव हाजीर जाल्ले हांगाचे सभेमाजार मांडटां : हुंदीर, हे आमचे सांगाती जाल्यार तुमीच सांगात! "

मतदान रोखडेंच घेतलें. आनी चडांत-चड भोवमतान अशें थारायलें कि हुंदीर सांगाती जावन आसात. तांतूंत फकत चार जाणांनी ना म्हणपाचें मत दिल्लें. तांतलीं तीन सुणीं आनी एक माजर जावन आसलें. हया माजरान खंय दोनूय वटेन आपलें मत दिल्लें, अशें मागीर हीलमून आयिल्लें. उप्रांत व्हडल्यान फुडें म्हळें :

" म्हाका आनीक भोव थोडें सांगपाचें आसा तें हांव फकत परतें अेक फावट सांगतां, मनीस आनी ताच्या सगळया चाल-चलणूकेचेर दुस्मानपण

चालू दवरपाक तुमचें कर्तव्य जावन आसा, हें तुमीं सदांच ध्यानांत दवरात. दोन पायांचेर जें कितें चलता तें तुमचें दुस्मान. जें कितें चार पायांचेर चलता वो जाका पाखां पाखटे आसात, तें आमचें अिष्ट. आनी हेंय लक्षांत दवरात कि मनश्या आड झजतना आमीं ताचे भशेन दिसूंक फावना. जेन्ना तुमी ताचेर जैत जोडटले तेन्ना ताचीं व्यसनां तुमी आपणांव नाकात. खंयच्याच मोनजातीन अेका घरांत रावून-जियेवन बिराड करुंक जायना, वो बाज्जेर हिन्दूंक फावना, वो न्हेसण-वस्त्र न्हेसूंक फावना, वो सोरो पियेवंक जायना, वो धुमटीं वो तंबाखू ओडूंक फावना, वो दुडवांक हात लांवक जायना, वो वेपार-धंदो करुंक फावना. मनश्याच्यो सगळयो संवयो वायट जावन आसात. आनी सगळयां परस म्हत्वाचें म्हळचार खंयचेच अेके मोनजातीन दुसरे मोनजातीचेर जुलूम चलोवपाक जायना. दुर्बळ जांव वो घटमूट जांव, शिटूक वो सादीं-भोळीं जांव, आमीं सगळीं अेका-मेकाचीं भांवडां जावन आसात. खंयचेच अेके मोनजातीन हेर मोनजातीक जिवानशीं मारुन उडोवंक जायना. सगळी मोनजात एकसारकी जावन आसा.

" आनी, आतां, म्हज्या वांगडयांनो, म्हाका रातीं पडिल्ल्या सपना विशीं हांव तुमकां सांगतां. तें सपन म्हज्यान तुमकां अिल्ल्या अिल्लें वर्णून सांगूंक जायना. मनीस पृथवी वेलो जेन्ना नाच्च जातलो आसतलो ते परिस्थितींत आशिल्ल्या फुडाराच्या संवसाराचें तें सपन जावन आसा. पुण ताका लागुन हांव कितलो तेंप विसरुन गेल्लों त्या कित्याचो तरी म्हाका उगडास जालो. जायतीं बर्सां आदीं जेन्ना हांव ल्हान-सान दुकर आशिल्लों, तेन्ना म्हजी आवय आनी हेर लयतांवां पोन्नें-शें अेक गीत मायतालीं, जाचीं तीं फकत ताल आनी पयलीं तीन उतरां जाणा आशिल्लीं. म्हज्या ल्हानपणांत हांव तो ताल जाणा आशिल्लों, पुण तो म्हजे मतींतलो उडून गेल्यार जायतो तेंप जालो. फाटले रातीं जाल्यार तें पद म्हज्या सपनांत म्हाका परतें गावन आयलें. आनी ताच्याय परस चड म्हत्वाची गजाल म्हळयार, त्या पदाचीं उतरांय म्हाका परतीं आयलीं – तीं उतरां, म्हाका खात्री आसा, पैशिल्ल्या काळा-वेल्या मोनजातीन गायल्यांत आसतलीं आनी उप्रांत पिळग्यान पिळग्यांच्या उगडासांतलीं तीं भायर पडल्यांत. वांगडयानो, हांव आतां तें पद तुमकां म्हणून दाखयतां. हांव जाण्टो म्हातारो जालां खरों आनी म्हजो ताळो पडला, पुण जेन्ना हांवें तो ताल तुमकां शिकयलो तेन्ना तुमच्यांनी तें पद तुमचे पासत ताचे परस बरे रितीन म्हणूंक जातलें. ताचें नांव " अिंग्लंडची मोनजात जावन आसा."

जाण्टेल्या-व्हडल्यान ताळो सुराटून गावपाक सुरु केलें. जशें ताणें

सांगिल्लें, ताचो ताळो पडिल्लो, पुण तरी आसतना ताणें तें बरे भशेन गायलें आनी तो ताल भोव मोवाळषी, काळीज हालोषपा सारको आसलो, "क्ले-मेंतीन" आनी "ला कुकुराचा" ह्या भोव बळखिच्या पदांमदीं कितें तरी मेळ घाल्ले भशेन उतरां अशीं आशिल्लीं :

अिंगलंडचे, आयरलैंडचे मोनजाती,
सगळ्यां देसां, वाठारां मोनजाती,
आयक म्हजी धादोस खबर, आयक,
फुडाराच्या भांगरा-काळाची मे.

आयज वो फाल्यां रोखडें येतलो दिस
जुलुमदार मनीस निखळटलो,
आनी अिंगलंडचीं फळादिक शेतां
फकत मोनजात अेकलीच माडितली.

ना जातल्यो आमच्या नाखांत मुदयो,
आमचे फाटीवेलें जूं ते जोडे,
धांवें-मुस्तायकी गा कळंबेतली,
क्रूर चाबूक केन्नाच मारचें ना.

कल्पनेंतल्या पेल्यान गिरेस्तकाय,
गंव, बार्ली, ओट्स, पेंड, तण,
फुलां-तण, हळसांदे, हेर चरव,
आमचोच जातलो भाग्यवान दिसा.

अिंग्लंडचीं शेतां लकलकतलीं
तिचीं उदकां जातलीं नितळ-निर्मळ,
ज्या दिसा गो आमीं जातलीं मेकळीं,
तेन्ना गोडयेन वारें व्हांवतलें.

त्या दिसा पासत वावुरचें आसा,
जरी त्या पयलीं आमीं मरुन वचत;

गोरवां, घोडे, कुकडां, बतकां, पेरवां,
सगळ्यांनी वावुरचें गा मेकळिकेक !

अिग्लंडचे, आयरलैंडचे मोनजाती,
सगळ्यां देसां, वाठारां मोनजाती
आयक बरे भशेन, पातळाय खबर
फुडाराच्या भांगरा-काळाची गे!

हें पद म्हणनां फुडें सगळींच जनावरां सुमाराभायर खोशयेच्या भारान उचांबळून आयिल्लीं. व्हडल्यान भाशण सोंपोवच्या सुमाराक ताणीं आप-आपले रितीन तें पद गावूंक सुरु केल्लें. तांच्यां मदल्या सगळ्यांत अजाण-अन्नाडी मोनजातीन लेगित तो ताल आपणायल्लो आनी तांतली थोडीं उतरांय बी पाठ केल्लीं आनी तांतल्या हुश्यार मोनजातींनी, जशीं दुकरां आनी सुणीं, थोडया मिनटां भितर सगळें-सगट पद घसघशीत तोंड-पाठ केल्लें. आनी मागीर, थोडे फावटीं फयले-वयले प्रयत्न केल्या उप्रांत, एका ताळ्यान, व्हडल्यान "अिग्लंडची मोनजात" हें पद मोनजातीन भरिल्लें सगळें घर-भाट ताळो सुरांटून आनी वाळवो पेंचून गावूंक लागलें. गायो हांबेताल्यो, सुणीं भोंकतालीं, मेंडरे रडटाले, घोडे रेंकायतालें, बतकां कोकायतालीं. त्या पदाच्या भारान तीं अितली खोशालभरीत जाल्लीं कि एका मागीर एक ताणीं तें पद पांच फावटीं गायलें. घडये सगळी रात तीं तें पद म्हूणत रावतलीं आसलीं जरी तांकां आडावंक नाशिल्लीं जाल्यार.

तांच्या पाडया नशीबान म्हूणूक जाय, त्या करादायेन जोन्स्‌बाबाक उठायलो. तो बाज्जेवेलो सट्ट करुन उठलो, आपल्या घरा-आंगणांत कोण तरी कोलो आयला म्हणपाची सुलूस लागिल्ले खात्रीन-असो. ताचे न्हिदचे-कुडींतल्या कोनश्याक दवरिल्लें तें आर्म-बन्दूक ताणें हातांत घेतलें आनी तांतूंत स नंबरी मुनीसांव भरुन ताणें काळखांतल्यानूच भायर फारान मारल्लें. मुनीसावांच्यो गुळ्यो वचून घरभाटाच्या घरां वण्टींनी रोंबल्यो आनी सभा घेतिल्ली ती त्या वडबडान मोडून विस्कळीत जावन पडली. जण-एकली मोनजात आप-आपल्या न्हिदच्या जाग्यार धांवली. सुकणीं आपल्या राबित्यार वचून बसलीं, जनावरां सुक्यातणाचेर वचून गोठेवन पडलीं, आनी सगळें घरभाट एका खिणांत न्हिदून शांत जालें...

आवेस्वर-२

तीन राती उप्रांत जाण्टेलो व्हडलो न्हिदेंतूच सस्ततायेन भायर पडलो. ताचें मडे फळां-बागिचे अेके कुशीक पुरुन निकिपिलें.

हे जालें मार्सच्या पयल्यां-वयल्यां दिसांनी. ताच्या फुडें येतल्या तीन म्हयन्यांच्या काळांत घरभाटांत जायत्यो हालचाली जावंक लागल्यो. व्हडल्याच्या भाशणा वरवीं घरभाटांतल्या चड-हुश्यार आशिल्ल्या मोनजातींक जिणेकडेन पळोवपाची सामकी नवी नदर फावो जाल्ली. व्हडल्यान भाकीत केल्ली बंडाय केन्ना खरेपणांत येवपाची आसली, हें मात्त तीं नकळ आशिल्लीं. आप-आपणाल्या जिणें-काळांत तें घडून येत काय ना म्हणपाचें निश्चित येव-जूंक तांचे लागीं पुरावे तर नाशिल्ले, पुण त्या फडें येतल्या वेळा-काळा खातीर तयार जावपाचें तांचें कर्तव्य जावान आसा म्हणपाचें तर तांकां निगूतपणीं दिसलें. हेरां सुकण्यां-सावदांक शिकोवपाचें आनी संघटीत करपाचें काम सबावीकपणी दुकरांच्या खांदार पडलें. मोनजातीं भितर दुकर हे सगळच्यांत हुश्यार-ठोक म्हणपाचें भोवतेक मानपांत येतालें. दुकरां मदीं म्हत्वाचे अशे दोग सोलग-दुकर आशिल्ले जांचीं नावां म्हळचार स्नोबॉल आनी नापोल्यांव. ह्या दोगां सोलगांक जोन्स्बाब विकरे खातीर म्हणून घबघुबीत जावचे तयारेन खावोवन पोसतालो. नापोल्यांव म्हळचार अेक दाटो-मोठो, मात्सो रागीष्ट उजो-वोंकपी दिसतलो बर्कशायर जातीचो दुकर. त्या घरघाटांत तर तो अेकूच बर्कशायर जातीचो दुकर आसलो. तो चड उलयनाशिल्लो पुण आपणांक जाय तशें तो करुन घेवपी म्हणपाची ताची कीर्त आसली.

कीर्त हेरां मोनजातीं लोकां मदीं पाविल्ली नापोल्यांवां परस स्नोवबॉल चड सुटसुटीत, जिवीतभरीत दुकर आशिल्लो उलोवपाक सडसडीत आनी भोव युक्ति माण्णेंचो पुण ताच्या सबावांत फाव तितली खोलाय नाशिल्ली, अशें धरताले. घरभाटांतले हेर सगळे सोलग-दुकर मासाक मारपा खातीर म्हणून पोशिल्ले. हांतले भितर सगळचांत चड वळखिचो म्हळचार ल्हान-सान दाटो-मोठो अेक दुकर आसलो जाचे नांव स्क्वीलर (Squealer) वो बोबाटियो. ताचे पोले गोल-गुलगुलीत, दोळे बिसबिशीत, चाल ल्हवल्हवीत आनी ताळो-आवाज किचरांटी. तो उलोवपांत लापिट आसलो, आनी जेन्ना अेका कठीण मुद्द्याचेर तो आपली बाजु विचार मांडटालो तेन्ना ताची उलोवपाचा रीत वेगळीच मोवाळपी अशी जाताली. तो अेके वटेंतल्यान दुसरे वटेन उडक्यो मारतालो आनी आपली शेंपडी घुंवडायतालो. हें हेरांक बरेंच समज-घालपी अशें दिसतालें. हेर जाण बोबाटिया विशीं उलयतना म्हणटाले कि ताच्यान काळें आसा तें सोंपेपणीं धवें करूंक जाता.

ह्या तिगांय सोलग-दुकरांनी व्हडल्याची शिकोवण अशे रीतीन वावरून तयार करून मांडिल्ली कि ती आतां विचारांची अेक संपूर्ण संघटीत माळ-मांडावळ जाल्ली. तिका ताणी मोनजातीवाद, अशें नांव दिल्लें. सातो-ळचांतल्या साबार राती, जोन्सबाब न्हिदेक गेल्या उप्रांत, त्या कडचांत त्यो मोनजाती गुपीत सभा घेताल्यो आनी मोनजातीवादाचे सिद्धांत तत्वां हेरां जनावरां मुखार विस्काटावन मांडटाल्यो. सुरवातेक तांकां जायतें अन्नाडीपण आनी निरस आयकुपी मेळ्ळे जांकां त्या तत्वगिन्याना सापूच पडूंक नासलें. कांय जनावरां जोन्स्बाबाकडेन आपणें अमानदारी राखचेल्या कर्तव्या विशीं उलय्तालीं. ताका ती 'सायब' म्हणून उल्लेखतालीं, वो कांय अशे किरकोळ उदगार काडटलीं, जशे : जोन्सबाब आमकां पोसता, तो गेलो जाल्यार आमी उपाशीं मरतलीं.' हेरांनी हाचेर असले प्रस्न केले: 'आमी मेल्या उप्रात कितें जातलें, हाचेर आमी कित्याक हुसको काडचो?' वो 'ही बंडाय तर कशीय जाल्यार जावपाचीच आसा; तर आमी ते खातीर वावुरतात कि ना, हांतूंत कितें फरक पडपाचो आसा?' अशें आसून, ही सगळीं चितना मानजाती-वादाच्या मना आड वेतात म्हणपाचें तांका पटोवन दिवपाक दुकरांक भोव कठीन लागतालें. सगळचां परस अक्कल नाशिल्ल्याचो प्रस्न धवे घोडयेन, मोलीन विचाल्लो. तिचो पयलोच प्रस्न जो तिणे स्नोबॉला लागीं विचाल्लो तो हो : बंडाये उप्रांत तर अजून साकर मेळत रावतली गा?'

'ना, ' अशें स्नोबॉलान कडकडीत सांगलें. 'ह्या घरभाटांन साकर

तयार करपाक आमचे लागीं साधनां नात. हेरशीं जाल्यार पसून तुका साकरेची गरज ना. तुका लागत तितले ओट्स आनी सुकें-तण मेळटलें.'

'आनी म्हज्या मानें-कांटचार म्हाका अजून रिबिनां-फितां लावक मेळटलीं गा व्हय?' मोली फुडें विचारूंक लागली.

'सांगात्या,' स्नोबॉलान निश्टुरायेन सांगले, 'तीं रिबिनां-फितां जांच्या तूं अितलें मोगान आसा तीं गुलामपणाचें बिरुद जावन आसा. रिबिनां-फितां परस मकळीकेक चड मोल आसा, हें तुका समजना व्हय?'

मोलीन मानून घेतलें पुण आपल्याक सामकें पटलां म्हणपाचें फावो तितलें उगतेपणीं थावें कलें ना.

घरावी बाबडचा कावळचा बोक्यान मोजेसान पातळायल्ल्यां फटीं आड उपाय घेवपाक दुकरांक ताचे परस चड कठीन चळवळ-कष्ट करचे पडले. मोजेस, हें जोन्स्‌बाबाचें चड अपुर्बायेचें कावळचा-बोकें, तें खबरकाडें आनी चाडियो-करपी, पुण तें ठीक उलोवपी जावन आसलें. तें म्हणटालें कि आपुण अेका गुढार्थ देसाची खबर जाणा, ज्या देसाक Sugarcandy Mountain (साकरे-बाळांचो पर्वत) म्हणून वळखतात, ज्या दोंगरार सगळीं सुकणी सावदां मेल्या उप्रांत वचून रावतात. मोजेस सांगतालें कि तो पर्वत मळबाकडेन खंय तरी आसा, कुपां पसून थोडचा अंतराक पयस. साकरेच्या पर्वतार सातोळचाचे सातूय दिस आयतार आशिल्लो, वसूंय-भर क्लोवर फुला-पानां फुलतालीं आनी थंयच्या वंयां भितर खडी-साकर आनी तेला-पेंड पिकतालीं. हेर सुकणीं-सावदां मोजेसाचो द्वेस करतालीं कित्याक तें काणयो मात सांगतालें पुण कुस्कुटाचें काम करी नासलें. पुण तरीय कांय जाणां साकरे पर्वत खरो असा म्हणून मानतालीं; आनी तसली सुवात अस्तित्वांत ना म्हणपाचें पटोवन दिवचे खातीर दुकरांक जायते मुद्दे मांडून कश्ट काडचे पडले.

दुकरांचे चड निश्टेवन्त शिश्य म्हळ्यार ते दोगूय गाडचां-घोडे, बोक्सर आनी क्लोवर जावन आसले. आप-आपल्या खातीर कितेंय आपल्याच मतींतल्यान चिंतपाक तांकां भोव कठीण लागतालें. दुकरांक आपणाचे शिकोवपी म्हणून ताणीं मानून घेतिल्ल्यान, तांकां सांगिल्लें सगळें ते ओडून आपणावन जिरोवन घेताले आनी साद्या मुद्द्यांनी मांडून तें हेरां सुकण्यां-सावदांक पाव-

येताले. भाता-कडर्चात जातल्या गुपीत बसकांनीं ते येवपाचे केन्नाच चुकनासले आनी सभा सोंपता तेन्ना सदांच गावून येतलें. 'इंग्लंडची मोनजात' पद म्हणपाक सदांच फुडाकार घेताले.

आतां, जशें घडून आयलें, कोणेंय अपेक्षा केल्लीं ताच्या परस कितलेशेच बेगीन आनी सोंपेपणीं बंडाय घडोवन आयली. फाटीं गेल्ल्या वर्सांनीं जोन्स्बाब जरीय निश्टूर-कडक सायब आशिल्लो, तरीय तो कर्तूत्वदशी शत-भाटकार आशिल्लो. पुण हालिंच्या तेंपार तो वायट भेसार पावल्लो. अेका देमांदांच्या जाळचांत सांपडिल्ल्यान ताजे दुडू वगडावल्ले, जाका लागून तो सामकी निर्शेवन पडिल्लो आनी सोऱ्या-बाटलेचे वेंगेंत मुंगारिल्लो. दिसांचे दिस सतत तो आपल्या विडसर कदेलांचेर कुजनांत (रांदचे कुडींत) लोळून पडटालो, खब्रेपत्रां-नेमाळीं वाचतालो, सोरो पियेतालो आनी केन्ना केन्नाय बियेरान फुगयल्ल्या उंडचाच्या कुडक्यांचेर मोजेसाक भरयतालो. ताचे वावराडी मानाय बेकार-लोंवडी, आळशी बेयमान जाल्ले, शेतांत नेर मातिल्लो, घरांचे पाडस घडघडिल्ले, आडे-वंयांचेर लक्ष दिवंक नाशिल्ले, आनी घरभाटांतल्या सुकण्यां सावंदांक फाव तीं खाण-खावळ पडनाशिल्लीं.

जून म्हयनो आयलो आनी तण मातन मरपाक तयार जाल्लें. म्हळचार जाता गिमाळेचाच्या मदल्या काळार येतले परबेचे आदले सांजे, जो दिस शनवार आशिल्लो, जोन्स्बाब विलिंगडन शारांत गेलो आनी रेड लायन (Red Lion) बारांत पियेवन अितल्लो लाब जावून बेबंदो जालो कि तो घरा परतलो तो फकत आयतारा दिसा दनपारचो. मानायांनी फांत्याक उठून गोरवां बोकडचांचें दूद काडिल्लें आनीं मागीर ते सोंशे धरूंक गेल्ले, सुकण्यां सावदांक खावळ घालूंक जाय म्हणपाचेर लक्ष दिनासतना. जेन्ना जोन्स्बाब परतो आयलो तेन्ना तो रोखडोच वचून वसऱ्यांतल्या सोफाचेर पडलो आनी थकून पडिल्ल्यान न्हिदेंक गेलो, "News of the World" (सर्वसाराची खबर) खब्रेपत्र ताच्या तोंडार पडून आशिल्ले. जेन्ना सांज पडली तेन्ना मेरेन सुकण्यां-सावदांक खावळ पडूंक नाशिल्ली. निमाणेकडेन, तांच्यान अदीक सोंसूंनज जालें. अेके गायेन आपल्या शींगांनी मुस्तायके-कुडीचें दार फोडून उडयलें आनीं सगळ्या सुकण्यां-सावदांनी आप-आपणाक जाय ते भशेन कडचां-तली गोठो खावळ बचकांनीं चपकायली. त्याच वेळार जोन्स्बाब उठलो. रोखडेंच तो आनी ताचे मनीस, हातांत चाबकां घेवून, सगळ्या दिकांनी धाडाय-बडयात करीत मुस्तायके-कुडी भितर सल्ले. हें कर्तुप तर त्या

उपाशी वळवळटल्या मोनजातीच्या सोशीकपणा भायर पाविल्लें. अेकजुटीं, अेका मनान जाल्ले भशेन, जरी आदी-फुडें कांयच आंखूक-येवजूंक नाशिल्लें, आपणांक त्रास दितल्यांचेर तीं जनावरां सामकां रागान सुटून पडलीं. जोन्स् आनी ताच्या मानाबांक हें अपेक्षा नाशिल्लें अक्रमण घड्न आयलें, तांकां, धोंग-शितालीं आनी लाटी-खोंटांनी तीं मार घालतालीं. परिस्थिती हाताभायर पाविल्ली. मोनजाती हे भशेन वागतात तें ताणीं केन्नाच पळोवंक नाशिल्लें. आनी हो अवचितूच जाल्लो उठाव ह्या जनावरांचो जांकां जाय ते भशेन धाडावपाची बडोपाची आनी वायट रीतीन वागपची तांका संवय जाल्ली, तांकां हिस्पा-भायर भिरांतीचा कांपेऱ्यान भल्ले. फकत अेक वो दोन खिणां उप्रांत आपणाची राखण करपाचो प्रयत्न ताणीं सोडून दिलो आनी ते पळत सुटले, जीव आसल्यार भीक मागून खायन म्हणून. अेका मिनटा उप्रांत ते सगळें पांचूय जाण मुखेल रस्त्या कडेन वेतल्या गाडचा-वाटे वेल्यान धांवत सुटिल्ले. तांचे फाटोफाट जैतीवन्त सुकणीं-सावदां धांवतालीं.

जोन्सा-गेले बायलेन आपले न्हिदचे-कुडीच्या जनेलांतल्यान भायर पळेलें, कितें जाता तें बरेभशेशन रेखलें-देखलें, गडगडीत थोडचो-श्यो वस्तू अेका गालिच्याच्या बेगांत घाल्यो आनी दुसरे आड-वाटेन घरभाटांतल्यान रोखडीच कूस माल्ली. मोजेस आपल्या गोठेल्ल्या जाग्या वेलें उठले आनी तिचे फाटल्यान पाखां फडफडायत सुटलें, व्हडल्यान बोब आरड घालीत. अितले म्हणसर सुकण्यां-सावदांनी जोन्स् आनी ताच्या मानायांक धांवडावन धांवडावन रस्त्याचेर पावयल्ले आनी तांच्या फाटल्यान पांच-आडांब्यांचो दारवंटी सण-सणीत गडगंज बरो धांपून घाल्लो. आनी अशे रीतीन, कितें जाता ताची पुरी जाणविकाय मेळचे पयलीं लेगित, बंडाय येशस्वी रीतीन सार्थी पावयल्ली : जोन्साक धांवडायल्ली, आनी व्हडलें घरभाट आतां मोनजातीच्या धनीपणाचें जाल्लें.

पयल्या-वयल्या खिणांत आपणाच्या वांट्याक येवें व्हडलें सुखी. भाग्य आयलां म्हणपाचें सत्मानूक सुकण्यां सावदांक भोव कठीन-शें लागलें. तेन्ना तांची पयलीच करणी म्हळचार घरभाटाच्या शीमे-निसां-वेल्यान भोंवाडे मारीत अेकटांय धांवत वचपाची जाली, तातूंत खंयीं मनीस बी लिपून उरूंक ना महणपाचे खरें करपाक जाल्ले भशेन; मांगीर जोन्साचे द्वेस-केल्ले राज-वटकेच्यो निमाण्यो खुणा पुसून काडचे खातीर तीं परतीं घरभाटाच्या घरां मदीं धांव-धांवत गेलीं. घोडयां गोठयाच्या लागीं आशिल्ली धांवें-मुस्ताय-

केंची कूड ताणीं फोडून उगती उड्चली; तोंडावेले जोडे, नाखांत्ल्यो मुद्यो, सुण्यांच्यो सांखळयो, क्रूर सुरयो ज्यो घेवून जोन्स्बाब दुकरांक आनी मेंढ्यांक कपांत करतालो, ह्यो सगळ्यो वस्तू ताणीं भायर मारून बांयंत उडचल्यो. नांवें आनी संबंदीत मुस्तायकी अेकटांय करून आंगणांत भगभगीत जळटल्या कोयराच्या, उज्या आगटयांत शेवटून माल्ली. तशींच चाबकांत्याच उज्यांत मोखून माल्लीं. जेंन्ना चाबकां उज्यांत जळटलीं सुकण्यां–सावदांचें नदरेक पडलीं. तेन्ना ताणीं खोश्येच्यो उडश्यो उडयो माल्ल्यो. बाजाराच्या दिसानीं घोडयाच्या माने कांटचार आनी शेंपडयांक बांदून नेटयतलीं रिबिनां-फितांय बी स्नोबॉलान उज्यांत शेवटून माल्लीं.

'रिबिनां', ताणें म्हळें, 'हीं आंगाचीं लेखूंक जाय, जीं मनश्यांची लक्षणां जावन आसात. सगळया सुकण्यां–सावदांनी नागडीं उगतीं भोंवूंक जाय.

जेन्ना बोक्षरान हें आयकलें तेन्ना आपुण गिमाळयांत वापुरतालो तें अेक सुक्या–त्तणा चेपें जे ताच्या कानां पसून मुसांक पयस दवरतालें, ताणें हाडलें आनी हेर वस्तूं वांगडा तेंनूंय उज्यांत माल्लें.

थोडयाच वेळा भितर मोनजातीन सगळें जें कितें तांकां जोन्स्बाबाचो उगडास काडटालें तितलेंय ना-नापश्यात करून उडयल्लें. नापोल्यांवान ताकां परतीं कडयांत व्हेलीं आनी सगळयांक दुपेट रेशन दिलें-वांटलें, सुण्यांक दोन दोन बिस्किटीं. मागीर ताणीं ' अिग्लंडची मोनजात ' सुरवाती पासून अखेर मेरेन सतत सात फावटीं म्हळें, आनी ताचे उप्रांत ते राती खातीर तीं जनावरां सुखावलीं आनी ह्या आदीं केन्नाच न्हिदूंक नाशिल्लीं तितली ती सूस्त न्हिदलीं.

पुण तरीय तीं सदां भशेन फांत्याक उठलीं आनी अकस्मात तांकां ह्या वैभव-आनंदाच्या घडगेचो उगडास आयल्या उप्रांत, ती सगळीं अेकटांय चरवा–मराळ धांवधांवलीं, चरवा–मळा पसून थोडया वाटेक पयस अेक ल्हान-शी दोंगुल्ली आसली जाचे वयर रावून चड–शें घरभाट बरे भशेन दिसतालें. सुकण्यां–सावदांनी ते दोंगुल्लेचे तेंगशेर धांव माल्ली आनी सकाळच्या निगूत-निवळ उजवाडान ताणीं आपले भोंवतणी नदर भोंवडायली. व्हय, खऱ्यांनीच तें घरभाट तांचेंच जाल्लें-हें सगळें जें तांकां दिसतालें तें आता तांच्याच धनीपणाचें जाल्लें! त्या विचाराच्या आनंदान भुरकुटून तीं खेळत धांवत रावलीं, व्हडल्या उतसाहान तीं उडक्यो मारूंक लागलीं. तीं दवान लोळूंक लागलीं. गिमाळयांतले पांचवें चार गोड तण ती घांसाभरीत खांवू

लागलीं. आनी ताचो परमळीत वास नाकयां हुंगून संतोसुंक लागलीं. मागीर ताणीं सगळचा घरभाटाची सर्वेक्षणा-भोंबडीं काडली आनी तोंड धांपून तें जोताचें शेत, तणाचें मळ, फळांची बाग, उदकाचो वोंडो आनी ल्हान-शें लांकड़ां-रान तीं अजापान तोखेतालीं. अशें दिसतालें कि ह्यो वस्तु ताणी ह्या आदीं केन्नाच पळोवंक नाशिल्ल्यो, आनी आतां लेगित त्यो तांच्या धनी-पणाच्यो जाल्यात म्हणपाचेर तांचो भोव थोडो विस्वास बसतालो.

मागीर तीं अेकामेका फाटल्यान रांगेंत परतीं घरभाटाच्या घरांमदीं आयलीं आनी मुखेलघराच्या दारा भायर येवून तीं मोन्यांनी थांबलीं. तेंय घर तांचेंच जाल्लें खरें, पुण तांतूंत भितर वचपाक तीं आडखळ्ळीं आनी भियेलीं. तरीय अेका खिणा उप्रांत स्नोबॉलान आनी नापोल्यांवान आपलो खांद मारुन लोटून तें दार उगतें उडयलें आनी सुकणीं सावदां अेके रांगेंत तांतल्यान भितर सल्लीं. कितेंय आदळून आडवें पडत म्हणपाचे भिरांतीन तीं व्हडा जतनायेन चलतालीं अेके कुडींत थांवन दुसरे कुडींत तीं आवाज करीनासतना फुडल्या पायां-बोटांनीं चमकतालीं, फुतफुतपा परस चड आवाजान उलोवपाक भिये-तालीं; आनी अेके तरेच्या अजापान थंय दिसतले वस्तुंचेर नदर थिरायतालीं; सत्मानपाभायल्यो चैनीच्यो वस्तू, पाखांनी भरिल्ल्या कुलच्यांव-गादयांच्यो बाज्जो, पळोवपाचे हारशे, घोडचा केंसांचे-केल्ले सोफा, ब्रसेल्सची गालिचा, वसऱ्याच्या कोमदार लायिल्लें विक्टोरया राणयेंचें फातरार कांतयल्लें रंगीत चित्र. हें पळोवन जाल्या उप्रांत तीं सोपणां वेल्यान निकतींच देंवतालीं जेन्ना मोली ना म्हणपांचें तांकां कळून आयलें. परतीं वचून ताणीं सोदल्या उप्रांत अशें कळून आयलें कि सगळचांत बऱ्या-सोबीत अश्या न्हिदचे-कुडींत वचून तें फाटीं राविल्लें ताणे जोन्सा गेल्या बायलेच्या न्हेसपा मेजावेलें निळचा रंगाचें अेक रिबिनां-फित काडिल्लें आनी तें आपल्या खांद्या लागीं दवरुन तें पिश्या भशेन आपुण-आपल्याकुच हारश्यांत पळोवन तोखेतालें. हेरांनी ताका तोंड फोडून तापयलें आनी तीं सगळीं भायर सरुन गेलीं. कांय दुकरा मासाचे कुडके जे रांदचे-कुडींत उमकळटाले ते ताणी काडून घेतले आनी पुरुंक म्हणून व्हेले, आनी थंय आशिल्लें बियेराचें बल्ल बोक्षराच्या लाटिची अेक खोंट मारुन आडवें उडयलें. हरशीं घरांतल्या हेर खंयचेच वस्तूक ताणीं हात लायलो ना. थंयचे थंय अेकमत्तान अेक थाराव पास केलो कि हें मुखेलघर पोरणावळी-घर म्हणून आसा तशेंच राखून दवरचें. सगळचांनी मानून घेतलें कि ह्या घरांत खंयच्याच मोनजातीन बिराड करुन जियेंवचें न्हय.

सुकण्यां–सावदांनी आपलो नश्तो केलो, आनी मागीर स्नोबॉल आनी नापोल्यांवान तांकां आनीक अेक फावट अेकटांय आपयलीं.

'सांगात्यांनो,' स्नोबॉलान सांगलें, 'आतां साडे-स वरां जाल्यांत आनी आमचे मुखार लांबदीक अेक दिस आसा. आयज आमी सुक्या तणाची लुवणी सुरू करया. पुण ताचे पयलीं करपाचें आमका आनीक अेक काम आसा.'

दुकरांनी आतां सगळ्यांक कळयलें कि फाटल्या तीन म्हयन्यांच्या काळांत ताणी आपुण–आपणाक वाचूंक आनी बरोवंक शिकोवन घेतलां अेका वाचपा–बरोवपा पुस्तकावेल्यान, जें पुस्तक जोन्सबाबाच्या भुरग्यांचें जावन आसलें आनी कोयराच्या राशीर पडिल्लें आसलें तें तांकां मेळिल्लें. नापोल्यावान कांळ्या आनी धव्या तेला रंगाचे धबे मागयले आनी हेरांक घेवून तो त्या मोटया पांच–आडांब्यांच्या दारवंटया लागीं गेलो, जो दारवंटो मुखेल–व्हडल्या रस्त्यार उगतो जातालो. मागीर स्नोबॉलान (कित्याक स्नोबॉलूच बरोवपाक चड बरो जाणा आसलो) अेक पिशोल दावकुलाच्या दोन नाखटां मदीं धल्लें, आनी दारवंटया वयर मॅनोर फार्म वो **व्हडलें घरभाट** बरयलां तें पुसून काडलें आनी ताच्या जाग्यार **मोनजाती घरभाट** म्हणून तेला–रंगान घणघणीत बरें दिसपा सारकें बरयलें. ह्या फुडें ह्या घरभाटाचें नवें नांव हेंच जावपाचें आशिल्लें. ताच्या उप्रांत तीं घरभाटाच्या घरां मदेकत गेलीं, जंय स्नोबॉल आनी नापोल्यांवान अेक निसण हाडूंक लायली जी ताणीं व्हडल्या कडयाच्या निमण्या वण्टीकडेन बसयली. ताणीं सगळ्यांक फोडणीशी करून दिली की फाटल्या तिन म्हयन्यांत केल्ल्या अभ्यासा वरवीं दुकरांनी मोन–जातीवादाची नेमावळ वो सिद्धांत तत्त्वां यशस्वी रीतीन सात उपदेसांत सांटा-यल्लीं. हे सात उपदेस आतां वण्टीर कांतोवन बरयतले आसले; ते म्हळ्यार बदलूं नज शी अेक कायद्यांवळूच जातली आसली जिचे अनुसार मोनजाती घरभाटांतलीं सगळीं सुकणीं–सावदां ह्या फुडें सासणाक जियेंतलीं आसलीं. बरोच अडचणींत पडून (कित्याक अेका दुकराक निसणीर आपलो तोल सांबाळपाक सोंपें न्हय) स्नोबॉल निसणीर चडलो आनी कामाक लागलो; बोबाटियो निसणीचे दोन पांवडे सकला पेंयटाचो (रंगाचो) धबो घेवून आशिल्लो. ते उपदेस दामर–काडिल्ले वणटिचेर व्हडल्या धव्या अक्षरांनी बरयल्ले जे तीसअेक बांव पैंस सावन रावून लेगित वाचूं येताले. ते अशे आसले :

सात उपदेस

१. दोन पायांचेर चलता तितलोय आमचो दुस्मान.

२. चार पायांचेर चलता, वी जाका पाखां-पाखटे आसात, तितलोय आमचो इश्ट.

३ खंयचीच मोनजात आंगाचें न्हेसचीना.

४. खंयचीच मोनजात बाज्जेर न्हिदचीना.

५. खंयचीच मोनजात सोरो पियेंवचीना.

६. खंयचेच मोनजातीन खंयच्याच हेरा मोनजातीकें जिवानशीं मारून उडोंवक जायना.

७. सगळी मोनजात अेकसारकी जावन आसा.

हें सगळें निगूत निवळ अक्षरांनी बरयल्लें, आनी अेक दोन शुद्लेख-नाच्यो चुकी सोडल्यार, बरोवप सारकें आशिल्लें. तें सगळ्यांक समजूंचें देखून स्नोबॉलान व्हडल्या ताळ्यान वाचून दाखयलें. तें मानून घेतलें म्हणपाचें सांगून सगळ्यां सुकण्यां साबदांनी तकल्यो हालयल्यो, आनी तांच्यांतलीं हुश्यार जाणां ते उपदेस रोखडेंच पाठ करूंक लागलीं.

'आतां, सांगात्यांनो,' स्नोबॉलान म्हळें, पेंयटाचें पिशील सकला उडो-वंन, 'आतां सुग्रात्तणा शेतांत वचूंया! जोन्स् आनी ताचे मानाय लुवणी करुन भितर हाडटाले त्याय परस चड रोखडें आमी हाडपाचे प्रयत्न करचे खातीर आमीं पेंकट बांदूंया. हाचेरूच आमच्या भोवमानाची अिज्जत आटापून आसा.'

पुण हंयां वगतार त्यो तीन गायो ज्यो कांय वेळ वयर-उब्बार जाताल्यो, ताणीं व्हडल्या ताळ्यान हांबेवपाचें सुरू केलें. आतां चोवीस वरां जाल्लीं तांचें दूद कोणें काडूंक नाशिल्लें आनी तांचीं थानां दुदान भरुन फुट्टालीं आनी सण-सणटालीं. थोडो वेळ येवजिल्या उप्रांत दुकरांनीं बाल्दी हाडूंक लायल्यो आनी पायांचें दूद येशस्वी रीतीन थोडें भोव काडलें, तांचीं दावकुलीं हे खातीर

सुमाराचीं तरी लायक अशीं आशिल्लीं. रोखडेंच फेणेरं आयिल्ल्या दाट सायी दुदाच्यो चार बाल्दी भल्ल्यो जांचे वटेन जायतीं जनावरां आशेन रुचीन पळो-वंक लागलीं.

‘ ह्या अितल्या–सगट दुदाचें कितें जातलें ?’ कोणें तरी विचाल्लें.

‘ जोन्सूबाब केन्नाय तांतलें थोडें आमकां दितल्या खावळींत मिसळ करतालो, ’ अेकले कोंबयेन म्हळें.

‘ त्या दुदाची खबर सोडात, सांगात्यांनो ! ’ नांपोलयांवान म्हळें, बाल्दी लागशिल्ल्यान आंवडे गिळीत पळोवन घेवून. ‘ ताजें आमी पळेतल्यांव. लुवणी, ही सगळयांत म्हत्वाची गजाल. तुमचे वांवडा सांगातीं स्नोबॉल फुडाकार घेवून वेतलो. हांव थोडया मिनटां उप्रांत तुमचे फाटल्यान येतलों. फुडें वचात, सांगा-त्यांनो ! सुकें–तण पळे थंय तुमची वाट पळेता. ’

अशीं सगळीं जनावरां लूवणी करचे खातीर अेकामेका फाटल्यान शेतांत गेलीं. आनी जेन्ना तीं सांजेचीं शेतांतल्यान कडसरुन परतलीं तेन्ना पळोवंक गेल्यार दूद नांचच जाल्लें म्हणपाचें तांचे नदरेक आयलें.

आवेस्वर-३

सुकेंत्तण भितर काडचे खातीर तीं सुकण्यां-सावदां कितलीं हुमेलीं-घामेलीं आनी कश्टलीं म्हणूं सांगूं ! पुण तांच्या प्रयत्नांक लागून तांकां बरें अिनाम मेळ्ळें म्हणूंक जाय, कित्याक ह्यां वेळची लुवणी म्हळ्यार ताणीं अपेक्षा केल्ली ताचे परस कितलीशीच येसवंत जाल्ली.

कैन्नाकैन्नांय वावर चड जड पडटालो; शेतांत काम करपाचीं आयिद्दां मनशांक वापरपा खातीर तयार केल्लीं आसलीं आनी न्हय मोनजाती खातीर, आनी खंयच्याच मोनजातीच्यान फाटल्या पांयान उबी रावून अिन्नें तूतयो हातांत धरपाक जायनाशिल्ल्यान, तिका भोव अडचाणिचें जातालें. पुण दुकरां अितलीं हुश्यार आशिल्लीं कि खंयच्याय अडचणींतल्यान वाट काडूंक तांच्यांनी युक्त सोदून काडूं घेताली. घोडयांचें सांगचें जाल्यार ते शेतांतली सगळी जमीन भोव बरी वळखताले आनी खरें म्हळ्यार मळणेचें आनी भरो बांदून अेकटाव-पाचें काम जोन्स्बाब आनी ताच्या मानायां परस ते चड बरें जाणा आसले. दुकरां जाल्यार, आपूण कांय वावर म्हणून करीनासलीं. पुण हेरांचेर देखरेख करतालीं आनी तांकां वाट-दिशा म्हणून दाखयतालीं. तांचें गिन्यान आनी माहिती हेरां परस वयली-वर्ती आशिल्ल्यान हेरांचेर फुडारीपण आपणाच्या हातांत घेंवचें, हें तर तांकां सबाविकूच आशिल्लें. बोक्सर आनी क्लोवर कापुन उडोवपाच्या माकनाक (यंत्राक) वो मळणी-उस्पितल्या घोडयां-गाडयेक आपुण आपणाकूच बांदून घेतालीं (धांवें वो तोंडाक बांदपाची मुस्तायकी ह्या दिसांनी नाका आशिल्ली) आनी शेताचे भोंवतणी ल्हवान पांय मस्तीत वेतालीं. तांच्या फाटोफाट अेक दुकर चलतालो जो तांकां गरजे प्रमाणें उठ, सांगात्या, फुडें वच

बी 'सांगात्या, फाटीं घे' म्हणत आंबडटालो. आनी सगळ्यांत उणी मोनजात मेरेन सगळीं सुकणीं-सावदां सुकें-तण वळूक-मळूक आनी अेकटांय वरूक वावुरतालीं. बोकीं-बतकां आनी कोंबयो लेगित आख्खो दिस वोतांत वावुर-तालीं, आपले तोंचींत अिल्ल्यो अिल्ल्यो आंश्यो हाड-व्हरतालीं निमाणेकडेन, जोन्स्बाब आनी ताच्या मानायांक जितली वेळ लागतालो त्या परस दोन दिसांच्या उण्या वेळांत ताणीं लुवणी सोंपयली. त्या भायर, त्या शेतांत हण्या आदीं केन्नाच दिसूक नाशिल्ली तेदी, व्हडल्या प्रमाणान केल्ली लुवणी ती जावून आसली. कसलोच विभाड जावंक नाशिल्लो; कोंबयांनी आनी बतकांनी आपल्या तीख धारेच्या दोळ्यांनो निमाणी गोठ्या आंशी लेगित अेकटांय केल्ली, आनी घरभाटांतल्या खंयच्याच सुकण्या-सावदान आपल्या घांसाक लागतल्या भाता परस चड कांयच चोरून व्हरूंक ना

त्या सगळ्या गिमाळ्यांत, घरभाटाचो वावर थारायल्ल्या प्रमाणे घड्याळिच्या ठोक्यां नेमान चल्लो. सगळी मोनजात कल्पनेंत केन्नाच शक्य नाशिल्लें येदया मापान खोशी जाल्ली. जेवणाचो दर-अेक घांस ताची उप-भोगाची कोंव भागयतालो, कित्याक तें जेवण आतां तांचेंच खोशेलें जाल्लें, ताणींच आनी तांचेच खातीर उत्पन्न केल्लें, न्हंय खांकुडटल्या सायबान तांकां गरजे पुरतें फाफुडिल्लें. आळशी, उपकाराक पडनाशिल्ले मनीस प्राणी आतां खंयच्यान गेल्यान, सगळ्यांक खावपा खातीर आतां जायतें आशिल्लें. आयतो उसरपतिचो वेळूय भरपूर आसलो जरी सुकण्यां-सावदांक हे विशीं अणभव नाशिल्लो. अशें आसुन तीं जायत्या अडचण्यांक सांपडलीं- देखीक, वर्साच्या मागीरच्या म्हयन्यांनी, जेन्ना ताणी शेत लूवलें, ताणीं आदले चाली प्रमाणें तें मस्तुंचें पडलें आनी आपल्या स्वासान तांतलें पोल फुंकून फाफुडचें पडलें, कित्याक घरभाटांत मळणेचें यंत्र नाशिल्लें - पुण दुकरांनीं आपली हुश्यार-हिकमत उपकारावन आनी बोक्षरान आपल्यो टवटवीत पोवटो घांसून-घश्टून तांचें काम तडीक व्हेलें. बोक्षराक सगळेंच तोखेताले. जोन्स्बाबाच्या वेळार लेगित तो मनलावन कश्ट-करपी आशिल्लो, पुण आतां तो अेक घोडो म्हणचें भाशेक तीन घोडयां भशेन वावर करता दिसतालो; अशे कांय दिस आसताले जेन्ना घरभाटाचो सगळो वावर ताच्याच घटमूठ भुजां खांदयांचेर विसवता दिसतालो. सकाळीं पसून राती मेरेन तो हेवटेन ओडटालो, तेवटेन धुकलतालो, जंय चड वावर आसतालो थंय तो दिसतालो. हेरां परस आपल्यांक अेक अर्दे-कर आदीं सकाळचो उठावचो म्हणपाची वेवस्ता ताणें अेका कोंब्या लागीं करुन घेतिल्ली, आनी सदांचो नेमाचो वावर सुरु जांवचे आदीं, तो केन्नाय गरज

त्या वावरांत आपलोसो वांटो म्हणून अिल्लो अदीक वावर करतालो. कसलीय आडखळ-आडमेळें आयल्यार, कसलोय प्रस्न उप्रासल्यार, ताची अेकूच जाप आशिल्ली : ' हांव चड मन-लावन आनी कष्ट करुन वावर करतलों ' जी ताणे आपली खाशेली मोख आनी मंत्र म्हणून आपणायल्लो.

पुण जण-अेकली मोनजात आपले तांकी प्रमाणें वावर करताली. देखीक, कोंबयो आनी बतकां हाणीं शेणिल्ले धान्या-गोठे पुंजावन लुवणे वेळार तांच्यो पांचअेक पांटल्यो भरून सांबाळिल्ल्यो. कोणूच चोरीनाशिल्लो, आपणाक रेशन उणें पडलां म्हणून कोणुच पिरंगनाशिल्लो, झगडीं, चाडयो आनी नसायो कुड्डेपणा जीं आदल्या काळार सदांच्या जीविताचीं संवयचींच जाल्लीं, तीं आतां ना जावन गेल्लीं. कोणूच काम चुकयनाशिल्लो – कोणूच न्हय म्हळयार जाता. मोली, खेंर म्हळयार, सकाळची बेगीन उठपाचे नदरेन फावो तितली बरी नाशिल्ली. आपल्याचे लाटींत अेक सुपुल्लो शेंकरो फातर शिरकला म्हणून आदीं फुडेंच काम सोडून बचपाचो ती माण्णो काडटाली, आनी माजराची वागणूक तर आथवेच अेके तरेची आशिल्ली. रोखडेंच लक्षांत आयलें कि जेन्ना काम करपाचें, आसतालें तेंन्ना माजर केन्नाच नदरेक मेळनाशिल्लें. वरांचीं वरां ते नांच जातालें आनी सांजेचें काम सोंपऱ्या उप्रांत वो जेवणा वेळार दिसतालें, कांयच जावक नाशिल्ले भशेन. पुण तें सदांच अितलीं बरीं निबां दितालें आनी येदचा माये-मोगान मियाव करुन रडटालें कि ताच्या बऱ्या-भल्या मनां विशीं दुबाव दाखोवचो म्हळयार कोणाक बरें दिसनासलें. जाण्टो बेंजामीन गाढव बंडाय जाल्ल्याक व्हडलो-सो बदलूंक नाशिल्लो. तो आपले ल्हव-सावकास हट्टी रीतीन वावर करतालो खरो, जशें ताणें तेच रीतीन जोन्स् बाबाच्या वेळार केल्लें, केन्नाच कित्याकूच ना म्हणनासतना. आनी अदीक वावर करपाकूय फुडें सर-नासतना. बंडाय आनी तिचो परिणाम, हे विशीं ताणें आपलें मत केन्नाच उचा-रुन सांगूंक नाशिल्लें. ताका विचाल्ल्यार, आतां जोन्स्बाब गेल्ल्यान तो चड खोशी आसा जाल्यार, तो अितलेंच म्हणटालो : गाढवां जायतो काळ जियेतात. तुमच्यांतल्यांनी अेकल्यान तरी अेका मेल्ल्या गाढवाक केन्ना पळेला'. आनी हीं टूटक उतरां आयकून हेरांनीं समाधान मानून वोगी रावचें पडटालें.

आयताराचें काम नाशिल्लें. त्या दिसा नश्तो सदांचे परस अेक वर-भर उसरां जातालो, आनी नश्त्या उप्रांत अेक खाश्या दबाज्या-विधी आसताली जी चुकनासतना दर-अेका सातोळचांत पाळटाले. पयलो बावटो चडयताले. धांवें-

मुस्तायकी दवरतले कुडींत स्नोबॉलाक जोन्स्बायेचो पोन्नो मेजार-घालपाचो अेक तुवालो मेळिल्लो आनी ताचेर अेक शींग आनी अेक लाट धव्या रंगान चितारिल्ली. दर-अेका आयतारा, घरभाटाच्या बागींत पुरिल्ल्या माडियेर तो बावटो वयर चडयताले. बावटो पांचवोचार आशिल्लो, स्नोबॉल फोडणिशी करतालो, आनी तो जिग्लंडचीं पांचवीं शेतां-मळां दाखयतालो, जाल्यार तांतलो लाट आनी शींग म्हळ्यार फुडाराक येतलें मोनजातीचें लोकराज्य जें स्थापन जातलें आसलें जेन्ना मनीसजात निमाणेकडेन सामकी सकला पडटली आसली. बावटो वयर उबयल्या उप्रांत सगळीं सुकणी-सावदां अेका फाटल्यान अेक रांगेंन येवून साबर बसका, जिका सभा म्हणून वळखताले, घेवचे खातीर व्हडल्या कडचांत गेलीं. हांगासर, फुडें येतल्या सातोळयांत करपाचो वावर आंखताले आनी थाराव फुडें मांडपी सदांच दुकरूच आसताले. हेर मोनजातींक मत कशें घालचें ही खबर आशिल्ली खरी पुण आपणाचे-अशे थाराव मांडपाचें यवजुपाक तांकां केन्नाच जमलें ना. स्नोबॉल आनी नापोल्यांव भासाभाशेंत वांटो घेवपांत सगळयांपरस चड खांपे आशिल्ले. पुण अेक लक्षांत येतालें कि ह्या दोगांयचें अेकामेका लागी केन्नाच सहमत नाशिल्लें : तांतल्या खंयच्याय अेकल्यान अेक सुचोवणी केल्यार, दुसरो तिका विरोध करतलो म्हणपाची खात्री आसली. जेन्ना असो लेगित थाराव घेतिल्लो-जे गजालीक हरशीं कोणेच विरोध करुंक फावो नाशिल्लो - कि काम करूंक नज आशिल्ल्या अश्या सुकण्यां-सावदां खातीर अेक विसव-घेवपा जागो म्हणून फळां-बागी फाटल्यान आशिल्ले वंयें भितल्लें चरवा-मळ राखुन दवरचें, तेन्ना प्रत्येक जातीच्या जनावराक सेवानिवृत्त जावपाची सारकी पिराय कितली आसची हाचेर झड-मोडाची अेक भासाभास जालीं. 'अिंग्लंडची मोनजात' हें पद गावून सभा सदांच सोंपतालीं आनी दनपारचो आदेस खेळा-कर्मणूकी खातीर भेटयल्लो.

धांवें-मुस्तायकेच्या सामणा कूड दुकरांनीं आपलें मुखेल-ठाणें केल्लें. हांगासर, घरभाटांतल्या म्हालघरांत सावन हाडिल्ल्या पुस्तकां आदारान सांजेचीं तीं लोखणाचें काम, ठवयाचें काम आनी हेर गरजेचीं कामां शिकतालीं. हेरां मोनजातींक घेवून 'मोनजाती समिती' म्हणटाल्यो त्यो घडोवन हाडपांतूय स्नोबॉल बोवाळटालो. ह्या कामांत तो सामको विसव घेनासतना वावुरतालो. कोंबयां खातीर ताणें 'तांतयां उत्पन्ना समिती' घडोवन हाडली, गायां खातीर 'नितळ शेंपडयां वांगड,' रानवटयां सांगात्यांची 'नव शिक्षण समिती' (हुंदरांक आनी सोंश्यांक घरावीं करपाचो हिचो हेतू आशिल्लो). मेंड्यां

खातीर चड-धवें व्हूल तयार करपाची चळवळ, आनी हेर साबार समिती. त्या भायर ताणें वाचप आनी बरोवप शिकोवपाचे वर्ग चलयल्ले. सगळें पळोंवक गेल्यार, ह्या येवजण्यांनी खरें म्हळ्यार दिवाळें काडिल्लें, देखीक, रानवटी मोनजातीक घरावी करपाचो प्रयत्न रोखडोच फिस्कटिल्लो. ती मोनजात आदलेच भाशेन वागूंक लागली, आनी तिका उदारपणीं वागयल्यार, ते वागणुकेचो ती निखटोच फायदो घेताली. माजर ते नव-शिक्षण समितींत पयलीं आयलें आनी कांय दिस ताणें तांतूंत बरोच वावरुय केलो. अेक दिस खंय पाडसार बसून तें कांय बोचुड्यां लागीं उलयतना दिसलें; त्यो बोचुड्यो ताच्या दावकुलाच्या चपक्या पयस आशिल्ल्यो. तें खंय तांकां सांगतालें कि सगळीं सुकणीं-सावदां आतां अेकामेकाचीं वांगडी जाल्यांत आनी देखून खंयचेय बोचुड्येन अित्सा आसल्यार आपल्याच्या दावकुलाचेर येवून बसूंयेता; पुण बोचुड्यो आपल्यो पैसूच रावताल्यो.

वाचप आनी बरोवप शिकोवपाचे वर्ग जाल्यार बरेच यशस्वी जाल्ले. ऑटम रूतू येता म्हळ्यार घरभाटांतलीं, सगळींच म्हळ्यार जाता, सुकणीं-सावदां कांय प्रमाणांत बरपाक्षरी जाल्लीं.

दुकरां विशीं सांगचें जाल्यार, तांकां ह्या आदींच संपूर्णतायेन वाचूंक बरोंवक येतालें. सुणीं जाल्यार वाचपाक सुमाराचीं बरीं शिकिल्लीं; पुण सात उपदेस भायरावन वाचप शिकपांत व्हडलो-सो अितेरेस (आवड) दाखयनाशिल्लीं. मुरयेल, ही बोकडी, सुण्यां परस अिल्ली बरी वाचताली, आनी केन्नांय सांजे-वेळार कोयराच्या राशीर पडिल्ल्या खब्रेपत्रांच्या कुडक्यां-सुटयां-वेल्यान ती हेरांक अिल्लें वाचून दाखयताली. बेंजामीनच्यान खंयच्याय दुकरा अितलें बरें वाचूं येतालें. पुण ताणें आपणाची ही हिकमत केन्नाच कितेंय करपाक उपकारायली ना. तो म्हणटालो, आपुण जाणा ते प्रमाणें, वाचपा अितल्या मोलाचें कांयच नाशिल्लें. क्लोवरीन सगळी अक्षरांवळ पाठ केल्ली पुण उतरां-वाक्यां घडोवपाक तिका बरें येनाशिल्लें. बोक्षराच्यान जाल्यार औ अक्षरा फुडें वचूंक जायना जालें. आपलें व्हडले लाटीन तो **अ आ अि औ** दाट धुल्लींत चित्रायतालो आनी मागीर आपले कान फाटले वटेन उडोवन त्या अक्षरांक दोळे दोळेच पळेत रावतालो, केन्नाय आपल्या माथ्यावेले फुडले केंस हालयत, फुडें कितें येता काय म्हुण उगडास करपाक सगळ्या बळान येत्न करीत माथें खरपितालो पुण ताका केन्ना येस आयलें ना. साबार फावटीं, खरें म्हळ्यार, तो अु, अू, अे, अै शिकलो पुण तीं पाठ जातात म्हळ्यार, अशें कळून

आयल कि तो अ, आ, अि, अी, विसरून गेल्लो. निमाणेकडेन पयलीं चार अक्षरां शिकून खोशी जावचें, अशें ताणें थारायलें, आनी त्या अक्षरांचो उगडास ताज्जो दवरपाक तींच अक्षरां दिसाक अेकदां वो दोनदां तो तीं बरोवन काडटालो. मोली खंयचींच अक्षरां शिकुंक सोदी नाशिल्ली बगर तीं स अक्षरां जांच्या आदारान तिचें नांव बरोंव येतालें. कांय ल्हान बडयां-कुडके घेवून तें नांव ती जोडून घेताली अेक दोन फुलां घालून तीं नेटयताली, तांच्या भोंवतणी ती भोंवताली आनी तांची तोखणाय करताली.

घरभाटांतल्या हेर खंयच्याच मोनजातीकडेन अ अक्षरा पेल्यान वचुंक जायना जालें. अशें कळून आयलें कि चड अक्कल नाशिल्ल्यो मोनजाती, देखीक, मेंडरे, कोंबयो आनी बतकां, हांचे लागीं सात उपदेस लेगित पाठ करूंक जायना जाल्ले. जायतें येवजिल्या उप्रांत स्नोबॉलान थारायलें आनी जाहीर केलें कि सात उपदेस आसात ते अेकेच म्हण्णेंत सांटोवन हाडूं येता, म्हळयार अशें : " चार पांय बरे, दोन पांय वायट. " हांतूंत, ताणें म्हळें, मोनजातीबादाचो मूळ गाब आसा, तांतलें तत्व सांटलां. जाणें हें सामकें समजून घेतलां तो मनीस-जातीच्या परिणामां पसून सुरक्षीत उरतलो. सुकण्यांनी हे कल्पनेक पयलो वयलो मात्सो आडवाद दाखयलो कित्याक तांकां तर दिसलें कि आपणाकूय बी दोन पांय आसात. पुण स्नोबॉलान तांकां पराथून समजावन सिद्ध करुन सांगलें कि तीं समजतात तें तशें निखालूस न्हय.

' सुकण्यांचो पाखटो, वांगडयांनो, ' ताणें म्हळें, ' फुडें चलपाचें अेक साधन जावन आसा आनी न्हय हाताळपा-हालोवपाचो अेक उपाय. देखून त्या पाखट्याक अेक पांय जाल्ले वरीच धरचो पडटलो. मनीस वेगळो जावन आसा म्हणून सांगपाची कुरु म्हळयार ताचो हात, ज्या साधना वरवीं तो सगळचो आपल्यो नाडा-नाडी करता. '

स्नोबॉलाचीं लांबदीक उतरां भाशण सुकण्यांनी सारकें समजून घेतलेंना, पुण ताणें केल्ली फोडणिशी ताणी अशी-तशी मानून घेतली, आनी सगळी मोनजात नवो मंत्र पाठ करपाच्या कामांक लागली. चार पांय बरे, दोन पांय वायट, हीं उतरां स्नोबॉलान कडयाच्या निमण्या तोंकाच्या वण्टीर बरयली, सात उपदेसां वयर आनी तांच्या परस व्हडल्या अक्षरांनी. अेकदां पाठ जाल्या उप्रांत मेंडऱ्यांक ताची भोवूच रुच लागली, आनी शेतांत आड पडिल्ले आसतना ते सदांच अशें रडटाले : ' चार पांय बरे, दोन पांय वायट, ' आनी तेंच म्हणत केन्नाच वाजेंव नासतना वरांचीं वरां ते रडत रावताले.

स्नोबॉलाचे समितींचें नापोल्यांवांक कांयअेक पडूंक नाशिल्लें. तो म्हणटालो कि वाडून आयिल्ल्यां प्रौढां खातीर कितेंय करचे सुवातेर तरनाटयांचें शिक्षण हातांत घेतल्यार ताच्या परस चड म्हत्वाचें. अशें घडलें कि जेस्सी आनी ब्लूबेल, हीं दोगांय कोल्गा सुणीं, सुक्या-तणाची लुवणी जाल्या उप्रांत, वियेल्लीं. आनी दोगांयनी मेळून णव टवटवीत घुबघुबीत पेटे काडिल्ले. तांकां दुदा-वेले काडून घेतल्या उप्रांत, नापोल्यांवान तांकां तांच्या आवयां थसून पैस केल्ले आपुण तांच्या शिक्षणा खातीर जबाबदार जाता म्हूण सांगून. ताणें त्या पुण्या-पेटयांक अेका माळयार व्हरून दवल्ले जंय पावपाक धांवें-मुस्तायकेचें कुडींत साकुन निसणे-वेल्यान चडचें पडटालें. थंयच तांकां अितले वेगळायल्ले अेकले-अेकसुरे दवल्ले कि घरभाटांतले हेर मोनजातींक जाल्यार ते जीवे आसात म्हणपाचें रोखडेंच विसरायेंत पडलें.

काडिल्लें दुद खंय पळून गेलें म्हणपाचें गूढ आतां रोखडेंच सारकें कळून आयिल्लें. तें दुकरांच्या खाणांधोणांत दिसा-दिसपट्टें मिसळ जातालें. पयले-वयले आपोल (सफरचन्द) आतां पिकत येताले आनी फळां-बांगितल्या तणा-वळीचेर वाऱ्यान झडयल्ल्या फळांची रास पडिल्ली. सगळ्या मोनजातींक दिशिल्लें कि चाली-अपेक्षे प्रमाणें तीं फळां सगळयांक अेकसारकीं वांटून घालतले; पुण, अेक दिस असो हुकुम सोडपांत आयलो कि सगळीं वाऱ्यान झडून पडिल्लीं फळां पुंजावपाचीं आनी धांवें-मुस्तायकेचे कुडींत हाडून घालपाचीं दुकरांच्या वापरा खातीर. हें आयकून कांय जनावरां गुणगुणुंक कुरकुरूंक लागलीं, पुण कित्याकूच उपकाल्लें ना. हे विशीं सगळ्यां दुकरांचें अेकमत जाल्लें, स्नोबॉल आनी नापोल्यांव धरून. हेरांक फोडणिशी करपा खातीर, स्क्वीलराक (बोबाटियाक) तांचे सवें धाडलो.

‘सांगात्यांनो!’ बोबाटियो किचराट मारुन आडुंलो. ‘हांव आस्त बाळगितां कि तुमकां अशी कल्पना जांवची न्हय कि आमीं दुकरां अशें करतांव आमच्या सुवार्था खातीर वो ती आमची खास सवलत देखून? खरें म्हळयार आमच्यांतल्या जायत्या जाणांक आपोल आनी दूद आवडना. म्हाकाय तें आवडना. त्यो वस्तू व्हरपाचो आमचो अेकुच हेतू म्हळयार आमची बलायकी सांबाळपाचो. दूद आनी आपोल (सांगात्यांनो, हें शास्त्रगिन्यांन्यांनी सिद्ध केलां), हांतूंत असले जीव आसात जे दुकराच्या बऱ्या-भल्याक समके चड म्हत्वाचे जावन आसात. आमी दुकरां मेंदवाचो वावर करपी जावन आसांव. ह्या घर-भाटांचें सगळें वेवस्तापन आनी संघटना आमच्या वावराचेर आटापून आसा;

दिस आनी रात आमी तुमच्या बऱ्या-भल्या खातीर दोळ्यांत तेल घालून तेळून कश्ट करुन वावूरतांव. तुमच्याच कल्याणा खातीर तें आमी दूद पितांव आनी तें आपोल खातांव. आमी दुकरां आमचें कर्तव्य करीनासतना उल्लीं जाल्यार तुमचें आमचें कितें जातलें तें तुमी जाणांत, व्हय? जोन्स्बाब परतो येतलो! व्हय, जोन्स्सायब परतो येतलो! खऱ्यांनीच, सांगात्यांनो,' बोबाटियो ताळो सुरांटून हात जोडून मागणें करीन असो, अेके वटेन सावन दुसरे वटेन उडयो मारीत आनी शेंपडी हालयत म्हणटालो 'खात्रेन सांगूं तुमचें मदीं कोणूच नासतलो जाका जोन्स्बाब परतो आयिल्लो जाय!'

आतां, अेक गजाल आसली जाचे विशीं मोनजातींचें खात्रेचें मत आशिल्लें. ती म्हळ्यार जोन्स्बाब परतो आयिल्लो कोणाकुच नाका आसलो. जेन्ना तांकां हे नदरेन प्रस्न उबो केलो, कोणाचें आनीक कांयच म्हणपाचें नाशिल्लें. दुकरांक बरे बलायकेंत राखपाचें म्हत्व तर सामकें दोळ्यांत भर सारकें दिसतालें. देखून अशें कबुल जालें, आनीक वाद नासतना, कि दूद आनी वाऱ्यान झडून पडिल्ले आपोल (आनी आपोलांची सगळी चड-शी पीक, सगळें पिकल्या उप्रांत) फकत दुकरां खातीर राखून दवरपाची आसली.

आवेस्वर-४

गिमाळेंचाचो उसरांचो काळ येता म्हळेंचार मोनजाती घरभाटांत उं घेडून आयिल्लें ताची खबर त्या भागांतल्या अर्द्या-श्या वाठारांत पावून सरिल्ली. दर-अेका दिसा स्नोबॉल आनी नापोल्यांव कांय कवडयांक उडून सोडटाले, शेजारच्या घरभाटांनीं आशिल्ल्या सुकण्यां-सांवदां मदीं ताणीं मिसळ जावचें, मोनजातीची बंडाय जाल्ल्याची तांकां खबर सांगची, आनी ' अिंग्लंडची मोनजात ' हया पदाचो ताल तांकां शिकोंवची, अशी तांकां फर्मावणी घाल्ली.

चड-सो हो सगळो काळ सरता म्हणसर जोन्स्‌बाबान आपलो वेळ विलिंगडनांतल्या 'रेड लायन ' होटेला-वेल्या सोऱ्या दुकानार बसून साल्लो. कोणूय ताची खबर आयकतली मेळ्ळयार तो ताका आपलीं गाराणीं सांगतालो, कसो आपणाचेर अन्यांव जाला जेन्नां कित्याक-उपकारा-नाशिल्ल्या मोनजातींच्या पेण्यान आपल्याक आपणाच्याच भाटांतलो धांवडावन घालो. हेर शेतकामती ताका तत्त्वांपुरती भुजवण दिंताले, पुण सुरवातेक तरी ताणीं ताका व्हडलो-सो आदार दिलो ना. जोन्साच्या अदृष्टांतल्यान आप-आपल्याक कसो फायदो जातली काय म्हणपाचेर तांतलो दर-अेकलो मनीस आपले काळजांतले खरीक येवजितालो. बऱ्या नशीबाची गजाल म्हणूंक जाय किं मोनजाती घरभाटा लागून आशिल्ल्या दोनूय भाटांचे धनी सदांकाळ-अशे रीतीन अेकामेका लागीं वायट संबंदांन चलत आयिल्लें. तांतलें अेक घरभाट जाचें नांव फॉक्षवूड व्हडलें शेंकानशेक पातळिल्लें पुण कमायस करीनासतना सोडून दिल्लें-जशें, आदले पद्धतिचें घरभाट आसलें, जांतूंत रानासारकें झाड-झोंप मातून आयिल्लें. तांतलीं चरवा मळां झरून-पातळ जावन गेल्लीं आनी ताच्यो आडे-वंयों वायट दशेर पाविल्ल्यो. ताचो धनी, पिलकिंगटन-बाब, हो फोंल्ग-मौज मारपी फिदालग

शेतकांमती जावन आसलो जो आपलो सगळो वेळ, रुतू प्रमाणें, नुस्तें मारपांचो शिकार करपांत सारतालो. दुसऱ्या घरभाटाचें नांव पिंचफील्ड आसलें आनी तें पयल्या परस ल्हान पुण बरे भशेन कमायस करून सांबाळिल्लें. ताचो धनी अेक फ्रेडरिक-बाब आशिल्लो, कडक ठोक मनीस, सदांच देमांदांनी रेवडल्लो आनी आपल्याक बऱ्यो पडटा अश्यो कठीन घुस्पा-गोंदळाच्यो कबलांती करुन घेवपी मनीस. हे दोगूय अेकामेकाक अितले दोळे फोडून जळटाले कि तांचे भितर कसलीच समजूत कबलात घडोवन हाडपाक तांका भोव कठीन लागतालें, तांच्याच खाश्या हिताची राखण करपा खातीर लेगीत.

तरी आसतना, मोनजाती घरभाटांत जाल्ल्या बंडायेक लागून ते थाऱ्या भियेल्ले, आनी आपल्या घरभाटांतलीं सुकणीं-सावदां त्या मोनजाती कडल्यान शिकत म्हणपाचो तांका भोवूच हुस्को जाल्लो. मोनजाती आपल्याच मालवजार अेक घरभाट चलयतल्यो म्हणपाची कल्पना सुरवातेक तांका हांसून केंडण्यो करपाची-शी दिसूंक लागली. हें प्रकरण सगळें अेके पंद्रशेंत कोसळून सोंपतलें, अशें तांका दिसूंक लागलें. ताणीं अशीय खबर पातळायली कि व्हडल्या घर-भाटांतलीं सुकणीं सावदां (ताका व्हडलें घरभाटूच म्हणपाक ते आग्रो धरताले; मोनजाती घरभाट, हें नांव ते दोळयां मुखार घेनाशिल्ले) अेकामेकां लागीं सदां-सर्वकाळ झगडटात आनी उपाशीं उरुन गडगडीत रीतीन मर्णाचे तडीक पावत आसात. जेन्ना वेळ बलांडून गेलो आनी मोनजात तर उपाशीं मेल्या म्हणपाची कांयच रुजवात दिसनाशिल्ली, तेन्ना फ्रेडरिक आनी पिल्किंगटन, हांणीं आपलें पेंपरें बदल्लें आनी मोनजाती घरभाटांत आतां मातुन आयिल्ले क्रूरताये-वायटा विशीं ते उलोवपाक लागले. अशी खबर पातळून घाली कि तांतूंत मोनजाती अेकामेकाक खावून उडयतात, उज्यांत घाल्ल्या तांबडया-गूंज घोडयां लाटींच्या लोखणा कुडक्यांनी तांका वळवळायतात, आनी सगळ्या बायल मोन-जातींक सगळे दादले मोनजाती समान रीतीन लैंगीक नदरेन भोगतात. बंडाय करून सैम्बाच्या कायदयां-नेमांचेर आड गेल्ल्यान हें अशें घडूंक पावता, अशें फ्रेंडरिक आनी पिलकिंगटन म्हणटाले.

कशेंय आसूं, ह्यो काणयो कोणें सामक्यो सोल सैत चाबल्यो नांत. व्हय-न्हय रेंचा आनी वांकडया-तिंकडया रुपान खबरो जांवक लागल्यो कि अजापांचें-अशें अेक घरभाट आसा जंयच्यान मनश्यांक धांवडावन धल्ल्यात, आनी जंय मोन-जाती आपलो कारभार आपल्याच हातांत घेवून चलयतात. त्या आख्ख्या वर्सी काळांत सगळ्या गांवां-गांवांनी बंडायेचें अेक उसळटें ल्हार व्हांवत गेलें.

सदांच मान-बागोवपी आनी सांगता तें आयकुपी बैल अवचित रागीश्ट-रान-वटी जाले. मेंढ्यांनी आडे-वंयो मोडल्यो आनी फुलां-तणा चरव खाल्लो, भुखायलो, गायांनी खोंट मारुन दुदा बाल्दयो वोतयल्यो, शिकाऱ्यां-घोडयांनी उडी मारून फुडें वचपाचें नाकाल्लें आनी आपले फाटीर बशिल्ल्या शिकाऱ्याक दुसरे वटेन शेवटून माल्लो. सगळ्यां परस महत्वाची गजाल म्हळ्यार 'अिंग्लं-डची मोनजात' ह्या पदाचो ताल आनी लय आनी उत्तरां लेगित सगळ्याकडेन मोनजाती जाणा जाल्ल्यो. तें पद सामकें झपझपीत अजापवन्त वेगान चोंय वशीं पातळिल्लें. तें पद आयकना फुडें मनश्यांक भिरभिरी मारताली, जरी तें केंडण्यो-करपा-सारकें जावन आसा म्हणपाचें ते सवंग करताले. तसलें तिर-सकार-करपाचें अळशिकावणें पद गावपाक मोनजाती लेगित कश्यो फुडें सल्ल्यो काय म्हणपाचें तांकां समजनाशिल्लें, अशें ते म्हणटाले. तें गायतना खंयचीय मोनजात सांपडली जाल्यार तिका थंयचे थंय ते चाबकांनी खरायेन बडयताले. तरीय हें कांतार-पद दामून-चेपून उडोंवक जायनाशिल्लें. आडे-वंयांचेर बसून तीं काळीं सवणीं तें पिल्लुकायतालीं, झाडां-झोंपांनी कवडे तें ल्हवान कूक करून गायताले, तें लोखणा-वावराच्या धणधणांत भरसतालें, आनी अिगर्जाच्या घांटां तालांत मिसळ जातालें. आनी जेन्ना तें पद मनशां आयकतालीं, तीं भितल्ल्या भितर गुपतीं भियेतालीं, कडकडटालीं, कित्याक तांतूंत तांकां आपल्या फुडा-राच्या निसंटनाचें भाकीत कशें दिसतालें.

ओतुंब्राच्या पयल्या-वयल्या दिसानी, जेन्ना लुवणी करून शेता-कणसां कापून मांडिल्लीं आसलीं आनी तांतलें थोडें मळून जाल्लें, कवडया-पारव्यांचें अेक भिरें गिरगिरायत वाऱ्या वेल्यान आयलें आनी मोनजाती-घरभाटाच्या आंग-णांत देंवून व्हडा उचंबळायेन बसलें. ताणीं खबर हाडिल्ली की जोन्स्बाब आनी ताचे मानांय फोक्षवूड आनी पिंचकील्डांतले आनीक अर्दी डूज मनीस घेवून, पांच आडांब्यांच्या दारवंटयांतल्यान घरभाटांत भितर सरिल्ले आनी भितर येतल्या गाडया-मार्गा वेल्यान तांचे वटेन येताले. तांच्या सगळ्यांच्या हातांत दांडे-कोंडे आशिल्ले भायरावन जोन्स्बाब जाचे लागीं अेक आर्म-बन्दूक आसलें. अशें दिसतालें कि तें घरभाट परतें जिखून घेवपाचो ते खरखस प्रयत्न करूंक सोदताले.

हें तर जायतो काळ अपेक्षीतूच आसलें, आनी ते परिस्थितीक तोंड दिवचे खातीर फावो ती सगळी तयारी जाल्ली. घरभाटांतल्या म्हालघरांत मेळिल्लें जुलयस सीजर-चें अेक पोन्नें झुजा-विशींचें पुस्तक स्नोबॉलान शिकून

काडिल्ले. अशें आसून ताणे राखणेचो वावर आपल्या खांदार घेतिल्लो. ताणे सडसडीत हुकूम सोडले आनी थोडयाच मिनटां भितर दर-अेकली मोनजात आप-आपल्या जाग्यार तयारेन उबी रावली.

जशे मनीस घरभाटाच्या म्हालघरा लागीं पावले तशी स्नोबॉलान आपली पयली झोंपय घाली. सगळे पाख-कवडे, जांचो आंखडो पंचवीस तरी आशिल्लो, मनश्यांच्या माथ्यांवेल्यान वयर उडून फडफडूंक लागले आनी मदल्या वाऱ्यार सावन तांचेर फरफरीत हागूंक लागले. आनी जेन्ना मनीस हे घुरयेक तोंड दिवपाक म्हणून फुडें सरताले तेन्ना बंये फाटल्यान लिपिल्लीं आसलीं बतकां धांवून भायर आयलीं आनी मनश्यांच्या फाटल्या खोंटांक खरायें नेटान तोंचूंक लागलीं. कशेंय आसूं, ही फकत मोवाळ झोंपय घालपाची अेक चकमक आशिल्ली, जाचो हेतू आसलो थोडें आडवें-तिडवें करून उडोव-पाचो. देखून त्या दादल्यांनी आपल्या दांडयां-कोंडयांनी बतकांक सोपेपणीं धांवडावन धल्लीं. आतां स्नोबॉलान आपली दुसरे वेळेरिची घुरी चडयली. मूरयेल, बेन्जामीन आनी सगळे मेंडरे, स्नोबॉल तांच्या फुडे आसून, तोलान फुडें धांवलीं आनी सगळया वाटांनीं मनश्यांक धोंगसूंक आनी तकल्यो मारूंक लागलीं. अितले म्हणसर बेंजामीन वळ्ळो आनी आपले ल्हान-सान लाटीन मनश्यांक सगळे वटेन तोलान धांवडावंक लागलो. पुण आनीक अेकदां दांडे-कोंडे घेवून आयिल्ले आनी खिळयांचे मोचे घाल्ले मनीस तांच्या परस चड बळीश्ट उतल्ले. आनी अवचित स्नोबॉलाची किळंच आयकना फुडें, जी फाटीं सरपाची खुणा आशिल्ली, सगळयां मोनजातींनी फाट केली आनी त्यो दारवंटयांतल्यान पळून आंगणांत गेल्यो.

तेन्ना मनश्यांनी जैताची बोब--हुयेल माल्ली. ताणीं पळेलें, जशी ताणीं कल्पना केल्ली, कि तांचे दुस्मान पळून गेल्ले आनी तांचे फाटल्यान मनीस कशाय-कशे धांवत सुटले. स्नोबॉलाक हेंच जाय आसलें. जशे ते आंगणा भितर पावले, तीन घोडे, तीन गायो, उरिल्ले सगळे दुकर जे गायां--गोटयांत लिपून धुरी घालपाचे तयारेन राविल्ले, अवचित फाटल्यान उबे जाले, आनी तांकां थंयचें थंय हेरां मनश्यां कडल्यान कापुन उडयले. आतां स्नोबॉलान घुरी घालात म्हणपाची हेरां जनावरांक खुणा केली. तो स्वता आपुण जोन्स्बाबाक नीट सामको मारूंक गेलो. तो येता तो पळेना फुडें जोन्सान आपलें आर्म-बन्दुक उखल्लें आनी तांतल्यान फार सोडले. मूनिसांव (Pellets) स्नोबॉलाच्या फाटी-वेल्यान झरकून गेल्लें आनी तांतल्यान रगताचे फवारे शिंपडले आनी अेक मेंडरो

मरुन पडलो. अेक वेळ थांबनासतना स्नोबॉलान आपलें सगळें-पंदरा स्टोन (सुमार ९५ कीलो) वजन जोन्साच्या पायांचेर जडजडीत आख्खेंच शेवटून माल्लें. जोन्स्बाब कोंसळून शेणाच्या राशीर शेवटून पडलो आनी ताच्या हातांतलें आर्म-बन्दूक उसळून पडलें. पुण सगळयां परस भंयांकृत देखाव म्हळचार बोक्षराचो. तो आपल्या फाटल्या पायांचेर उबो रावतालो. आनी व्हडल्या घोडया भशेन त्या लोखणा-पात्याच्या पांयांनी नेटान मनश्यांचेर मार घालतालो. ताची पयलीच खोंट फोक्षवुडांतल्या अेका पोराचे तकलेर पडली आनी तो निर्जीव मातयेंत थंड किरांव पातळून पडलो. हें पळेना फुडें साबार दादल्यांनी आपले दांडे-कोंडे सकला उडयले आनी थंयच्यान धांवून वचपाचो प्रयत्न केलो. ते सामके घाबल्ले आनी दुसऱ्या खिणा सगळी मोनजात मेळून आंगणांतल्यान भोंवाडे घालीत तांच्या फाटोफाट धांवताली. तांकां शिंगांनी धोंगशिले, खोंटायले, चाबले, मस्तिले, माड्डायले, गुड्डायले. अेक मोनजात नाशिल्ली त्या घरभाटांत जिणें आप-आपणाले परीं तांचे आड आपली सूड घेतलिना. माजरान लेगित अकस्मात अेका पाडसावेल्यान उडी माल्ली आनी तें अेका-गोरवां राखण्याच्या खांदार बसलें आनी ताणें ताचे गोमटेर आपलीं दावकुलां रोंबलीं. तेन्ना त्या दादल्यान आकांताळी किळंच माल्ली. जेदे वेळार वाट अिल्ली उगती दिसली, तेन्ना दादले भोव खोशी जाले आनी आंगणांतले तुरतुरीत भायर धांवत सुटले आनी मखेल रस्त्याची ताणी गडगडीत वाट धल्ली. आनी अशे भाशेन ताणीं झोंपय घालून पांच मिनिट जाल्या उप्रांत ते लजेभरीत फाटीं सल्ले आनी आयिल्ले वटेन परते गेले. तांच्या फाटल्यान बदकांचें भिरें धांवतालें आनी तांच्यो खोंटो तोंचीत खरायेन तांची फाट घेतालें.

सगळे मनीस पळून गेल्ले भायरावन अेकलो. तांच्या फाटल्यान आंगणा भितर गोठयांतलो-पोर मातयेंत तोंड मुंगरून शेवटून पडिल्लो. बोक्षर आपले लाटीन ताका पोशेतालो, ताका आरतो-परतुपाक येत्न करतालो. पुण तो भुरगो हालनाशिल्लो.

'तो मेलो!' बोक्षरान दुखेस्तपणीं सुस्कारो सोडून म्हळें. 'तशें वायट करपाची म्हजी अित्साच नाशिल्ली. हांवें लोखणा मोचे घाल्या म्हणपाची म्हाका विचिरकाय उल्लीना. हे हांवें बळयां करुंक ना म्हुण कोण सत्मानतलो.'

'हाचेर चुरचुरून कांयच जावपाचें ना, सांगात्या.' स्नोबॉल आडुलो. ताच्या आंगार घाय पडिल्ले तांतल्यान अजून रगत शेणटालें. 'झूज म्हळ्यार झूज. अेकूच बरो मनीस म्हळ्यार मेल्लो मनीस.'

'कोणाचोच जीव काडपाची म्हजी अित्सा ना, तो जीव मनश्याचो लेगित जाल्यार,' बोक्षरान जापसाल करून सांगलें, आनी ताचे दोळे दुकांनी भरून आयिल्ले.

'मोली खंय आसा?' कोण तरी उदगाल्लो.

मोली खऱ्यांनीच नाशिल्ली. अेक खिण-भर जायतो हुस्क्या-बोवाळ जालो; मनश्यांनी बी तिका वायट केलें जायत वो दुखयली जायत वो आप-णाल्या वांगडा तिका व्हेली जायत, जनावरां अशीं यत्रजितालीं. निमाणे कडेन, कशेंय आसूं, ती मेळ्ळी, सुस्ख्यातणाच्या कुडयांत आपली तकली पुरून ती गोठयांत लिपिल्ली आसली. बन्दुकांचो फार जायना फुडें ती पळून गेल्ली. आनी जेन्ना हेर जाण तिका सोदून आंगणांत परत आयले, तेन्ना अशें कळून आयलें कि तो गोठयांतलो पोर जो खरें म्हळ्यार फकत न्हिन्नल्लो तो सोय-राणार आयिल्लो आनी थंयच्यान पळून गेल्लो.

सगळी मोनजात आतां परती अेकटांय जाल्ली आनी सगळीच उचांब-ळीत उबेंभरीत आशिल्ली. अेकअेकली मोनजात ह्या झुजांत आप-आपणें केल्लीं सहासां ताळो सुरांटून सांगताली. रोखडोच त्या जैताचो जयजयकार करपाक अेक दबाजो जालो बावटो माडियेर चडयलो आनी तें पद 'अिंग्लंडची मोनजात' जायत्या फावटीं गायलें. मागीर त्या मेल्ल्या मेंढ्र्या खातीर व्हडली प्रेत-यात्रा केली, ताच्या फोंडार अेक झाडा रोंपुलो रोयलो. फोंडा-कुशीक जाल्ल्या दबाज्यांत स्नोबॉलान ल्हान-शेंच अेक भाशण केलें. मोनजाती घर-भाटांतल्या सगळ्या मोनजातीन गरज पडल्यार ताच्या पासत मरूंक लेगित तयार आसूंक जाय म्हणपाचेर त्या भाशणांत ताणें भर दिली.

मोनजातींनी अेकमतान थारायलें कि अेक फौजी-बिल्लो रचून हाडचो, जाका नांव 'मोनजात वीर, पयलो वर्ग' अशें दिवचें, आनी तो रोखडचा-रोखडो थ्याच जाग्यार स्नोबॉल आनी बोक्षर, हांकां प्रदान केलो. तो बिल्लो म्हळ्यार

पितळीचें अेक पदक (धांवें–मुस्तायकेचे कुडींत घोड्यांक घालपाचे कांय पितळी-पट्टे मेळिल्ले) आयताराचें आनी सुटियेच्या दिसांनी हडुचाक लावपाचें. त्या भायर, 'मोनजाती वीर, दुसरो वर्ग' आशिल्लो, जो बिल्लो मेल्या उप्रांत म्हणून तरी त्या मेंड्याक ताणीं प्रदान केलो.

ह्या झुजाक कितें नांव दिवचें, हाचेर जायती भासाभास जाली. निमाणेंकडन, ताका गायां–गोठ्याचें झूज म्हणपाक थारायलें, कित्याक त्या जाग्यार तें लिग्चोरयां केल्लें आक्रमण जाल्लें. जोन्स्बाबाचें बन्दुक ते मातयेंत पडिल्लें मेळ्ळें, आनी अशें कळून आयलें कि घरभाटांतल्या म्हाल-घरांत काडतुशी आसल्यो. तेन्ना अशें थारायलें कि तें बन्दुक त्या बावट्याच्या माडिये मुळांत बसोवचें, आर्तिल्यारीच्या नाळी–गुळ्याच्या अेका पेसा भशेन, आनी तांतल्यान वर्साक दोन फावटीं फार सोडचे – अेकदां ओतुंब्राचे बारावेर, गायां–गोठ्याचें झुज जाल्ल्या वर्सादिसा, आनी अेकदां गिमाळ्याच्या मदल्या दिसा, बंडायेंच्या वर्सादिसा निमतान.

आवेस्वर–५

जसो शियां–हिंवाळो लागीं येतालो, तशी मोली चड आनी चड त्रास–दिवपी जावंक लागली. कामार येवपाक ती दर–अेक सकाळीं कळाव करताली, आपुण चड न्हिदून उल्लीं म्हणून निभां सांगताली आनी कसले तरी आपणांक भोगतले गुडार्थ–अशे दुखिची तक्रार करताली, जरी तिची खावपा-पिवपाची रुच घसघशीत आसली. कसलेय तरेचें नीभ सांगून ती कामावेल्यान पळटाली आनी उदका-तळ्या कडेन वेताली जंय पाणयांत आपलें खाशेलें पडबिंब पिश्या भशेन पळेत तोखेत रावताली. पुण अश्यो खबरो जाताल्यो कि दिसता ताच्या परस तिका कितें तरी गंभीर अशें घडून आयिल्लें. अेक दिस जशी मोली नटून–तटून आंगणा भितर पासय मारुंक भायर सल्ली, आपली लांबदीक शेंपडी दाखयत आनी तणाचे जुडीचो कुडको चाबडायत, क्लोवरीन तिका ल्हव्‌ कुशीन व्हेली.

'मोली,' तिणें म्हळें, 'म्हाका तुका कितें तरी गंभीर गजाल सांगपाची आसा. आयज सकाळीं, मोनजाती घरभाटाक फोक्षवुडा लागच्यान वांटून घालतले वंये वयल्यान तूं तोंड घालून पळेतना हांवें तुका देखल्या. आडे–वंयेच्या

दुसऱ्या अदीन पिल्किंगटन-बाबाचो अक मानाय उबो आशिल्लो. आनी-हांव पयस आशिल्लीं खरीं, पुण हें हांवें म्हज्या दोळ्यांनी पळेलां म्हणपाची म्हाका खात्री-शी आसा -तो तुजे लागीं उलयतालो आनी तूं तुजे नाख ताका पोशेवपाक दितालें. ह्या सगळ्याचो अर्थ किते गो, मोली?'

'ताणें कांयच करुंक ना! हांव थंय नाशिल्लींच! ते खरें न्हय!' मोली घडबडून नाकारून आडुली, वयर सकला उंचांबळ जायत आनी जमनीक पांयांनीं पोशेवंक लागली.

'मोली! म्हज्या तोंडाकडेन पळे. तो मनीस तुजें नाख पोशेवनाशिल्लो म्हणपाचें म्हाका तूं तुजें मानाचें उतर दिता, व्हय?'

'तें खरें न्हय!' मोलीन जापसाल सांगली, पुण तिज्यान क्लोवरीच्या तोंडाक पळेंव नज जालें, आनी फुडल्या खिणा तिणें थंयच्यान पळ काडली आनी ती शेतांतल्यान धांवत सुटली.

क्लोवरीच्या मनांत अक विचार आयलो. कोणाक कांय सांगनासतना, ती मोलीच्या गोठ्यांत गली आनी आपल्या पांयांनी थंयचें सुकेंतण ती उस्तुंक लागली. सुक्या-तणा पोंदा लिपयल्लो थंय खडी-साकरेचो ल्हान-सो अक चोंबो आसलो आनी वेगवेगळ्या रंगांच्या रिबिना-फितांच्यो साबार राशी आसल्यो.

तीन दिसां उप्रांत मोली थंयच्यान नांच जाल्ली. कांय सातोळे, ती खंय पावल्या म्हणपाचो कोणाकुच पत्तो नाशिल्लो. मागीर कांय कवड्यांनी कळयलें कि ताणीं तिका विलिंगडन शाराच्या दुसऱ्या अदीन पळेल्ली. अेके खानावळी भायर सुण्यांक-व्हरपाचो चकचकीत अक गाडो आसलो जो काळ्या आनी तांबड्या रंगांनी रंगयल्लो, आनी त्या गाड्याच्या दोन चाखां मदेकत आमची मोली बांदून उबी आसली. तांबड्या - तोंडाचो एक मोटसार मनीस जो धबधब्या रंगाचें आनी पांयांक-धरपी अशें कालसांव न्हेशिल्लो, जो सोरो - विकपी - सो दिसतालो, तो तिचें नाख पोशेवतालो आनी तिका साकर खावयतालो.तिचेर बसयल्लो कोट तर नवोच कापिल्लो आनी तिच्या फुडल्या केंसांक अेक तांबडें रिबिना - फित बांदिल्लें आसलें. ती मौजेन आसा-शी दिसताली, अशी पारव्या-कवड्यांनी खबर हाडिल्ली. मोलीची खबर आनीक

केन्नाच खंयच्याच मोनजातीन तोंड फोडून केली ना.

जानेर म्हयन्यांत कडकडीत थंडियेचे दिस पडिल्ले. धर्तरी निबर लोखणा भशेन जाल्ली, आनी शेतांत कांयच करुंक जायनाशिल्लें. व्हडल्या कडचांत जायत्यो सभा घेताल्यो, आनी दुकरां फुडल्या रुतुच्या वावरावळीची आंखणी करपांत बोवाळटालीं. अशें मान्य जालें कि दुकरांनी, जीं हेरां मोनजातीं परस चड-शाणीशीं दिसतालीं, घरभाटाचें धोरण थारावचें, जरी तांच्या थाराव-ण्यांक भोवमतान मान्यताय मेळची पडटाली. ही वेवस्ता बरे भशेन चलतली आशिल्ली जर स्नोबॉल आनी नापोल्यांवां मदीं तंट्टो उप्राशिनाशिल्लो जाल्यार. जंय कितें सहमत जावपाचो संभव आशिल्लो थंय हे दोगूय प्रत्येक मुद्द्याचेर अेकामेकाचेर विरुध आसताले. जर अेकल्यान सुचयलें कि शेताची चड-शी जमीन बार्ली-गंवान रोवची, दुसरो ओट्स जिनसान चड जमीन रोवची म्हण-पाची सुचोवणी करतलोच आशिल्लो; आनी जर अेकल्यान म्हळें कि अमकें अमकें शेत कोबी रोवपाक फावो-तशें आशिल्लें, तर दुसरो म्हणटालो कि ती जमीन कित्याकूच उपकारा पडनाशिल्ली बगर पाळां-मुळां रोवपा खातीर. दर-अेकल्याचे आप-आपले पाटलावदार आशिल्ले, आनी तांचे मदीं बरेच खरायेन भासाभास जाताली. सभा घेता तेन्ना स्नोबॉल आपल्या लकलकीत भाशणांनी सगळ्यांक जिखून घेतालो, पुण मेळटा त्या वेळा भितर आपल्याक तेंको दिवचो म्हणपाचो प्रचार करपांत ताच्या परस नापोल्यांव लापिट आशिल्लो. तो चड करुन मेंड्र्यां लागीं चड यशस्वी आसलो. हालिंच्या तेंपार मेंड्र्यांनी अशें रडपाचें धरिल्लें: 'चार पांय बरे, दोन पांय वायट' खंयच्याय वेळार, आनी अशी रडारड करुन ते जायते फावटीं सभा गोंदळांत घालताले. स्नोबॉलच्या भाशणांतल्या म्हत्वाच्या-अश्या खिणा ते चड करुन 'चार पांय बरे, दोन पांय वायट' हो मंत्र आडुताले, अशें लक्षांत आयलें. "Farmer and Stockbreeder" ह्या नेमाळ्याच्या कांय फाटल्या आंकांचो स्नोबॉलान लागशिल्लो अभ्यास केल्लो. ते आंक ताका घरभाटांतल्या म्हाल-घरांत मेळिल्ले आनी ते वाचून जायत्यो नोविदादी आनी बरो वावर करुंक जायत्यो येवजण्यो ताच्या मनांत घोळटाल्यो. शेतांतल्या व्हाळांची, धान्यागो ठो-खावळ कडचां मुडियांनी भरुन दवरपाची आनी माती गोबराची जाणातले रीतीन तो खबर करुन उल-यतालो आनी ताणें अेक गडखळ-कठीन येवजण तयार केल्ली जिचे अनुसार सगळ्या मोनजातींनीं आपलें लेंडियो-शेंण सोंपतेंच नीट व्हरुन शेतांत उडोंवक जानालें, दरअेका दिसा वेगळ्या जाग्यार, आनी अशे परीं हाड-व्हर करपाचो वावर वांचोंव घेतालो नापोल्यांव जाल्यार आपल्यो खाशेल्यो येवजण्यो तर काडि-

नाशिल्लो, पुण तरी म्हणटालो कि स्नोबॉलाच्यो येवजण्यो निर्फळ जातल्यो, आनी तो आपल्याचो वेळ असोच काडटा दिसतालो. पुण तांच्या मदल्या सगळ्चां तंट्टयां भितर गिरगिऱ्या दांत्या विशीं जो तंट्टो उप्रासलो तितलो कोडू तंट्टो आनीक खंयचेच गजालीक लागून जावंक ना.

शेकानशेक चरवा-मळार, घरभाटाच्या म्हाल-घरा परसॅचड पयस न्हय, शेतांतली सगळयांत उंच सुवात अशी अेक दोंगुल्ली आसली. हे जमनीचें सर्वेक्षण केल्या उप्रांत स्नोबॉलान सांगगी केली कि हो जागो फात्रो तोच आशिल्लो जंय वाऱ्यार चलतलें गिरगिऱ्या-दांते बसोवपाक जातालें, जाच्यान अेक डायनामो चलोंव येतालो आनी शेतांक ब्रिजली-वीज पुरवटो दिवूं येतालो. हाका लागून गोठ्यांक दिव्या-उजवाड मेळटलो आसलो आनी हिंवाळ्यांत-थंडीयेंत तांकां उबेंत दवरुं येतालीं, आनी तशेच अेक वाठांगुळी खरवंत, नेर-कापणी, फळ-कापणी आनी दुद-काडपांचे काम बिजलीचेर चलतलें यंत्र वो माक्न चलोंव येतालें. मोतजातीन असले तरेच्यो गजाली ह्या आदीं केन्नांच आयकुंक नाशिल्यान (किऱ्याक घरभाटांत सगळें काम भोव पोन्ने पध्दतीन चलतालें आनी तांनुत भोव पोन्नी यंत्रावळ आशिल्ली), तीं जनावरां अजापान आयकतालीं जेन्ना स्नोबॉलान तांच्या दोळयां मुखार हाडलीं व्हडलीं माक्नां (यंत्रां) जीं तांचें काम करतलीं आसलीं, जेन्ना तांच्यांनीं आपल्याक जाय तशें शेतांत चरवूंयतालें आनी आपले मन आनी बुद्ध वाचून आनी उलोवा-उलोवप करुन सुधारूं येताली.

थोड्याच सातोळ्यां भितर वाऱ्यार चलतल्या गिरगिऱ्या दांत्याच्यो स्नोब्रॉलाच्यो तजविजो पुर्णपणी तयार जाल्ल्यो. ताच्यो चडश्यो यंत्रीक बारीकसाणी जोन्स्‌बाबा मालकिच्या तीन पुस्तकां–वेल्यान काडिल्ल्यो. त्या पुस्तकांचीं नांवां अशीं: घरा–भोंवतणी करपाचीं हजार उपकारा पडपी कामां, जण-अेकलो आप–आपलो गंवडो, सुरवेच्या शिकप्या–खातीर बिजलीची माहिती. स्नोबॉलाचो शिकपाचो जागो म्हळ्यार अेक शेड आसलो जो अेकदां केन्ना तरी पिलां काडूंक कोंबयेच्या रोवाण्याक उपकारायल्लो आनी जांतूंत चित्रां काडपा पासत लांकडाची सुळसुळीत धर्तरी आशिल्ली. दर फावटीं चार-अेक वरां तरी थंय तो दारां धांपून बशिल्लो आसतालो. अेका फातराच्या आदारान पुस्तक उगतें दवरुन आनी आपल्या दावकुलाचे मुठींत अेक खडू(चॉक) धरुन, तो सडसडीत फुडेंफाटीं सरतालो, बळीं वळींनी चितारतालो आनी उमेदीन उचंबळून येवून खोशेचे उदगार कडटालो. ल्हवू ल्हवू त्या येतजग्रांचे प्लांत नकाशे म्हळ्यार

चाखां-यंत्रांचीं चड–कठीन –गडखळ अश्या चित्रांची रास पडली, जी ते कुडी-ची अर्दी-शी जमीन आडायताली. हेरां जनावरांक तांतलें कांयच समजनाशिल्लें पुण तरी तांच्या मनांत शाप पडपा सारकें आजाप जाल्लें. दिसाक अेकदां तरी सगळीं जनावरां स्नोबॉलान केल्लीं चित्रां पळेवंक येवूंक लागलीं. कोंबयो आनी बतकां लेगित येवूंक लागलीं,आनी खडवा आदारान केल्ल्या खुणांचेर पांय दवरीना जावपाक जायती थकस घेतालीं. फकत नापोल्यांव आपलो कुशीनूच रावतालो. आपुण दांत्या येवजणें आड आसा म्हणपाची ताणें सुरवातेकूच सांगणी केल्ली. अेक दिस जाल्यार प्लांत–नकासो तपासुन पळेवपाचे नदरेन तो अवचित थंय आयलो. शेडांतल्यान जड-गंभीर रीतीन तो चलतालो,प्लांतांची नकाश्याची दर-अेक बारीकसाण लागशिल्ल्यान पळेवन घेतालो आनी अेकदां वो दोनदां सोंडी लावन हुंगून घेतालो, आनी थोडो वेळ दोळयांच्या अेका कोनश्यांतल्यान तांचेर नियाळ करीत उबोच रावतालो:मागीर अवचित ताणें आपलो पांय उबाल्लो, प्लांतां नकाश्याचेर तो सुरसुरीत मुतलो आनी अेक उतर विचारी नासतना थंयच्यान भायर सरुन गेलो.

त्या गिरगिऱ्या-दांत्या विश्यीं सगळें घरभाट खोल रीतीन वांटून दोशीं जाल्लें. तें बांदपाचें काम भोव कठीन आशिल्लें म्हणपाचें स्नोबॉल नाकारी नाशिल्लो. कोंकेरान चिरे मारुन हाडचे पडटले आसले आनी ते दाळून कस्तुरां बांदून घर-वण्टी बांदच्यो आसल्यो.मागीर शिडां तयार करपाचीं आसलीं आनी तांच्या उप्रांत डायनमो आनी केबल लागतल्यो आसल्यो. त्यो कश्यो आनी खंयच्यान हाडपाच्यो, हे विशीं स्नोबॉलान कांयच सांगलें ना. पुण तो म्हण-टालो कि हें सगळें अेका वर्सा भितर करूं येतालें. आनी ताच्या उप्रांत, तो म्हणटालो, कि तांचो अितलो कष्ट–वावर वांचतलो आसलो कि तेन्ना मोनजातींनीं सातोळयाक फक्त तीन दिस वावर करचो लागतलो. नापोल्यांव, दुसरे वटेन, आपले मुद्दे मांडटालो कि त्या वेळची सगळयांत व्हडली गरज म्हळयार जेवणा उत्पन्न वाडोवपाची, आनी जर ताणीं त्या दांत्याक लागून आपलो वेळ वग-डायलो, तर तीं सगळीं उपाशीं मरतलीं: जनावरांनीं ह्या फुडल्या नाऱ्यां खाल आपले मदीं दोन पंगड केल्ले : ‘स्नोबॉलक आनी तीन दिसां वावरा सातो-ळयाक मत दियात,’ आनी ‘नापोल्यांवाक आनी पूर्ण जेवणाक मत दियात.’ बेन्जामीन, ही अेकूच मोनजात आशिल्ली जाणें कोणा अेकल्याचीय कुस घेत-लीना. जेवण चड - भरपूर जातलें वो गिरगिऱ्या - दांत्याक लागून वावर वांच-तलो म्हणपाचें अेकूय सत्‌मानपाक तो तयार नाशिल्लो. दांते आसूं वो नासूं, तो म्हणटालो, जीवीत जशें सदांच चलत आयलां तशेंच तें सदांच फुडे चलत

रावतलें, म्हळचार वायटपणीं .

दांत्या विशीं तंट्टे उप्रासताले त्या भायर, घरभाटाची राखण करपाचो प्रस्न आशिल्लो. जरी मनश्यांक गाय-गोठ्यांतल्या झुजांत हार पडिल्ली, तरी ते आनीक अेक फावट घडये प्रयत्न करीत आनी घरभाट परतें घेवपाक आनी जोन्स्‌बाबाक परतो जाग्यार बसोवपाक येत्न करीत म्हणपाचें दिसून आयिल्लें. तशें करपाक तांकां चड कारण आशिल्ले. कित्याक तांकांल्हार पडल्या म्हण-पाची खबर गांवांगांवांनी पातळून गेल्ली आसली आनी शेजारच्या घरभाटांत आशिल्या जनावरांक ते खबरेन अस्वस्त करुन उडयल्शीं सदां भशेन, स्नोबॉल आनी नापोल्यांव, हांचें अेकामेका लागीं पडनासलें. नापोल्यांवाच्या मत्ता प्रमाणें, मोनजातींनीं आर्मां - बंदुकां उबारुंक जाय आशिल्लीं आनी तांचो उपयोग करचे खातीर प्रशिक्षण घेवपाची गरज आसली. स्नोबॉलाच्या सांगणे प्रमाणे, हेरां शेता - घरभाटांनीं आशिल्ल्या मोनजातीं मदीं बंडाय घडोवन हाडपाखातीर चड आनी चड कवडे - पारवे उडून धाडपाक जाय आशिल्ले. अेकलो असो मुद्दो मांडटालो कि जर तांच्यांनी आपली आप - राखण करुंक जायना तर तांचेर जैत जोडून व्हरपाक हेरांक शक्य जातलें आशिल्लें दुसरो म्हणटालो कि जर सगळे कडेन बंडाय जांवक लागली तर आप - राखण कर-पाची गरजूच नाशिल्ली जनावरां नापोल्यांव सांगता तें पयलीं आयकतालीं आनी उपरांत स्नोबॉल सांगता तें, आनी तीं गोंदळटालीं आनी तांतलो कोण सारकें सांगता तें तांच्या ध्यानात येनाशिल्लें. खरें म्हळचार जो कोण त्या त्या वेळार उलयता ताचे लागीं तांचें सदांच सहमत असतालें.

निमाणे कडेन अेक दिस असो आयलो जेन्ना स्नोबॉलाच्यो तजवीजो सामक्यो तयार जावन आयिल्ल्यो फुडल्या दिसा येतल्या आयतारा जाल्ले सभेंत, गिरगिन्या दांत्याचें काम सुरु करचें कि ना, ह्या प्रस्नाचेर मत घेव-पाचें आसलें. जेन्ना जनावरां त्या व्हडल्या कडयांत अेकटांय जाल्लीं, तेन्ना स्नोबॉल उठलो आनी, जरी मेंड्यांचें रडणें ताका बंद करुन उडयतालें, गिर-गिन्या- दांतें बांदपाचीं आपलीं कारणां ताणें स्पश्ट सभे माजार मांडलीं. मागीर नापोल्यांव ताका जाप दिवपाक उठलो. ल्हवू उलोवन ताणें सांगलें कि हें वाऱ्यान - चलतलें - दांतें बांदपाची येवजण म्हळचार नाका जाल्लें नश्टे प्रकरण आनी त्या थारावाक मत दिनाकात म्हणपाची आपुण तर बुद्द दीन. हें म्हणून तो रोखडोच बसलो. ताणें फकत तीन सेकंद उलयल्लें आनी त्या उलोवपाचो परिणाम कितें जातलो म्हणपाचें ताका पडुंक नाशिल्लें. ह्याच खिणा स्नोबॉल रोखडो उठलो आनी अेक धेंगसो घालून मेंड्यांचें रडणें बंद करुन उडोवन,

तागें दांत्या विशीं आनी ते येवजणें वटेन खतखतीत अेक मागणी-प्रार्थना केली. आतां मरेन मोनजातींची ओड दोगांय वटेन अेकसारकीच दिसताली. पुण अेका खिणा भितर स्नोबॉलाच्या सुटसुटीत उलोवपा वरवीं तांकां ताचे वटेन ओडून घेतिल्ल्यो. लकलकीत वाक्यां उदेशीं ताणें मोनजाती घरभाटाचें वर्णन केलें जशें तें जांव येतालें जेन्ना मोनजातींच्या खांध्या-माथ्यावेलो तो मारेकार वावर त्या दांत्या वरवीं उखलतलो आसलो. ताची येवजण, कल्पना आतां साध्या कापणीच्या माकनां परस पैस गेल्ली. तो म्हणटालो कि बिजलीच्या नाडयार मळणीचीं यंत्रां, दांतीं, पेडां, लुवणीचीं माकनां आनी बांदपाचीं यंत्रां चलोंव येतालीं. त्या भायर दर-अेका गोठ्याक बिजली-दिवे, हुन आनी थंड उदक आनी विजेचेर चलतलें अेक गरम करपाचें यंत्र चलोंव येतालें. तो उलोवन जाल्या उप्रांत, जनावरां आतां खंयचे वटेन मत दितलीं ताचो कोणाकुच दुबाव नाशिल्लो. पुण ह्याच खिणा नापोल्यांव उठलो आनी स्नोबॉला वटेन अेक आथत्रीच पालशी नदर मारुन ह्या आदीं केन्नाच मारुंक-आयकूंक येनाशिल्ल्या बारीक -भितल्ल्या अश्या रागीश्ट ताळ्यान ताणें जबरदस्त किळंच माल्ली.

तो आवाज आयकना फुडें भायल्यान भंयांकृत खरखरीत रडण्यांची करांदाय जाली तेन्ना गळ्या भोंवतणी पितळेच्या कुडक्यांनी बसयल्लो कॉलर घाल्ले व्हडल्या कास्ताचे सुणे रोस्तीन कडयांत धांवत आयले. ते अेकदम स्नोबॉलाच्या आंगार गेले. पुण ताणे आपुण बशिल्लो त्या जाग्या वेली सट्ट करुन वेळार उडी माल्ली आनी तांच्या दाडे-घांसांतलो तो कसोय जाल्यार सुटलो. खिणा भितर तो दारा भायर पाविल्लो आनी सुणे ताच्या फाटल्यान धांव धांवताले. अजापान थक्क जाल्ल्यान आनी उलोवपाक भियेल्ल्यान, सगळीं जनावरां दारांतल्यान लुटी-खेटी करीत ती धांवपळ चोवपाक खशेंतालीं. रस्त्या कडेन वेतल्या लांबदीक चरवा-मळार स्नोबॉल फिल्कट मारीत तुरतुरीत धांवतालो. तो अितल्या वेगान धांवतालो जशें अेका दुकराच्यानुच धांवुंक जाता. पुण सुणे ताचे लागच्यानूच फाटीक आसले. अवचित तो निसल्लो आनी अशें निश्चित दिसतालें कि आतां तांच्या चपक्यांत तो सामको सांपडलो. पुण उप्रांत तो परतो उबो जालो आनी पयलीं परस चड नेटान आनी वेगान धांवत सुटलो आनी ते सुणे ताचे फाटो-फाट लागीं पावता दिसताले. तांतल्या अेका सुण्यान स्नोबॉलाचे शेंपडेचेर आपलो घांस घाल्लो पुण तोंडांत पडचे आदीं स्नोबॉलान फावो त्या वेळार ती ओडून काडली. मागीर ताणे आपलो वेग चड वाडयलो आनी ताका धरपाक थोडोच जागो फाटीं उल्ला म्हळयार वयेंतल्या अेका बुराखांत अवचित

अडी मारुन कुस माल्ली आनी आनीक ताची झळक दिसली ना. मोनैपणान पांगरून आनी भिरांतीन कांपेरून जनावरां परतीं कडयांत, भितर सल्लीं. अेका खिणा उप्रांत सुणे धांव मारीत परते आयले. हे सुणे खंयच्यान उपजले हें तर पयलीं कोणाच्याच लक्षांत आयलें ना. पुण हो प्रस्न रावडोच सुटलो; हे आसले ते सुणे जे पेटे आसतना नापोल्यांवान तांच्या आवयां कडल्यान काडून घेतिल्लें आनी जांकां ताणें आपले– भशेन खाजगी रीतीन पोसुन हाडिल्ले. जरी ते अजून पुराय वाडिल्ले नासले तरी ते व्हडले सुणे जाल्ले आनी रानवटी कोल्या सारके उजाळ–रागीश्ट दिसताले. ते सदांच नापोल्यांवां तेंकूनूच आसताले. अशें नदरेक आयलें कि जशी हेर सुण्यांक जोन्स–बाबाकडेन शेंपडी हालोवपाची संवंय आसली तशेंच हे सुणे नापोल्यावांक शेंपडी हालयताले.

सुण्यांक आपणाल्या फाटल्यान घेवून नापोल्यांव आतां त्या सोप्यार चडलो, ज्या सोप्यार हया आदीं उब्रो रावून व्हडल्यान आपलें मूळ भाशण केल्लें. ताणें जाहीर केलें कि आयच्यान हया फुडें आयतारा सकाळीं जातल्यो त्यो सभा रद्द केल्यात. तांची गरज नाशिल्ली, ताणें म्हळें, आनी तांकां लागून बेस्टो वेळ पिडुेर जातालो. घरभाटाच्या वावरा संबंदान आशिल्ले कसलेय प्रस्न फुडाराक अेके खाशेले दुकरांचे समितीन थारांवचे वो सोडोंवचे. ते समिती-चो मुखेली आपुण आसतलों, हे समितीचे वांगडी खाजगी रीतीन अेकटांय येवून मेळटले आनी ताणीं घेतिल्ले थाराव उप्रांत हेरांक कळीत करतले, जना-वरां आयतारा सकाळचीं अजून अेकटांय येत रावतलीं, बावट्याक सलाम करतलीं, 'अिंग्लंडची मोनजात' पद गायतलीं आनी फुडल्या सातोळ्या खातीर कामां करचेलो हूकुम आयकून घेतलीं. पुण आनीक भासाभासो मात आसच्यो नांत.

स्नोबॉलाक धांवडावन उडयला ते घडणेंचो तांकां धक्को बशिल्लो आसतनाय, ही घोशणा आयकून मानजातींक खूब वायट दिसलें. फावो ते मुद्दे तांचे लागीं आशिल्ले जाल्यार हे फर्मावणें विशीं साबार जाण आपलो निशेद पर्गटायतल्यो आसल्यो. बोक्षर लेगित मात्सो बेजार असो जाल्लो. ताणें आपले कान फाटीं केले, फुडले केंस साबार फावटीं फडफडायले आनी आपले तकलेंत घोळटलीं चितनां थाऱ्यार घालपाक तो येत्न करूं लागलो; पुण कितें म्हणचें तें निमाणेंकडेन ताका येवजना जालें. दुकरां मदले जाल्यार कांय जाण बड बडबडपी आसले. मुखावेल्या रांगेतले चार धाकले मारपाक – पोशिल्ले

दुकर नापोल्यांवान केल्ली सागणी आपणांक मान्य ना म्हणपाचो बोवाळ करुन रडले. चारुय उठले तेन्ना नापोल्यांवां भोंवतणी बशिल्ल्या सुण्यांनीं अकस्मात तांकां धमकी दिवून खोलायेन घुरघुरुंक सुरु केलें. तें आयकना फुडें त्या दुकरांनी आपलें तोंड बंद केलें आनी ते सकला बसून गोठेले. मागीर मेंडऱ्यांनी आपणाचें रडण्यां–पेंपारें व्हडल्या ताळचान वाजोवपाक सुरु केलें : "चार पांय बरे, दोन पांय वायट !" हें रडणें सुमार पावणे वर-भर चल्लें आनी कसलीय भासाभास जातली म्हळचार ती वयर येना जावन आपशींच बंद पडली.

मागीर बोबाटिया (Squealer) दुकराक घरभाटा वेल्यान भोंवपाक धाडलो आनी ताणे नवे वेवस्तेची हेरांक फोडणिशी करुन दिली.

'सांगात्यांनो', ताणे म्हळें, 'सांगाती नापोल्यांवान हो येदो व्हडलो अदीक वावर आपल्या भुजांर घेवून केदो त्याग केला म्हणपाची हांगा आशिल्ली प्रत्येक मोनजात अपुरबायेन वळख घेता आसतली, हाची म्हाका खात्री आसा. सांगत्यांनो, फुडारीपण म्हळचार मौज-भोग जोडपाची अेक गजाल म्हणून तुमी कल्पना करी नाकात! उलट तें अेक खोलायेची आनी जड जबाबदारी जावन आसा. सगळीं जनावरां अेकसारकीं आसात म्हणपाचें सांगाती नापोल्यांवां परस चड थीरपणान आनीक कोणूच मानीना तुमच्यो थारावण्यो तुमींच घेतिल्ल्यो जाल्यार ताका चड मानोवतलें आसलें. पुण तुमी, सांगात्यांनो, केन्नां-केन्नांय वांकडयो थारावण्यों घेश्यात, आनी तेन्ना आमचें कितें जातलें, हाचेर नियाळात! समजा तुमी स्नोबॉलाचो पाटलाव केल्लो. तो वाऱ्याच्या नाडचार चलतल्या गिरगिऱ्या–दांत्यांचीं आपलीं पिशेपणां घेवून भोंवता. तो स्नोबॉल, तुमी आमी आता जाणांत, अेका खुनमाऱ्या परस चड बरो तर नाशिल्लो न्हय ?'

'तो गायां – गोठ्याच्या झुजांत धिटायेन झुजलो', कोणें तरी म्हळें.

'धिटायच आसल्यार पुरो न्हय', बोबाटियान शिटकायलें, 'निश्टा आनी सांगिल्ल्या उतराक मान दिवप, हें चड म्हत्वाचें. आनी गायां-गोठ्याच्या झुजा विशीं सांगचें जाल्यार, म्हाका दिसता की अेक वेळ असो येतलो जेन्ना आमकां कळून येतलें कि तांतूंत दिल्लो स्नोबॉलाचो वांटो चड व्हडलो फुगोवन , अतितायेन चिताल्ला. शीस्त, सांगत्यांनो, कडक लोखणा सारकी

शीस्त जाय ! हें आयचें दोळयांत तेल घालून तेळून धरपाचें वाक्य जांवक जाय. अेक वांकडें पावल घालात, आनी आमचे दुस्मान आमच्या आंगार पडटले. तुमकां जोन्स–बाब परतो आयिल्लो नाका आस्तलोच, न्हय?'

आनीक अेक फावट ह्या मुद्द्याक तर जाप दिवूंक जाय नाशिल्ली. जोन्स परतो आयिल्लो तर खऱ्यांनींच मोनजातींक नाका आशिल्लो; जर आयतारा सकाळीं जातल्या चरचे-सभांक लागून जोन्स परतो येवपाची अिल्ली तरी शक्यताय आशिल्ली, तर त्यो सभाच बंद केल्ल्यो बऱ्यो. आतां सगळया गजालींचेर विचार करपाक वेळ मेळिल्ल्यान बोक्षरान ह्या विशयाचेर आशिल्ली सगळयांची भावना आपणाले जापेन पर्गटायली आनी म्हळें: 'जर सांगाती नापोल्यांव तें सारकें आसा म्हणटा तर तें खऱ्यांनीच सारकें आसूंक जाय.' आनी तेन्नाच्यान ताणें अेक आदर्श–वाक्य आपणायलें : नापोल्यांवाक सदांच रजांव आसा, तो सारकें सांगता. त्या भायर ताचो जणीक-आपलो–सो आदर्श–मंत्र तर आशिल्लोच. तो म्हळयार : हांव मन लावन चड कश्ट करुन वावर करतलों.

अितले म्हणसर कुळकुळीत हिंवाळया - शिंयांचे दिस फाटीं पडटाले आनी वसंत–रुतुंतलो जमीन खणपाचो वावर सुरू जाल्लो. जंय स्नोबॉलान आपलीं गिरगिऱ्या-दांत्याचीं चित्रां काडिल्लीं ती कूड आतां बंद करपांत आयिल्ली आनी अशें सगळयांक मानपाक लायिल्लें कि तीं चित्रां जमनीवेलीं पुसून काडिल्लीं. दर-अेका आयतारा सकाळीं सगळीं जनावरां व्हडल्या कडयांत अेकटांय येतालीं आनी थंय तांकां फुडल्या सातोळयांत करुंक जाय त्या वावराचे हुकूम मेळटाले. फळा–बागितल्या फोंडांतलो उस्तून काडिल्लो जाण्टेल्या व्हडल्याचो तकलो, आतां मासाची कात लेगित सगळी तासून गेल्ल्यान, बावटया माडिये मुळाक, जंय आर्म–बंदुक बसयल्लें, ताचे कुशीक अेका मणकुटयाचेर दवरिल्लो बावटो चडयल्या उप्रांत, कडयांत भितर सरचे पयलीं, मोनजातींनी त्या तकल्या (कट्ट्याच्या) कुशीच्यान मान बागोवन आदरान वचूंक जाय आसलें. जशीं तीं आदीं अेकटांय बसतालीं तशीं तीं आतां बसनाशिल्लीं. नापोल्यांवाच्या सांगातान, वयर काडिल्ल्या व्यासपिठाचेर, तो बोबटियो आनो आनीक अेक, मिनिमस नांवाचो डुकर बशिल्लो आसलो. मिनिमसा कडेन गितां आनी कविता करपाचें भोव तोखणायेचें देणें आशिल्लें. तांचे भोंवतणी अर्द–भोंवाडो घालीत ते णव तन्ने

सुणे आसले. हेर सगळीं दुकरां तांच्या फाटल्यान बशिल्लीं आसलीं. हेरां सगळीं जनावरां कड्याच्या मदल्या भागांत, त्या दुकरांक फुडो करून बशिल्लीं. तेन्ना नापोल्यांवान आपल्या घरघरीत, सणसणीत सैनीकी शैलीन त्या सातोळया खातीर वावर करपाचे हुकूम वाचले, आनी 'ऊिंग्लंडची मोनजात' हें गीत अेकदांच गायल्या उप्रांत, सगळीं जनावरां थैंच्यान कडसल्लीं.

स्नोबॉलाक भायर धांवडायल्या उप्रांतच्या तिसऱ्या आयतारा, तें वाऱ्या नाडयार चलतलें गिगिऱ्या - दांतें तर आतां खरें म्हळयार बांदपांत येतलें म्हणपाची नापोल्यांवान केल्ली सांगणी आयकून मोनजातीक मात्शें अजापूव-शें दिसलें. ह्या विशयाचेर आपलें मत ताणे कित्याक बदल्लां कायं म्हणपाचें ताणें कांय अेक कारण दिलें ना. पुण ताणें अेक शिटकावणी मात मोनजातींक दिली कि ह्या आतां फर्मायिल्ल्या अदीक कामाक लागून तांकां अेकदम कश्टांचो वावर करचो पडटलो आसलो, घडये तांच्या वांटयाचें जेवणा-रेशन लेगित उणें करचें पडटलें आसलें. दात्याचे चित्रां प्लांत वो नकाशे तर सगळे तयार जाल्ले, निमाणे बारीकसाणे मेरेन. दुकरांची अेक समिती फाटले तीन सातोळे जाले ह्या प्लांतांचेर - नकाश्यांचेर घावुरताली. गिरगिऱ्या-दांत्याची बांदावळ, हेर साबार वावर करपाचो धरुन, पूर्ण करपाक दोन वर्सां लागतलीं असो अदमास केल्लो.

ते सांजे हेरां मोनजातींक बोबाटियान खाजगी रीतीन फोडणिशीं करुन सांगलें कि खरें म्हळचार नापोल्यांव ह्या गिरगिऱ्या-दांत्या आड तर केन्नाच नाशिल्लो. उलट पयलीं पासून ताणेंच कि हे येवजणेचो पाखो धरिल्लो, आनी स्नोबॉलान जो प्लांत त्या रोवाणेच्या घुडा जमनीर बसून चितारिल्लो तो खरें म्हळचार नापोल्यांवांच्या कागद-पत्रांतलो ताणें चोरुन व्हेल्लो. गिर-गिऱ्या-दांतें खरें म्हळचार नापोल्यांवाचेच कल्पनेंतली रचणूक आशिल्ली. अशें जाल्यार, कोणें तरी विचाल्लें, ते येवजणे आड ताणें तेन्ना अितले खरायेन तर कित्याक उलयल्लें ? हें आयकून बोबाटियान शेंपडी सामकी पांयां मदीं भितर घाली. तें कित्याक काय म्हळयार, बोबाटियान सांगलें, सांगाती नापोल्यां-वांच्या टोकपणाची ती अेक हिकमत. तो आपूण दांत्या येवजणे आड आसा म्हण-पाचें वयल्या-वयर दाखयतालो, त्या स्नोबॉलाक काडून उडोवपाची अेक माण्णी कशी. तो स्नोबॉल वायटत्रो आशिल्लो आनी हेरांचेर ताचो भोव वायट परिणाम जातालो. आतां स्नोबॉल वाटेवेलो कुशीन सरिल्ल्यान, ताची

सुडबूड नासतना, ती येवजण फुडें वचूं येताली. हें कितें काय म्हळचार, बोबाटियो सांगतालो, टॅक्टीक्स म्हळचार टोकपणाची माण्णी. "माण्णी, सांगत्यांनो, माण्णी, " भौन भौन तेंच उतर म्हणीत हांगा थंय उडचो मारीत आनी खोश्येन हांसत-हांसत तो शेंपडी हालयत रावलो. मोनजातींक त्या उतराची सामकी बरी समजणी मेळ्ळी ना-शी दिसता. पुण बोबाटियो अितले समज-घालपी रीतीन उलयतालो आनी ताचे भोंवतणी आशिल्ले सुणे अितली धमकी दिवन भोंकताले कि आनीक प्रस्न करीनासतना ताणें दिल्ली फोडणिशी मोनजातींनी दोळे धांपून मानून घेतली.

आवेस्वर–६

त्यां आल्ल्या वर्सा मोनजाती चाकरां बंद्यां भशेन वावर–कश्ट करुंक लागल्यो. पुण त्यो आप–आपणाल्या कामांत गुल्ल खोशाल आसल्यो, प्रयत्न–वावर करपाक वो त्याग करपाक त्यो केन्ना गुणगुणल्योनांत. संगळें जें त्यो किते करताल्यो तें तर तांच्याच स्वताच्या बऱ्या खातीर आनी तांच्याच जातीच्या तांच्या फाटल्यान येतल्यांच्या फायद्या पासत आसलें आनी न्हय आळश्या, चोरपी मनीस जातीच्या पेण्यां खातीर म्हणपाचें त्यो बेस बरीं जाणा आशिल्ल्यो.

आल्ल्या वसंत–रुतुच्या आनी गिमाळेचाच्या काळार ताणीं सातोळेचाक साट–वरांचो–असो कश्टां–वावर केलो. आनी आगोस्तांत नापोल्यांवान जाहीर केलें कि आयताराच्या दुसऱ्या आदेसाकूय तांकां वावर करचो लागतलो. ही वावर म्हळेचार खऱ्यांनींच आप–खोश्येन करपाचो. तरी पुण खंयच्याय मोन–जातींन तर थंय येनासतना कूस माल्ली जाल्यार तिचें जेवणा–रेशन अर्द्या मापान उणें करतलें आसले. तरी आसताना, कांय थारावीक कामां करीनास–तना दवरची तर गरज पडली. फाटल्या वर्सा परस ह्या वर्साची लुवणी उण्या प्रमाणांन यशस्वी जाल्ली, आनी दोन शेतां जीं पाळां–मुळांनीं गिमा–ळचाचे सुरवातेक रोवूंक जाय आशिल्लीं, तीं रोयलीं नांत कित्याक तीं खण–पाचो वावर फावो तितलें आदीं जालो ना. फुडें येतलो शियाचो काळ भोव कठीन जातलो म्हणपाचें तर संभवान–अदमासान सांगूक जाताले.

वाऱ्याचेर चलतल्या गिरगिऱ्या-दांत्याच्या कामांत आदीं यवजूंक नाशिल्ल्योच अश्यो कांय अडचणीं उप्रासल्यो. शेता-भाटांत चुन्याची अेक भोव बरी खण आशिल्ली, आनी भायल्या अेका लोजांत जायती शिमिट आनी रेंव मेळिल्ली. अशें आसून बांदपाक जाय आसल्यो त्यो सगळयो वस्तू आतां तयार आशिल्ल्यो. पुण ते फातर फोडून तांचे फावो त्या आकाराचे कुडके कशे कर-पाचे हो प्रस्न पयलो मोनजातींच्यांन सोडोंवक जाय नाशिल्लो. हें कशेंच तरेन करुंक जायत अशें दिसनाशिल्लें भायरावन पिकासान आनी पारय घेवून. हीं आयिद्नां तर खंयच्याच मोनजाती लागीं हातांत धरुंक जायनाशिल्लीं, कित्याक खंयच्याच मोनजातीच्यान आपल्या फाटल्या पायांचेर उबें रावूंक जायनाशिल्लें. साबार सातोळचां निर्फळ प्रयत्न केल्या उप्रांत कि कोणाक तरी फावो ती युक्त सुचली—ती म्हळयार जडायेच्या बळाचो उपयोग करपाची. खणीच्या तळाक सगळे कडेन व्हडलीं व्हडलीं खडपां पडून आशिल्लीं. पुण तांचो आसा ते भशेन उपयोग करुंक जाय नाशिल्लो कित्याक तीं चड व्हडलीं मोठीं आसलीं. तांचे भोंवतणीं मोनजातींनी राजू बांदले, आनी मागीर सगळयांनी अेकटांय येवून-गायो, घोडे, मेंडरे, खंयचीय मोनजात जिच्यान राजू धरुं येतालो- दुकरां लेगित केन्ना केन्नांय संकटाच्या वेळार हात घालतालीं-ल्हवू ल्हवू ताणीं खणी-च्या तोंडा मेरेन तीं खडपां ओडीत व्हेलीं. थंयच्यान तीं खडपां देगेवेल्यान सकला उडयलीं आनी सकला आपटून तांचे कुडक्यान-कुडके जाले. फुटल्या उप्रांत तो फातर व्हांवोवपाक सोंपें जाल्लें. घोडयांनी ते फातर गाडयार घालून व्हेले, मेंडऱ्यांनी अेक अेक फातर ओडीत व्हेलो, मुरियेल आनी बेंजा-मीन हांणीं लेगित अेका भुरग्यांच्या - गाडयाक आपुण आपणांक बांदून घेतलें. आनी अशें करुन आपणाचो कशेय भशेन वावराचो वांटो उबाल्लो. गिमा-ळयाचे निमणे दिस येतात म्हळयार फातरांचो फावो तितलो सांटो अेकटांय जाल्लो. मागीर दुकरांच्या देखरेखी खाल बांदकामाचो वावर सुरु जालो.

पुण ती भोव ल्हवू, कठीन वावराची प्रक्रिया आसली. चड-शे फावटीं, अेकूच खडप खणीचे वयले देगर ओडून हाडपाक थकून उडयतल्या वावराचो अेक आख्खो दिस लागतालो, आनी केन्ना केन्नांय तें खडप देगेवेल्यान लेकयल्या उप्रांत लेगित फुटनासतना उरतालें बोक्षरा शिवाय कितेंच जावपाक पावचे नाशिल्लें; ताची बळीश्ट शक्ती सगळयां मोनजातींक अेकटांय धरुन जाल्ली. अितले बरोबराची आसली. जेन्ना जेन्ना खडप वयर ओडटना निसरपाक लाग-तालें आनी आपूण त्या तोलान दोंगरा वेल्यान लोटून देंवतात म्हणून मोन-जातींनी आस्त सोडून बोबो-हुयेली माल्ल्यो जाल्यार, सदांच बोक्षर तांच्या

आकांताक पावतालो आनी कश्टान राजवाक ओडून धरतालो आनी खडप पडना तशें करुन आडावन धरतालो. सड्यावेल्यान वयर वयर सगळ्या तोलान-बळान कश्टान वावुरतना, खर्शेत-धापेतना, आपणाल्या खोंटांनी जमीन बुरखायतना आनी दोनूय ताच्यो व्हड कुशी घामान बुडून वेतना बोक्षराक पळेवन सगळे ताचे तोखणायेन भरताले. क्लोवरीन ताका केन्ना केन्नांय शिटकावणी दिवची आसली कि ताणें चड वावर करुन थकून पडचें न्हय. पुण ती ताणें केन्नाच काना-मनार घेतली ना. ताचे दोन नारे : 'हांव मन लावन चड कश्ट करुन वावर करतलों' आनी 'नापोल्यांव सदांच सारकें सांगता', सगळ्या प्रस्नांक फावो-तशी जाप जावन आसा, अशें ताका दिसतालें. ताणें कोंबल्या कडेन अशी वेवस्ता केल्ली कि सकाळीं पयलीं थारायल्ल्या अर्दया वरा आदीं आपल्याक उठावचे सुवातेर आतां अेक पावणे-वर आदीं उठावचो. आनी आपल्या आयत्या उसरपती वेळार, जे खीण चुकुनूच अशे येताले आनी ह्या दिसांनी तर जब्र येनाशिल्ले, तो आपुण अेकलोच खणीर वेतालो, फुटिल्ल्या फातरांचो सांटो अेकटांय करतालो आनी कोणाचो आदार नासतना ते फातर दांतें बांदुंक घाल्ल्या जाग्यार हुडून उडयतालो.

त्या सगळ्या गिमाळ्याक जनावरां कश्ट काडीत वायट भेसार तर पावूंक नाशिल्लीं जरी ताणीं खूब कश्टांचें काम केल्लें. जर जोन्साच्या वेळार तांकां मेळटालें त्या जेवणा परस चड-शें तांकां आतां मेळनाशिल्लें तरी ताच्या-कूय उणें तर नाशिल्लें. आपणाचेंच पोट भरुन आनी आनीक पांच बरेंच-जेवतल्या मनश्यांक पोशीनासतना रावपांत तर बरोच व्हडलो फायदो आसलो. हो फायदो कुशीन उडोवपाक जायत्या अपेसांचें वजन दुसरे वटेन हाडचें पड-टलें आसलें. आनी साबार रीतीन पळेंवक गेल्यार, वावर करपाची मोनजातीं-ची पद्धत बरी सडसडीत आसली आनी वावर करपाक तर निबेल फायद्याची. देखीक, नंडणी काडपाचो वावर तांच्यानी अितले संपुर्णायेन करुं येतालो जें मनश्यांक तितलें शक्यच नाशिल्लें. आनी अजून, जेन्ना खंयचीच मोनजात आतां चोरीनाशिल्ली, तेन्ना तर चरवाची जमीन आनी खणून रोवपाची जमीन अश्यो कुशीन काडपाची गरजूच नाशिल्ली, जाका लागून आडे-वंयों आनी दारां -दारवंटे करपाचो आनी तांची जतनाय घेवपाचो वावर वांचतालो. तरी आसतना, जसो जसो गिमाळो फुडें वचत गेलो तसो तसो ह्या आदीं येवजुंक नाशिल्ले तसले उणाव दिसूंक लागले. पाराफीन तेल, खिळे, सूत, सुण्याची बिस्कूत आनी घोडयांच्या पांयांक लोखणा मोचे जाय आशिल्ले. हांतली अेकूय वस्त घरभा-टांत उत्पन्न करुंक जयनाशिल्ली. मागीर बि-बियाणें आनी कृत्रीम सारें, त्या

भायर साबार तरेचीं आयिद्दा – आवतां आनी निमाणें कडेन गिरगिऱ्या - दांत्या खातीर यंत्रावळ, हांचीय गरज पडटली आसली. हें सगळें–सगट कशें सोदुन-मेळोवन हाडपाचें, हाची कोणाकूच कल्पना करूंक येनाशिल्ली.

अेका आयताऱा सकाळीं, जेन्ना मोनजाती आप–आपल्याचो वावरा हुकूम घेवपाक अेकटांय आयिल्ल्यो,तेन्ना अेक नवें धोरण थारायलां म्हणपाचें नापोल्यांवान जाहीर केले. ह्या फुडें मोनजाती–घरभाट शेजारच्या हेरां घरभाटां लागीं वेपार–धंदो करतलें आसलें: खरें म्हळयार, वेपारी दुडू-नफ्याचे नदरेन तर न्हयच पुण अेकाच हेतून आनी तो म्हळयार ताकतिकेच्या गरजेच्यो तांकां वस्तू मेळोवन घेवचे खातीर. गिरगिऱ्या - दांत्याच्यो गरजो हेर सगळयां गरजां परस पयल्यो आसूंक जाय, ताणें म्हळें. देखून आपूण सुक्या - तणाचें अेक कुडें तसोच चालू वर्साच्या गंवा - पिकेचो अेक वांटो भायर विकचे खातीर वेवस्ता करतां. मागीर, जर दुडवांची आनीक गरज पडली जाल्यार, तर तांतयां विकून ती भागोंवची पडटली आसली; तांतयांक तर विलिंगडनांत सदांच ताण गिरायक मेळटालें. कोंबयांनीं हो त्याग येवकारुन घेवूंक जाय, नापोल्यांवान म्हळें, गिरगिऱ्या–दांतें बांदपाऱ्या वावरांत आपणें दिल्लो खाशेलो - असो वांटो कसो.

हें आयकून, आनीक अेक फावट मोनजातींक बाबडयांक कितें तरी खाल्लेले भशेन जावंक लागलें. मनश्यां लागीं कसलोच वेव्हार करचो न्हय, तांचे लागीं वेपार धंदो करचो न्हय, दुडवांचो केन्नाच उपयोग करचो न्हय–हे तर पयले वयले थाराव जे जोन्साक धांवडायल्या उप्रांतचे पयले जैतिवंत सभेंत पास केल्ले, हेच न्हय गा ते? हे थाराव पास केल्ले म्हणपाचो सगळया मोनजातींक उगडास आशिल्लो: वो उणें म्हळयार तसो उगडास आसा, अशें तांकां दिसतालें. नापोल्यांवान सभा बंद केल्यात तेन्ना ज्या चार दुकरांनी निशेद पर्गटायल्लो, त्याच दुकरांनी भिरांतीन–असो आतां आवाज उठयलो, पुण सुण्यांनी मोठ्यान भोंकून तांचीं तोंडां रोखडींच बंद उडयलीं: मागीर, सदां भशेन, मेंडऱ्यांनी आपलें पेंपारें वाजोवपाक सुरु केलें: 'चार पांय बरे दोन पांय वायट.' अशें आसून त्या विणा उप्राशिल्ली खळबळ जिरुन ना नपश्यात जावन गेली. निमाणें-कडेन नापोल्यांवान आपणालें दावकूल उबारुन मोवन पाळात म्हणून फर्मायलें आनी फावो त्या वेव्हाराची आपणें सगळी तयारी केल्या म्हणपाचें सणसणीत जाहीर केलें. मनीस–प्राण्यां लागीं संपर्क सादपाक वो कितेंय करपाक खंयच्याच मोनजातीक गरज पडची ना, हो संपर्क तर चड गरजे भायलो जावन आसा. तो सगळो भार आपुण आपल्याच्याच भुजांर घेवूंक सोदतां. विलिंगडन शारांत

जियेतलो अेक व्हिपर-बाब हाणें मोनजाती घरभाट आनी भायल्या संवसारा मदें आपूण मध्देस्ती जातां म्हणपाचें कबूल केलां. आनी तो दर सोमारा सकाळीं आपल्या कामा विशीं हुकूम घेवपाक घरभाटांत येतलो. 'मोनजाती घरभाटाचो विजय जांव! वीवा!' म्हणून नारो गाजोवन नापोल्यांवान आपलें भाशण सोंपयलें आनी 'अिंगलंडची मोनजात' हें गीत गायल्या उप्रांत मोनजातींक आप-आपले वाटेन वचूंक सोडल्यो.

मागीर बोबाटियान घरभाटाची भोंवडो घेतली आनी उचांबळ जाल्लीं मोनजातींचीं मनां शांत केलीं. ताणे तांका खात्री दिवून सांगलें कि वेपार धंदो आनी दुडवांचो उपयोग करीना जावपाचो थाराव केन्नाच पास जांवक नाशिल्लो, न्हय म्हुण कोणें सुचोंवक लेगित नाशिल्लो. तो थाराव फकत निखटो तांचे कल्पनेंतल्यान उपजल्लो, घडये स्नोबॉलान फटी पातळायल्ल्यो थंय ताचे सुरवातेचें मुळ लागतालें थोडचा मोनजातींक अजून मात्शे दुबाव लागताले, पुण बोबाटियान तांकां शिटूकपणीं विचाल्लें'सांगात्यांनो, हें तुमी सपनांत बी पळों-वक ना म्हणपाचें तुमी खरे खात्रेन सांगूं शकतात? हचा थारावाची तुमचे लागीं खंय तरी बरोवन केल्ली लावणी जाल्ली आसा, न्हय?' आनी जेन्ना अेक तर खरें आसलें कि असलें कितेंच बरोवन दवरूंक नाशिल्लें, आपुणूच निस्ता चुकल्यो अशें येवजून मोनजातींक समाधान दिसलें.

दर-अेका सोमारा व्हिपर-बाब, थारायल्ले भशेन, घरभाटाक भेट दितालो. तो गुप्त-मनाचो असो मनीस दिसतालो. आकारान मोटवोच, ताका तोंडाच्वा दोनूय कुशींनी मिश्यो आसल्यो. तो ल्हान-श्या धंद्याचो असो सोलि-सितादोर (वकील कसो) आसलो. पुण मोनजाती-घरभाटाक अेका मध्ये-स्त्याची गरज पडल्ली आनी तांचे कडल्यान मेळपाचो नफो बरो फायद्याचो आसतलो म्हणपाची ताका हेरां परस सुलूस लागली, हें येवजिल्यार तो माटो शिटूक जांवक जाय आशिल्लो. तो घरभाटांत येता वेतालो तें जनावरां भिरांतीत-अशीं पळोवन घेतालीं आनी तांकता तितली ताची नदर चुकयतालीं. तरी आसतना, जेन्ना तीं नापोल्यांवांक पळेतालीं, चार पांयांचेर रावून दोन पायांचेर उबो आशिल्ल्या व्हिपराक हुकूम दिताआस्तना, तांच्या पात्राद-गर्वाक अेके तरेची उर्बा चडटाली, आनी नवी वेवस्ता तर सामकी वायट न्हय आसा म्हणपाचें तांच्या मनान समजावन सोंपून घेतलें. मनीस-जाती लागीं तांचे संबंद आदीं आसले तेच भशेन तर आतां नाशिल्ले. आतां जेन्ना मोनजाती-घरभाट भर-भराटीर पाविल्लें म्हणून मनशां ताचेर उणो द्वेस करीनाशिल्लीं; खरें म्हळ्यार,

ह्या आदीं केन्नाच करीनाशिल्लो तितलो तीं ताचो आतां द्वेस करतालीं. दर-अेकलो मनीस तर खऱ्यांनीच मानतालो कि तें घरभाट आयज ना फाल्यां दिवाळें काडटलें, आनी, हें तर खरे कि त्या गिरगिऱ्या-दांत्याची येवजण अपेशीच थारतली.मनीस सोऱ्या-गादयांचेर अेकामेकाक मेळटाले आनी आप-आपले भशेन चित्रां काडून अेकामेकाक सिद्ध करुन दाखयताले कि तें गिरगिऱ्या-दांतें जमनीर कोंसळपाकूच जाय आशिल्लें; वो जर तें उबें जालें जाल्यार तें केन्नाच काम करचें नाशिल्लें. अितलेंय येवजितास्तना, तांचे खोश्ये भायर जायत, मोन-जाती आपलो कारभार सुळसुळीतपणीं चलयतात म्हणपाचें पळोवन, तांचे विशीं मनश्यां मदीं अेकें तरेचो आदर-मान निर्माण जाल्लो हे विशीं दोळयांत भर-सारकी अेक गजाल म्हळयार मोनजाती-घरभाटाक ते त्याच खाश्या नांवान उल्लेखूंक लागिल्ले आनी ताचें नांव 'मॅनर फार्म' वो व्हडलें घरभाट म्हणून दाखोव-पाचें ताणी सोडून दिल्लें. जोन्साचो सुरवांटो घेवपाचेंय ताणी सोडून दिल्लें. तें घरभाट परतें आपल्या ताब्यांत घेवपाची जोन्सान आस्त सोडून दिल्ली आनी तो देसाच्या दुसऱ्या खंयच्या अेका भागांत बिराड करूंक गेल्लो. अेका व्हिपेराक सोडलो जाल्यार, मोनजाती-घरभाटा आनी भायल्या संवसारा मदीं कांयच संपर्क नाशिल्लो, पुण अश्यो भौन भौन खबरो चलताल्यो कि फोक्षवूड-च्या पिल्किंगटना लागीं वो पिंचफील्ड-च्या फ्रेडरिका कडेन नापोल्यांव थारावीक असो वेपार-धंदयाचो करार करपाचो आसलो. पुण अशेंय लक्षांत आयिल्लें कि तो करार तर अेका वांगडा दोगांय लागीं करपाचो नाशिल्लोच.

ह्या सुमाराक अवचित दुकरांनी आपली बिडको उबाल्ली आनीं घर-भाटाच्या म्हाल-घरांत वचून आपलें बिराड बसयलें. आनीक अेक फावटीं मोनजातींक उगडास आसा-सो दिसतालो कि त्या घरांत वचपा आड अेक थाराव पास जाल्लो आसलो, पुण आनाक अेक फावटीं तांकां बोबाटियान पटोवन दिलें कि तशें केन्नाच जावंक नाशिल्लें. ताणें म्हळें कि दुकरां त्या घर-भाटाचे मेंदू जावन आशिल्ल्यान, तांकां वावर करपा खातीर थंड-शांत अेक सुवात भोवूच गरजेची जावन आसा. आनी अेका मानेस्त फुडाऱ्याच्या भोव-मानाक सोब सारकें म्हळयार (हालिच्यान ताणे नापोल्यांवांक उल्लेखतना 'फुडारी' हें बिरूद लावपाक सुरु केल्लें) तो अेका बऱ्या घरांत रावूंक जाय आनी न्हय दुकरांचे निखटे अेके गायरींत, तरी आसतनां, जेन्ना मोनजातींनी आयकलें कि दुकरां आपलें जेवण-खाण रांदचे कुडींत घेतालीं आनी थंयचो वसरो आपल्या खेळा-कर्मणुकीक वापरतालीं; अितलेंच न्हय, ती थंयचे बाज्जेर न्हिदतालीं, तेन्ना काय जाणांक भोच अस्वस्त, वायट दिसूंक लागलें. बोक्षरान

सदां भशेन ‘नापांल्यांव सदांच सारकें करता’ म्हणून तें कर्तुंप पास केलें, पुण क्लोवर, जिका दिसलें कि बाज्जेर न्हिदपा आड अेक थाराव पास केल्लो आसा, कडयाच्या तोंका कडेन गेली आनी थंय बरयल्ले ‘सात उपदेस’ कितें म्हणटात तें पळेंवन घेवूंक लागली. अेक अेकूच अक्षर ताचे परस चड तिका वाचूंक येनाशिल्ल्यान, तिणें मुरियेलाक आपल्या आदाराक हाडलें.

‘मुरियेल,’ तिणें म्हळें, ‘म्हाका मात्सो चोवथो उपदेस वाचून दाखय गो. अेके बाज्जेर केन्नाच न्हिदचें न्हय, अशें कितें तरी तो उपदेस म्हणीना, न्हय?’

म्युरियेलान मोटया कश्टान तो उपदेस वाचीत अशें सांगलें :

तो उपदेस अशें म्हणटा : “खंयचीच मोनजात बाज्जेर न्हिदची ना चादर घालून”, तिणें निमाणें जाहीर करुन सांगलें.

बारीक पळेंवक गेल्यार खरें म्हणचें चोवथ्या उपदेसांत चादर घालपाची खबर आसली जाल्यार क्लोवरीक तर बरो उगडास जायनाशिल्लो. पुण ते वणटिचेर तशें बरयल्लें आशिल्ल्यान, घडये तेंच खरें जावपाक जायत. ते खिणा, सांगताक दोन–तीन सुणीं घेवून बोबाटियो ते वटेन पावून सल्लो आनी ताणें ही गजाल फावो ते नदरेन थाऱ्यार घातली.

‘तुमी तर आयकलां जातलें, सांगात्यांनो,’ ताणें म्हळें, ‘कि आमी दुकरां आतां घरभाटाच्या म्हाल–घरांतल्या बाज्ज्यांचेर न्हिदतात, न्हय? आनी कित्याक न्हिदचें न्हय गा? बाज्जे आड केन्नाच कायदो केल्लो म्हणपाची तुमी तरी केन्ना कल्पना केल्ली ना मू? बाज्ज म्हळ्यार फकत न्हिदपाची अेक सुवात. गोठ्यांतलो सुक्या–तणाचो दाळ म्हळ्यार अेक बाज्ज, सारकें पळेतलो जाल्यार. कायदो केल्लो तो चादरां आड, जें चादर मनश्याची करणी जावन आसा. त्या घरांतल्या बाज्ज्यां वेलीं चादरां आमी सगळीं काडून घेतलीं, आनी आमी खोटयां–कांबळीं–बोन्नुसां मदीं न्हिदतात. आनी त्यो बाज्जो भोवूच उबेच्यो भुजवणेच्यो जावन आसात! आनी ह्या दिसांनी सगळो मेंदवाचो वावर आमकां करचो पडिल्ल्यान, म्हज्यान तुमकां सांगूं येता, सांगात्यांनो, कि आमकां गरज आसा ताचे परस चड उबेच्यो न्हय गा त्यो बाज्जो. आमकां अिल्लो विसव मेळचो, हे तुमकां नाका जालां, सांगात्यांनो? काम करुंक जायना असले

अवस्तेंत आमी थकून शेवटून पडिल्ले तर तुमकां नाका म्हुण समजतां! आनी जोन्स परतो आयिल्लो तर तुमच्यांतल्या कोणाकूच नाकाच–नाका म्हणपाची म्हाका खात्री आसा!'

मोनजातींनी रोखडेंच ह्या मुद्द्याचेर ताका सामकें खरें, खात्री दिवून सांगलें आनी त्या घरभाटा म्हाल–घरातल्या बाज्ज्यांचेर दुकरां न्हिदतात म्हण–पाच्या विशयाचेर आनीक कितेंच कोणेच उलयलें नां. आनी कांय दिसां उप्रांत जेन्ना अशें जाहीर जालें कि त्या दिसा सावन दुकरां सकाळचीं हेर मोनजातीं परस एक वर-भर उसरां उठलीं, ताचे आड कोणेंच एका उतरान तक्रार केली ना.

ऑटम रुतु येता म्हळचार मोनजाती थकून गेल्ल्यो खऱ्यो पुण तरीय आसतना खोशालभरीत आशिल्ल्यो. गेल्लें वरस तांकां भोवूच त्रासांचें जाल्लें आनी सुक्या–तणाचो आनी धान्या-गोठ्याचो एक वांटो विकून उडयल्या उप्रांत, शियां-काळां खातीर केल्लो तो जेवणा–सांटो व्हडलो-सो भरपूर असो म्हणूक जायनाशिल्लो. पुण सगळ्याचो उगाव तर एक गिरगिऱ्या–दांतें भरुन काडटाले. तें तर आता सुमार अर्दे बांदून जाल्लें. लुवणी जाल्या उप्रांत नितळ सुकें सडसडीत अशे वातावरण कांय काळ तयार जाल्लें. हेर वेळा परस जनावरां चडूच कश्ट उस्पून वावर करतालीं. तांच्या वावरा उदेशीं दांत्याच्यो वणटी एक फुटभर तरी वयर काडल्यो जाल्यार फातरा–चिरे दिसूय-भर हाड व्हर करपांत फाय–द्याक आसा म्हणपाचें तीं येवजितालीं. बोक्षर केन्ना–केन्नांय रातचो लेगित भायर येतालो आनी लुवणे वेळार मळबार आयिल्ल्या चंद्रिमाच्या चान्न्या उजवाडान आपुण आपणाचेच भशेन एक वो दोन वरां वावर करतालो. आयत्या वेळांत जनावरां त्या अर्दे-जाल्ल्या–दांत्या भोंवतणी भोंव–भोंवतालीं, ताच्या वणटींची निटाय, धिटाय–घटाय तोखेतालीं आनी येदें व्हडलें, पळेत–ल्याक भारावन उडोवपा सारकें गिरगिऱ्या–दांतें आपल्या हातांतल्यान कशें काय सायबा घडूंक पावले म्हणपाचें येवजून अजापतालीं. फकत जाणटो बेंन्जा–मीन त्या गिरगिऱ्या-दांत्या विशीं उर्बेभरीत जावपाची व्हडली–शी खोशी दाखयनाशिल्लो. तरीय तो सदां भशेन उदगार काडटालो कि गाढवां जायतो काळ जियेतात; हाचे भायर कांय एक मिटी फोडीनाशिल्लो.

नोव्हेंब्र आयलो आनी ताच्या वांगडा दक्षिणे–अस्तम्ते कडल्यान चों चों करुन घुरघुरीत वारें-वादळ येवूं लागलें. बांदकाम बंद करचें पडलें कित्याक शिमिट कालयतलो म्हळयार सगळें घरभाट ओलें चिप्प जाल्लें. शेकीं एक रात अशी

आयली जेन्ना वाऱ्या-वादळाचो झणझणाट अितलो भयांकृत जाल्लो कि घर-भाटांतल्यो अिमारती बुन्यादी सकट मात्श्यो हाल्ल्यो हादल्ल्यो आनी कडचाच्या पाडसावेले साबार नळे सुटून उबून पडले. कोंबयो भिरांतीन उठून गेल्यो कित्याक काय म्हळयार तांकां अेका-वागडाच खंय सपन पडिल्लें कि पैशिल्ल्यान खंय तरी अेका आर्मा –बंदुकाचो फार जाला आनी तो तांच्या कानार सणसणीत सादला. सकाळीं जनावरां आपल्या गोठल्यांतलीं भायर आयलीं आनी ताणीं पळेलें कि बावटो चडोवपाची माडी सकला पडिल्ली आसली आनी फळां—बागितल्या कोनश्याचो अेक व्हडलो अेलम रुख अेकमुळो जाल्ले भशेन उमटून पडिल्लो. ताणीं हें निकतेंच पळोवन घेतिल्लें जेन्ना दर-अेका मोनजातीच्या गळया-ताळयांतल्यान संतापाची आकांताची अेक हुयेल-किळंच भायर सल्ली. तांच्या दोळयां मुखार भयांकृत अेक देखाव दिश्टी पडटालो. वाऱ्यार चलतलें गिरगिऱ्या-दांतें मोडून घट्टून मातय भरवण जाल्लें

अेकाच तोलान ताणीं सगळयांनी त्या जागा कडेन धांव माल्ली. नापोल्यांव, जो चुकुनूच असो पासयेक भायर सरतालो, सगळयां मुखार धांवूंक लागलो. व्हय, थंय तर तें शेवटून पडिल्लें आसलें, तांच्या त्रास–दगदगांचें फळ, बुन्यादी मेरेन कोंसळून पडून गेल्लें, ताणीं फोडिल्ले आनी मोटया कश्टान व्हांवयल्ले फातर – चिरे सगळे कडेन शिंपडून शिंवर जाल्ले पयलीं तांची वाचा बंद जाल्ली, तांच्यांनी उलोव नज जालें त्या पडिल्ल्या फातरांचो शिंवर दुखेस्तपणी नियाळून तीं दाळेदोळेच पळेतालीं. नापोल्यांव मोनेपणीं हेवटेन – तेवटेन यता वेतालो, वेळो वेळान धर्तरी हुंगतालो. ताची शेंपडी निबर, वातड जाल्ली आनी अेके वटेन थावन दुसरे वटेन हालताली, ताच्या मनांत खरायेन चलतल्या हालचालिचो खुणा कशी. अवचित तो थांबलो जशें काय ताच्या मनांत किंतें तरी निश्चित थारायल्ले भशेन.

'सांगात्यांनो,' ताणें ल्हवान सांगलें, 'हें सगळें पाड घालपाक जबाबदार कोण जावन आसा, हें तुमी जाणांत,व्हय? रातयांत येवून आमचें हें गिरगिऱ्या – दांतें मोडून घालपाचें काम करपी दुस्मान कोण तो तुमकां खबर आसा, व्हय? 'स्नोबॉल !' तो अवचित घडघडाच्या भयांकृत आवाजान घरघरलो! 'हें सगळें स्नोबॉलान केलां! निखटयां वायटपणान, दुस्वासान आमच्या येवजण्यो फाटीं उडोवपाचे हेतून आनी आपणाक लजेन भरुन धांवडायल्लो हे करणेची सूड घेवपाक, हो बदमास – घातमारो रातीच्या काळखांत हांगा लिप-चोरयां भितर सल्लो आनी आमचो हो अेका-वर्सभराच्या कश्टान केल्लो

वावर ताणे विभाडून उडयलो. सांगात्यांनो आतांच्या आतां स्नोबॉला –आड हांगा हांव मर्णाचें फर्मण मारतां. खंयचीय मोनजात जी ताका मनसुबे खातीर हांगा हाडून उबो करीत तिका हांव " मोनजाती वीर, दुसरो वर्ग" हो बिल्लो फाव करतलों आनी तिका त्या भायर अर्दें बल्ल आपोल (सफरचंद) खांवक मेळटलें. जी मोनजात ताका जितो – जिवो धरुन हाडटा तिका आरव्वें बल्ल-भर आपोल मळेटले

स्नोबॉल लेगित असले भानगडींत पडून गुन्यांवकारी जायत म्हणपाचें आयकून मोनजातीक हिस्पाभायर धवको बसलो. राग - तिडकीन उसळटल्यो बोबी - हुयेली जाल्यो आनी स्नोबॉलाक कसो धरचो, तो केन्नाय परतो आयलो जाल्यार, हे विशीं जनावरां चितनांनी आपलो मेंदू झरोवंक लागलीं. तेन्ना, रोखडेंच म्हळयार जाता, ते दोंगुल्ले पसून थोडया अतरा पयस, पांचव्या तणांत तर कोणें तरी दुकराचीं - अशीं पावलां देखलीं. तीं थोडयाच मेत्रां पयस मेरेन दिसलीं पुण तीं आडेवंयेच्या अेका बुराखा मेरेन दिश्टी पडटालीं. नापोल्यांवान खोलायेन हुंगून तांचो वास घेतलो आनी तीं स्नोबॉलाचींच जावन आसात म्हणपाचो सडसडीत निर्वाळो दिलो. घडये स्नोबॉल फोक्षवूड घरभाटांतल्यान आयला जातलो, अशों ताणें आपलें खाजगी मत पर्गटायलें.

'आनीक कळाव करुंक उपकारना, सांगात्यानो!' नापोल्यांवान म्हळें, जेन्ना ताणें तीं पावलां बारकायन तपासून घेतलीं. 'आतां रोखडे काम करपाचें आसा. आयजूच सकाळीं आमी गिरगिन्या–दांतें बांदपाचो वावर परतो आमच्या हातांत घवूंया आनी तें आमीं सगळया शिया - काळांत, पावस पडूं नाल्यार वोत येवू, सतत करीत रावतलीं. आमी ह्या राजद्रोही घातक्याक अशी बुद्द शिकोंवची कि हंया फुडे ताच्यान आमचो वावर अितल्या सोंपेपणान ना - नपश्यात करूंक जांवचो ना. उगडास धरात, सांगात्यांनो, कि आमच्या तजवीज-येवजण्यांत कसोच बदल जांवंक फावो ना: त्यो आमी वेळार, थारायल्ले प्रमाणें, कशेय भशेन तडीक व्हरतल्यांत. सांगात्यांनो, फुडे वचात! गिरगिन्या – दांतें जैतिवंत जांव! मोनजाती – घरभाटाचो विजय जांव!

आवेस्वर–८

तो हिंवाळयाचो शियां – काळ भोवूच कडकडीत थंडीचो आशिल्लो. वादळ – मोड आयलें आनी गेलें. ताच्या उप्रांत बर्फाचे चणे आनी हीम – बर्फाचें हूद वोतलें. उप्रांत दाटयेन फ्रोस्ट – हीम पडलो जो फेबरेराचो म्हयनो मेरेन उणो जायत गेलो. गिरगिऱ्या – दांतें परत बांदून हाड्पाचो वावर मोनजातींनी आप – आपल्याक तांकत ते भशेन कश्ट करीत फुडें व्हेलो. तीं बरे भशेन जाणा आशिल्लीं कि भायलो संवसार तांकां पळेत आसलो आनी जर तांचो गिरगिऱ्या – दांत्या प्रकल्प वेळार तयार जालो ना जाल्यार निर्दुकी मनशां जैत जोडून ताळयो पेट्टलीं आसलीं.

तिरस्कार करुन, निर्दुकायेन मनश्यांनी अशें सवंग केल्लें कि स्नोबॉलान तें दांतें मोडून उडयलां म्हणपाचें खरें मानपाचेंच न्हय : ताच्यो वणटी चड बारीक जाल्ल्यो देखून तें कोंसळून पडलां, ते म्हणूंक लागले. तें मोडपाचें कारण तर स्नोबॉलाक लागून निखालूस न्हय म्हणपाची सगळयां मोनजातींक खबर आशिल्ली. तरी आसतना, अशें थारायल्लें कि हे फावटीं त्यो वणटी तीन फूट दाटायेन बांदच्यो आनी न्हय फकत अठरा ईंच, जशें फाटल्या पावटीक केल्लें. हे खातीर तांकां फाटल्या परस जायतो चड फातर-गुंडो एकटांय करचो पडटलो आसलो. जायतो काळ ती खण हीमा-बर्फाच्या व्हांवून गेल्ल्या कुडक्यांनी भरिल्ली आसली आनी अशें आसून कसलोच वावर रोखडोच हातांत घेवपाक जालो ना. उप्रांत आयिल्ल्या थोडया भोव सुक्या-श्या फ्रोस्ट पडटल्या काळांत थोडी भोव प्रगती जाली. पुण वावर करपाक भोव क्रूर कठीन कश्टांचें जाल्लें. आनी जशी आस्त बाळगून उर्बेन ताणीं आदीं काम केल्लें तेच भशेन उमळशिकेन काम करूंक तांकां हे फावट जमलें ना. तीं सदांच थंडियेन कुडकुडटालीं आनी चड करुन भुकेनूय सामकीं

वळवळटाली. फकत क्लोवर आनी बोक्षर केन्नाच निर्शेलीं नांत. वावर करपांत कितलें सुख मेळटा आनी कामाक केदो मान आसा म्हणपाच्या गजालिचेर बोबाटियान सुन्दर भाशणां केलीं, पुण हेरां जनावरांक तरी बोक्षराच्या धिटाय - घटायेंत आनी 'हांव चड मन लावन आनी कश्ट करून वावर करतलों' म्हणपाच्या केन्नाच चुकनाशिल्ल्या मंत्रांत चड स्फूर्त मेळटाली !

जानेर म्हयन्यांत जेवणाचो उणाव पडूं लागलो. धान्या - गोठयाचें रेशन सामकें उणें केल्लें. आनी ताच्या जाग्यार बटाटयांचें अेक सुबेज रेशन दितले म्हणपाचें जाहीर जाल्लें. पुण उप्रांत अशें कळून आयलें कि त्या फ्रोस्ट-होमाक लागून जंय जंय शेतांत धांपणें पांगरून घालूंक नाशिल्लें थंय थंय चडशी बटाटयांची पीक विभाड जाल्ली. बटाटे मोव आनी रंग-उडिल्ले जाल्ले, आनी तांतले भोव थोडे खावपा - सारके आसले. दिसांचे दीस सतत कितेंय खातलो म्हळयार तांकां कांयच नाशिल्लें बगर कुंडया - कस्कर आनी फळांच्यो उरिल्ल्यो साली. तांच्या तोंडा मुखार भूकेन मरपाची पाळी आयिल्ली.

ही खबर भायल्या संवसाराकडसून लिपोवन दवरपाची चड गरज आसली. गिरगिऱ्या - दांतें कोंसळून पडलें म्हणपाचें येवजून मनशांच्या मनांक धीर - धिटाय मेळिल्ल्यान, मोनजाती घरभाटा विशीं नव्यो नव्यो फटी - फटाशी ते पसरायत आसले. आनीक अेक फावट अशी खबर पातळायल्ली कि मोनजाती भुकेन आनी पिडेन मरुन वेतात, त्यो अेकामेका लागीं सतत झगडत आसात आनी आतां अेकामेकाक खांवूक आनी भुरग्यां - बाळांक मारुन उडोवंक लागल्यात. जर जेवणा - खाणाचे परिस्थितीची खरी खबर भायल्या संवसाराक कळून आयिल्ली तर भायर तिचो वायट परिणाम जातलो आशिल्लो. हें नापोल्यांव बरे भशेन जाणा आसलो. व्हिपर - बाबाचो उपयोग करुन आसा ते स्थितीची उलटी खबर पातळावची, अशें ताणे थारायलें. आतां मेरेन जेन्ना तो व्हिपर सातोळयाक अेकदां दितले आपले भेटेक येतालो, तेन्ना तर मोनजातींचो ताचे लागीं भोव थोडो संपर्क लागतालो वो कांयच न्हय म्हळयार जाता: आतां तर थोडयाच वेंचीक मोनजातींक सांगून दवरील्लें, चड करुन मेंढ्यांक, कि ताणीं व्हिपराच्या कानार पडचें अशे तरेन सहज म्हणचें कि तांचें जेवणा - रेशन आतां वाडयलां. त्या भायर, नापोल्यांवान असो हुकूम काडलो कि कडया-च्या - कुडांत आशिल्ल्या चड-श्या रित्या बाणांनी सुमाराचें - शें माप भरून रेंव घालची आनी ताचे वयर धांपचे खातीर उरिल्ली तांतली खावळ आनी धान्या-गोठो घालचो. कांय तरी निमित्त काडून कडयाच्या-कुडा कडल्यान ताणीं

व्हिपराक पासयेक व्हेलो आनी बाणांचेर ताची नदर पडची अशी वेवस्ता केली. तीं भरिल्लीं बाणां पळेवन तो फटोवलो आनी मोनजाती – घरभाटांत जेवणा-खाणाचो उणाव ना, अश्यो खबरो तो भायल्या संवसाराक दीत रावलो.

तरीय आसतना, जानेर म्हयनो सोंपत येता म्हळयार, अशें थावें जालें कि थोडो धान्या – गोठो तरी खंयच्यानीय तरी सोदून पळोवन हाडचो पडटलो आसलो. ह्या दिसांनी नापोल्यांव भोव चुकुनूच – असो भायर दिसतालो, पुण सगळो आपलो वेळ तो घरभाटाच्या म्हाल-घरांत सारतालो. तें घर दर अेका-दारा कडेन खांवक येतल्या सुण्यांच्या आदारान राखिल्लें आसलें. जेन्ना तो भायर दिसतालो, तेन्ना तर तो दौरो सामको दबाजीक रीतीन जातालो, ताचे भोंवतणी स सुणे लागशिल्ल्यान पारो करताले आनी कोणूय ताच्या चड लागीं पावल्यार, धमकी दिवन घरघरीत भोंकताले. चड–सो तर आयतारा दीस सकाळीं लेगित तो दिसनाशिल्लो. पुण आपले हुकूम आनीक अेका दुकरा कडल्यान, चड करुन बोबाटियाच्या तोंडांतल्यान सांगून, तो कळीत करतालो.

अेका आयतारा सकाळीं बोबाटियान जाहिर केलें कि कोंबयांनी, ज्यो निकत्योच नव्यान तांतयां घालपाक लागिल्ल्यो, आपगें घाल्लीं तांतयां तशींच सोडून दिवूंक जाय. दर - अेका सातोळयाक चारशीं तांतयांचो पुरवटो करचो म्हणपाचो नापोल्यांवान व्हिपराच्या मार्फत अेक करार केल्लो. हीं तांतयां विकून भितर येतलो दुडू तांकां धान्या – गोठयाक आनी खावळीक पावतलो आसलो आनी गिमाळो येयीसर त्या म्हालबजार घरभाट चलतलें आसलें. तो मेरेन परिस्थिती अिल्ली तरी सुधारतली आसली.

जेन्ना ही खबर कोंबयांच्या कानार पडली, तेन्ना ताणीं भंयांकृत बोवाळ करांदाय केली. हो त्याग घडये ताणीं करचो पडटलो म्हणपाची तांकां आदीं फुडें शिटकावणी मेळिल्ली खरी, पुण ती खरेपणांत येत म्हणपाचें ताणीं केन्नाच सत्‌मानूंक नाशिल्लें. त्यो आपल्या वसंत – रुतूंतल्या रोवाण्याची तयारी करताल्यो. तांचे कडल्यान ह्या वेळार तांतयां काडून घेवून व्हरप म्हणचें खून केल्ले वरीच जाल्लें, असो त्यो निशेद पर्गटावंक लागल्यो. तीन मिनोरका – जांती पिलांच्या फुडारीपणा खाल, नापोल्यांवांची अिच्छा आळाबंदा हाडपाक कोंबयांनी निर्धारीत हटटान प्रयत्न केले. तांची पध्दत अशी आसली कि ताणीं कण्यांचेर उडून वच्चें आनी थंय तांतयां घालचीं. तीं घालतना भुंय पडटालीं आनी कुडक्यान – कुडके पट्ट करुन फुट्टालीं. हे करणे आड नापोल्यांवान रोखडोच

आनी कडक उपाय घेतलो. कोंबयांचें रेशन बंद करचें असो ताणें हुकूम सोडलो आनी खंयच्याय मोनजातीन अेके कोंबयेक धान्याचो अेक गोटो लेगित दिल्यार, तो दितल्याक मर्णाची ख्यास्त भोगची पडटली, ताणें कडकडीत फर्मायलें. हयो फर्मावण्यो खरेपणांत हाडच्यो म्हणपाचे सुण्यांनी फाव ते कडक उपाय घेतले. पांच दिस मेरेन कोंबयांनी उपाशीं रावून सगळें सोंसून घेतलें. उप्रांत त्यो उपाय नासून शरण पावल्यो आनी आपल्या तांतयां घालपाच्या घूडांनीं परतल्यो. अितले म्हणसर णव कोंबयो मरुन काबार जाल्ल्यो. तांच्यो कूडी फळां - बागींत पुरुन उडयल्ल्यो आनी अशी खबर भायर दिल्ली कि त्यो 'कोक्षिडीयोसिस' म्हळयार कुंकडांची पिडा जावन मरुन गेल्ल्यो. व्हिपराक हे खबरेचो कांयच पत्तो लागलो ना आनी तांतयांचो तर फाव त्या वेळार ताका पुरवटो केल्लो. तीं व्हरचे खातीर पसरकाराची गाडी सातोळयांत अेक फावट नेमान धरभाटांत येताली.

हो अितलो तेंप जाल्लो स्नोबॉलाची आनीक खबरुच नाशिल्ली. तो खंय तरी शेजारच्या अेका घरभाटांत, फोक्षवूड वो पिंचफील्ड - आंत लिपून रावला म्हणपाच्यो खबरो पावताल्यो. अितले म्हणसर नापोल्यांव आतां आदले परस मात्सो बरे भशेंन हेर शेतकामत्यां लागीं संबंद दवरतालो. अशें घडलें कि त्या आंगणांत लांकडाचो दाळ पडिल्लो आसलो जो थंय धा वर्सां आदीं मांडिल्लो आसलो जेन्ना सूत - कांतपाची गिरण थंयच्यान निखळावन व्हेल्ली. तें लांकूड बरेंच करमेल्लें आनी तें विकून उडोंवचें म्हणपाची नापोल्यांवांक व्हिंपरान बुद्द दिली; पिल्किंगटन तसोच फ्रेडरिक तो दाळ विकतो घेवपाक हुंडकेताले खंय. तांच्या दोगांय भितल्ल्या अेकल्याक कोणाक दिवचो कोणाक नाका, हाचेर नापोल्यांवांचें मत निश्चित जावंक नासलें. अशें लक्षांत आयलें कि जेन्ना जेन्ना तो फ्रेडरिका लागीं कबलात करपा वटेन ओडटालो तेन्ना तेन्ना स्नोबॉल फोक्ष-वुडांत लिपून रावला म्हणपाच्यो खबरो जाताल्यो. जेन्ना पिल्किंगटना लागीं कबलात करची अशें ताच्या मनांत येतालें, तेन्ना स्नोबॉल पिंचफील्डांत लिपून रावला म्हणून खबर मेळटाली.

अवचित, वसंत - रुतुच्या पयल्या - वयल्या दिसांनीं सगळयांक हुस्को-दिवपा सारकी अेक गजाल होलमून आयली. स्नोबॉल रातयांत गुपीत-पणीं खंय त्या घरभाटांत येतालो! हे खबरेक लागून मोनजातींक अितलो हुस्को जालो कि तांच्यांनी सुस्तपणीं न्हिदूंक जायना जालें. अशें सांगताले कि दर-अेक राती तो ल्हवू ल्हवू लिपचोरयां रातरीच्या कांळखांत भितर सरतालो आनी सगळे तरेचीं आडकां - नाडकां करतालो. तो धान्या - गोठो चोरतालो,

दुदाच्यो बाल्दी आडव्यो उडयतालो, तांतयां फोडून उडयतालो, रोयल्ल्या पोरसांतल्यो रोंपयो मडिडतालो, झाडां–फळांच्यो साली खावन बुखायतालो. जेन्ना जेन्ना घरभाटांत कितेंय सारकें चलनासलें, तें स्नोबॉलाक लागून जालां म्हणपाचें सांगपाक आतां संवंयच जाल्ली. जर अेक जनेल मोडलें वो वालेतीचो व्हाळ बंद जाल्लो मेळळो जाल्यार, स्नोबॉलान रातचो येवून तें केलां जातलें म्हणपाचें कोणें तरी निच्छित म्हणचें आसलें. आनी जेन्ना कुडिच्या दाराची चावी शेणली तेन्ना सगळया घरभाटाक पटून आयिल्लें कि ती स्नोबॉलान काडून बांयत उडयल्ली. आनी जेन्ना ती शेणिल्ली चावी खावळिच्या अेका पोतये पोंदाक मेळळी तरी आसतना लेगित त्यो मोनजाती तें आदलेंच मानीत गेल्यो म्हणपाचें येवजून विचित्र दिसतालें. गायांनी अेमतान सांगलें कि स्नोबॉल तांच्या गोठयांत चोरयां भितर सरतालो आनी त्यो न्हिदिल्ल्यो आसतना तांच्या पान्श्यांक धरुन दूद काडटालो. त्या शिया – काळांत हुंदरांनी भोवूच त्रास दिल्ले, तेवूय स्नोबॉलाच्या भागाक आसात म्हणटाले.

स्नोबॉलाच्या हालचालींत खोल – पुराय चवकशी जावची, अशें नापोल्यांवान फर्मायलें. आपल्या सुण्यांच्या सांगातान तो भोंवडेक भायर सल्लो आनी घरभाटाच्या अिमरतींची जतनायेन बारकायेन सामकी पळोवणी केली. हेर मोनजाती ताच्या फाटो फाट मान – दिवपाक म्हूणून थोडें अंतर दवरीत चलताल्यो. थोडयां पावलां कणकणी नारोल्यांव थांबतालो, स्नोबॉलाच्या पावलांची कांय नांव – निशाण मेळटा काय म्हूणून जमीन उस्तून हुंगून पळेतालो, कित्याक तो म्हणटालो कि तसो वास घेतल्या उप्रांत खरेंच ताचीं पावलां थंय लागल्यांत जाल्यार आपल्याक रोखडें कळटा. सगळयां कोन्श्यांनी तो हुंगतालो, कडयांत, गायां गोठयांत, कोंबयांच्या घुडांत, भाजेच्या मळयांत, आनी अश्यो सगळे कडेन स्नोबॉलाच्या पावलांच्यो खुणो ताका दिसूंक लागल्यो. तो आपलें सोंड धर्तरेक तेंकयतालो, साबार फावटीं खोलायेन हुंगतालो, आनी मागीर भंयांकृत – अश्या मोटया ताळचान उदगार काडटालो, 'स्नोबॉल ! तो हांगा आयिल्लो खरो! म्हाका ताचो वास निश्चित येता ! ; आनी 'स्नोबॉल' हें उतर आयकना फुडें सगळीं सुणीं रगत – कंर्जळावन उडोवपो तोर्रीद आवाजान भोंकतालीं आनी आपले कुशीचे दांत विचकित सगळयांक दाखयतालीं.

हें पळोवन मोनजाती बाबडयो थाऱ्या भियेल्यो. तांकां अशें दिसूंक लागलें कि स्नोबॉल म्हळयार आपल्या भोंवतणेच्या वाऱ्यांत सगळोच भरिल्लो आनी सगळे तरेच्या संकटांनी तांकां धमकी दितलो अेके तरेचो दिसनाशिल्लो

दुष्ट परिणाम. सांजेच्या आदेसा बोबाटियान तांकां सगळयांक अेकटांय आपयल्यो, आनी तोंडार हुस्क्याभरीत हावभाव चडोवन तांकां सांगलें कि कितें तरी गंभीर खबर तांकां सांगपाची आसली.

‘ सांगात्यांनो! ’ बोबाटियान म्हळें, सुपुल्ल्यो उडयो मारीत, ‘ खऱ्यांनीच भंयांकुत अशी अेक गजाल होलमून आयल्या. स्नोबॉलान आपुण – आपल्याकूच त्या पिंचफील्डच्या फ्रेडरिका कडेन विकून उडयला, जो फ्रेडरिक आतां लेगित आमचेर घुरी घालपाची तजवीज करता आनी आमचें घरभाट आमचे कडल्यान काडून घेंवून व्हरुंक सोदता ! जेन्ना घुरी सुरु जातली तेन्ना स्नोबॉल ताचो बुध्द – दिवपी कसो वावुरतलो. पुण ताचे परस कितें तरी चड वायट आसा. स्नोबॉलाची बंडाय ताच्या गर्वाक आनी वान्सेक लागून उपजता म्हणपाचें आमकां खरें म्हळयार पयलींच दिशिल्लें. पुण आमी चुकले, सांगात्यांनो. खरें कारण कितें आसा, हें तुमी जाणांत, व्हय ? स्नोबॉल जोन्साच्या भागाक आसलो, ताचो भेदी आसलो सुरवातेक पासून! सगळो वेळ तो जोन्साचो गुपीत दलाल आशिल्लो. हें सगळें सिध्द जालां त्यां दाखल्यां वरवीं जे ताणें फाटीं दवरिल्ले आनी जे निकतेच आमच्या हाताक सांपडल्यात. म्हज्या मना प्रमाणें ह्या दाखल्यांक लागून जायत्या गुपीत गजालींची फोडणिशी मेळटा. सांगात्यांनो, त्या गायां – गोठयाच्या झुजांत आमकां हारोवपाक आनी आमचो विभाड करपा खातीर ताणें कितले प्रयत्न केले – आमच्या बऱ्या नशीबान ते सुफळ जालेनांत म्हणून बरें – आमीं तर आमच्या खाश्या दोळयांनी पळेलां !,

हें आयकून मोनजाती अजापान न्हिन्नल्ले भशेन जाल्यो. स्नोबॉलान गिरगिऱ्या – दांतें मोडून उडयलां म्हणटात ते परस ही करणी तर कितलेशेच–पटीं दुष्ट आसली. हे गजालीची सामको समजणी तांच्या मनांत बरी रीगता म्हळयार तांकां कांय मिनटां लागलीं. तांकां सगळयांक तेन्ना याद जाली वो जाल्या-शी दिसली कशे तरेन गायां गोठयाच्या झुजांत स्नोबॉल सगळयां फुडें धांवतालो, हें तर ताणीं आपल्या खाश्या दोळयांनी पळेल्लें, कशे परीं ताणें ताकां अेकटांय हाडिल्लीं आनी प्रत्येक फावटीं तांकां धीर दिल्लो, आनी जेन्ना जोन्साच्या आमींतल्या गुळयांचे फार ताच्या फाटीचेर बसून तो घायाळ जाल्लो तरीय तो अेक खिण लेगित थांबलो ना. हें सगळें अशें जाल्यार तो जोन्साच्या भागाक आसा म्हणटात तें कशें जाग्यार पडटालें तें समजूंक पयलीं तांकां भोव कठीन जावंक लागलें. चुकुनूच – असो केन्नाय प्रस्न विचारतलो बोक्षर लेगित गोंदळांत पडलो. तो जमनीर गोठेलो, फुडले पांय पोटा पोंदाक घाले, दोळे धांपले, आनी

माथें खरपीत आपलीं चितनां मांडपाचो प्रयत्न करुं लागलो.

' हांव तें सत्मानीना ,' ताणें म्हळें ' गायां – गोठयाच्या झुजांत स्नो-बॉल तर धीर – धिटायेन झुजलो. हांवें खाश्या म्हज्या दोळयांनीं ताका तर पळेला. रोखडेंच उप्रांत ताका आमीं ' मोनजाती वीर, पयलो वर्ग ' हो बिल्लो फावो केलो ना, व्हय?,

' तीच आमची चूक जाली, सांगात्या. कित्याक तर आतां आमकां कळून आयलां -- आमकां मेळिल्ल्या त्या गुपीत दाखल्यां कागद – पत्रांनी तें सगळें बरयल्लें आसा – कि खरें म्हळयार तो आमचो सत्यानाश करपाचे वाटेक आमकां भूलोवपाचो प्रयत्न करतालो.'

' पुण तो घायाळ जाल्लो ,' बोक्षरान म्हळें , ' रगत व्हांवत धांवतना आमी तर ताका देखला '

' तशेंच वयल्या वयर दाखोवपाचें म्हणपाची वेवस्ता केल्ली तिचोच तो वांटो आशिल्लो? ' बोबाटियान बोब मारून सांगलें. जोन्साचो फार ताचे फाट-कुळे वेल्यान झरकून गेल्लो अितलोच. ताच्याच हातान अशें बरयल्लें आसा तें म्हज्यान तुमकां दाखोंव येतालें, जर तुमकां तें वाचूंक आयिल्लें जाल्यार. असो कट केल्लो कि त्या संकेश्टाच्या खिणा स्नोबॉलान पळून धांवपाची हेरांक खुणा करची आनी झुजा आंगण दुस्मानाक मेकळें सोडचें. आनी तें करपांत ताका चड-शें येस तर मेळ्ळें – ताका तें तशें सामकें मेळपाचें, अशें हांव म्हणीन, सांगात्यांनो, आमचो वीर फुडारी, नापोल्यांव नाशिल्लो जाल्यार. तुमकां उग-डास ना कि ज्या वेळार जोन्स आनी ताचे मनीस आंगणांत भितर सल्ले त्या वेळार स्नोबॉल अवचित फाटीं वळ्ळो आनी पळून गेलो. आनी जायत्या मोन-जातींनी ताचो पाटलाव केलो? आनी तुमकां याद ना, व्हय, कि त्याच वेळार, जेन्ना सगळयाक भिरांत पातळटाली आनी सगळें शेणलें अशें दिसतालें, तेन्ना सांगाती नापोल्यांव ' मनीस – कुळाक मारुन उडयात ' अशी बोब – हुयेल मारून फुडें सल्लो आनी जोन्साच्या पांयांक ताणें घांस माल्लो? खऱ्यांनीच, निश्चित तुमकां हाची याद आसतलीच, व्हय?' बोबाटियान व्हडल्या ताळयान उदगार काडलें, अेके वटेन सावन दुसरे वटेन उडक्यो मारीत, शेंपडी हालयत.

आतां जेन्ना बोबाटियो खरें घडलांच जाल्ले भशेन बारकायेन वर्णन करुन दाखयतालो, मोनजातींक अशें दिसूंक लागलें कि खऱ्यांनीच तांकां तशी

कितें तरी याद आसली. कशेंय आसूं अेका गजालीचो मात तांकां उगडास आसलो. त्या झुजांतल्या संकेश्टाच्या वेळार स्नोबॅाल खरेंच परतल्लो आनी पळून गेल्लो. पुण बोक्षराक हें आयकून अजून अिल्लें खाल्लेले भशेन जातालें.

' सुरवातेक पसून स्नोबॅाल घातमारो आसलो म्हणपाचें सत् मानपाक हांव तरी तयार ना,' ताणें निमाणे कडेन थीरपणीं सांगलें. तेन्नाच्यान फुडें जें ताणें केलां, ही गजाल वेगळी. पुण त्या गायां - गोठयाच्या झुजांत तो बरो सांगाती आसलो, हें हांव तर सत्मानतां.

' आमच्या फुडाऱ्यान, सांगाती नापोल्यांवान निश्चितपणीं सांगलां,' बोबाटियान जाहीर केलें, ल्हवान पुण थीरपणीं उलोवन, ' निश्चितपणीं, सांगात्यांनो – कि स्नोबॅाल सुरवातेक पसून जोन्साचो दलाल आशिल्लो, व्हय, आनी बंडाय येवजुंचे आदीं लेगित जायते पयलीं.

' अशें जाल्यार, ती तर वेगळी गजाल!' बोक्षरान म्हळें. ' जर सांगाती नापोल्यांव तशें सांगता, तर तें सारकें आसूंक जाय!'

' हेंच कि येवजपाचें खरें मन जांवक जाय, सांगात्या!, बोबाटियान बोब मारुन सांगले. पुण अेक मात तेन्ना लक्षांत आयलें कि ताणे आपल्या ल्हान, बिसबिशीत दोळयांनी बोक्षरा कडेन सामकी वायट नश्टी नदर लयली. तो थंयच्यान वचपाक म्हणून वळ्ळो, उप्रांत थांबलो आनी दबाजीक अश्या ताळयान ताणें फुडे म्हळें : ' हया घरभाटांतल्या सगळया मोनजातींनी आपले दोळे सामके उगते दवरचे म्हणपाची हांव तांकां सणसणीत शिटकाकणी दितां. कित्याक हया खिणा आमचे मदीं स्नोबॅालाचे गुपीत दलाल लिपून आसात म्हणपाचें येवजुपाक आमकां कडकडीत कारणां आसात !'

चार दिसां उप्रांत, तिनसनां जातलीं, सगळ्यां मोनजातींनीं आंगणांत अेकटांय येवचें म्हणपाचो नापोल्यांवान हुकूम काडलो. जेन्ना त्यो सगळयो अेकटांय आयल्यो, नापोल्यांव घरभाटांतल्या म्हालघरांतली भायर सल्लो. ताणें दोनूय बिल्ले हडडयाक लायिल्ले (कित्याक हालींच ताणें आपुण आपणाकूच ' मोनजाती वीर, पयलो वर्ग आनी ' मोनजातीं वीर, दुसरो वर्ग' बिल्ले प्रदान केल्ले). ताचें भोंवतणी तागेलीं व्हडलीं णव सुणीं घुंवतालीं आनी घर-घरीत भोंकतालीं, जाका लागून मोनजातींच्या आंगापांगांत शिरशिरो भल्लेलो. जनावरां बाबडीं आप – आपल्या जाग्यार मोन्यांनी भिरांतीन कांपरुन आशिल्लीं.

कितें तरी भयांकृत अशी घडणूक जावपाची आसा अशें तांकां आदीं-फुडेंच कळळां अशें दिसतालें.

आपणाक आयकूंक आयिल्ल्या मुखा वेल्या जनावरांक नापोल्यांवान उबो रावून गंभीरतायन पळोवन घेतलीं. मागीर ताणें बारीक उंच - सुराचो आवाज काडलो. तो आवाज काडीना फुडें, रोखडेंच त्या सुण्यांनी झोंपय घेवन धांव माल्ली, चार दुकरांक कानांक धल्लीं आनी तांकां, दुःखीन आनी भिरांतीन कोंव कोंव करुन बोबा-हुयेली मारीत, नापोल्यांवांच्या पांयां कडेन ओडीत हाडून उडयलीं. त्या दुकरांच्या कानांतल्यान बुळबुळीत रगत व्हांवतालें सुण्यांनी रगत चाखिल्लें आनी कांय खोणां तीं पिशातूर जाल्यांत दिसतालीं. जेन्ना तांतल्या तिगां जाणांनीं बोक्षराचा आंगार येवून ताचेर घुरो घालो,तेन्ना सगळीं भोवूच आजापलीं. तीं येतात तीं बोक्षरान देखलीं आनी ताणें आपली व्हडली लाट फुडें घाली आनी एका सुण्याक मदल्या वाऱ्यारुच धल्लें आनी जमनीर माल्लें. आपली दयामाया करची म्हणपाची मागणी करून सुण्यान किळंव माल्ली. हेर दोगांय सुणीं आपली शेंपडी गांडींत घालून पळून गेलीं. सुण्याक मस्तून मारुन उडोवचें वो ताका सोडचें, हें जाणा जावपाक बोक्षरान नापोल्यांवा कडेन नदर माल्ली. तेन्ना नापोल्यांवाच्या तोंडावेलो हाव-भाव बदल्लो असो दिसूंक लागलो आनी त्या सुण्याक सोडून दी म्हणपाचो ताणें बोक्षराक कडकडीत हुकूम सोडलो. तो हुकूम आयकना फुडें बोक्षरान आपली खोंट उबाल्ली, आनी मार खावन पिसुडिल्ल्यान बोबो-हुयेली मारीत सुण्यान ल्हवान थंयच्यान कूस माल्ली.

रोखडोच सगळो मारामारी-बोवाळ बंद पडलो ते चार दुकर कडकडून पळेताले; तांच्या मुखामळाच्या वळी कणकणीं गुन्यांवांचें शाप उदेल्लें. नापोल्यांवान आतां तांकां आपयले आनी फुडें येवून आपणें केल्ल्या खुनांचें कुमसार करून सांगात म्हणपाचें तांकां सांगलें. ते दुकर म्हळयार तेच ते जाणीं निशेद पर्गटायल्लो जेन्ना नापोल्यांवान आयतारा जातल्यो त्यो सभा रद्द केल्ल्यो. आनीक तांकां फूडें कांयच सांगनासतना, ते आपशींच कुमसार (कबूल) जाले कि स्नोबॉलाक धांवडावन घाल्ल्याक ते ताचे भेदी आसले, गुपीतपणीं ताचें लागीं संपर्क सादताले, गिरगिऱ्या-दांतें मोडून उडोवपाक ते ताच्या भागाक आसले, आनी मोनजाती -घरभाट फ्रेडरिक-बाबाक दिवून उडोवपाक ताणीं ताच्या लागीं कबलात केल्ली. ताणीं फुडें सांगलें कि स्नोबॉलान तांकां खाजगी रीतीन सांगिल्लें कि फाटलीं कितलींशींच वर्सां आपुण जोन्साचो गुपीत दलाल आशिल्लो. जेन्ना ताणीं आपलें कूमसार सोंपयलें तेन्ना सुण्यानी तांच्या आंगार पडून ताची

गोमटी चरचरीत पिंजून उडयली. आनी तेन्ना भंयांकृत आवाजान आनीक हेर खंयचीय मोनजात कितेंय कुमसार करुंक सोदता काय म्हणपाचें नापोल्यांवान फुडें नेटांन विचाल्लें.

तांतयांक लागून बंडाय करुंक सोदताल्यो त्या कोंबयांचे फुडारी त्यो तीन कोंबयो आतां फुडें आयल्यो आनी ताणीं सांगलें कि स्नोबॉल तांकां सपनांत दिश्टी पडलो आनी नापोल्यांवान दिल्ले हुकुम मोडात म्हणून ताणें तांकां उस्कायल्यो. तांकांय चरचरीत गोमटी मारुन उडयल्यो. उप्रांत अेक बतक फुडें आयलें आनी कुमसार जालें कि गेल्या वर्साचे लुवणे वेळार आपणें स धान्या-गोठे कुशीक काडून दवरुन ते रातचे खावन उडयल्ले. मागीर अेका मेंड्या-शेळीयेन कुमसार केलें कि आपुण पिवपा-उदकाच्या वोंडयांत मुतल्यां. तशें करपाक आपणाक स्नोबॉलान बळयां लायलां, तीं म्हणटाली. आनीक दोगां शेळियांनी कुमसार केलें कि आपणें अेका म्हातान्या मेंड्याक जितोच मारुन उडयला. तो खंय नापोल्यांवांचो खासा पाटलावदार आशिल्लो. जेन्ना ताका खरखस खोंकली मारताली तेन्ना अेका उज्या आगटया भोंवतणीं ताका भौन भौन धांवपाक लावन ताचे फाटीक लागून खर्शेवन ताका मारुन उडयल्लो खंय. तांकां सगळ्यांक त्याच वेळार आक्ताक मारुन उडयल्यो. आनी अश्यो कुमसारांच्यो आनी घोळार मारपाच्यो गजाली चालूच रावल्यो. नापोल्यां-वाच्या पांयां कडेन मडयांच्यो राशी पडिल्ल्यो आनी रगताच्या वासान सगळी हवा भरुन आयिल्ली. जोन्साक धांवडायल्ल्याक अशें केन्नाच जावंक नाशिल्लें.

जेन्ना हें सगळें सोंपून आयलें, उरिल्ल्यो मोनजाती, दुकरां आनी सुणीं सोडून, अेका जम्यान थयच्यान कडसरुन गेल्यो. त्यो भोवूच दुखेस्त जाल्ल्यो आनी निर्शेल्ल्यो स्नोबॉलाकडेन भेदी आशिल्ल्या मोनजातींचें घातकेपण वो ताणीं निकतीच पळेल्ली क्रूर ख्यास्त, हांचे भितल्लें चड मारेकार धक्को-बसपाचें खंयचें आसलें, हेंच तांका कळनासलें. आदल्या दिसांनी रगत-बोंबा-ळांचे अितलेच भयांकृत देखावे जाताले, पुण तांकां अशें दिसतालें कि आतां ते तांच्या मदीं जाल्ल्यान चड भंयांकृत वायट गजाल जाल्ली. ह्या घरभाटांतल्यान जोन्स भायर सरुन गेल्ल्याक आतां मेरेन, खयच्याच मोनजातीन हेर मोनजातीक मारुन उडोवंक ना. अेका हुदराक लेगित मारुन उडोवंक ना. त्यो सगळयो आपली वाट काडीत चलत गेल्यो. अर्दें-बांदिल्लें गिरगिन्या-दांतें जंय उबें आशिल्लें थंयचे दोंगुल्लेचेर तीं जनावरां गेलीं आनी अेकाच कबूल केल्ल्या मनान-अशीं सगळीं गोठेलीं; अेकामेकाचे उबेक बशिल्लें भशेन अेकामेकाचे

कुशीक अेकटांय बसलीं. क्लोवर, मुरियेल, बेन्जामीन, गायो, मेंडरे-शेळियो आनी बतकांचो आनी कोंबयांचो सगळो हिंड – सगळींच म्हळचार जाता, भायरावन तें माजर जें अवचित नांच जाल्लें नापोल्यांवान सगळ्या जनावरांक अेकटांय येवचीं म्हणपाची फर्मावणी काडचे आदीं अेक खिण-भर. कांय वेळ कोणेच मिटी फोडली ना. फकत बोक्षर उबो राविल्लो. तो असो-तसो खांकुडटालो, आपली लांबदीक शेंपडी हेवटेन-तेवटेन कुशींचेर उडयतालो आनी मर्दीं-मर्दींच अजाप जाल्ले भशेन कितें तरी गुणगुणटालो. निमाणकडेन ताणे म्हळें :

'म्हाका हें कांयच समजना. आमच्या ह्या घरभाटांत असल्यो गजाली जायत म्हणून हांवें केन्नाच येवजीलें ना. आमच्यांत कितें तरी चूक आसा देखून हें जाता जातलें. हाचे वयर म्हाका जाल्यार अेकूच उपाय दिसता आनी तो म्हळचार चड थकस-कश्ट घेवन काम करप. आयच्यान ह्या फुडें सकाळचो हांव अेक वर-भर आदीं उठ्ठलों.'

आनी अशें सांगून तो आपले लखत वेतले चालीन थंयच्यान कडसल्लो आनीं फातरां खणी वाटेन गेलो अेकदां थंय पावल्या उप्रांत, ताणे अेकामेकार दोन फातरां राशी उबाल्ल्यो आनी रातचो न्हिदूंक वच्चे पयलीं त्यो राशी गिरगिन्या-दांत्या मेरेन ओडीत हाडून पावयल्यो.

क्लोवरी भोंवतणी, जाप काडिनासतना, जनावरां पुंजायिल्लीं आसलीं. जे दोंगुल्लेचेर तीं गोठेल्लीं थंय सावन आयस-पयसुल्ल्यां शेतां-मळांचेर तांची लांब-रुंद नदर पडटाली. चड-शें मोनजाती-घरभाट तांचे नदरेक पडटालें-लांबदीक चरवा-मळ मुखेल रस्त्या मेरेन पातळिल्लें, पांचवें तणामळ, सूत-कांतपाचें यंत्र माक्न, पिवपा- उदकाचो वोंडो, खणिल्लीं शेंतां जंय तन्नो गंव दाटो-मोटो आनी पांचवोचार रसरशीत जाल्लो, आनी घर-भाटाच्या अिमारतींचीं तांबडीं कट्टीं जांच्या फुनेलांतल्यान धुंवर भायर सरतालो. वसंत-रुतुच्या नितळ-निवळ सांजवेळचो वेळ आशिल्लो. पांचव्या तणाचेर आनी फुलून-फुट्टल्या वाडटया वंयांचेर सुर्याच्या सपाट किर्णांनी भांगरा शिवर मारिल्लो. ह्या आदीं केन्नाच हें घरभाट मोनजातींक अितलें मोगाचें, आशेल्लें दिसूंक नाशिल्लें. अजापुच जाल्लें भशेन तांकां याद जाली कि तें तांचेंच घरभाट, अेक अेक अींच तांच्याच धनीपणाचें आसलें. जशें क्लोवरीन दोंगरां साकून सकला पळेलें तशे तिचे दोळे दुकांनी भरुन आयले.

तिणे जर आपलीं चिंतनां उचारुन सांगिल्लीं, तर ताणीं हे भशेन निखालूस मोख धरुंक नाशिल्ली जेन्ना मनीसकुळाक निखळावन उडोवपा खातीर ताणीं कांय वर्सां फाटीं फुडें येवून आपल्या आंगार घेतिल्लें, हें ती सांगतली आशिल्ली. हे भिरांकूळ आनी कत्तलखान्याचे देखावे तर ताणीं येवजूंक नाशिल्ले हे ते राती जेन्ना जाण्टया व्हडल्यान बंडाय करपा खातीर पयलेच फावटीक तांकां उस्कायल्ले. जर तिच्या मनांत फुडाराचें कितें तरी चित्र तयार जाल्लें, तें म्हळचार अेका मोनजातींच्या समाजाचें, जो समाज भुके आनी चाबका मेकळो आसतलो आसलो, सगळचां अेकसारक्यां जाणांचो, जण अेकलें आप-आपले तांकी प्रमाणे वावरिल्लें, घटमूठ-बळीश्ट अशक्ताक-दुर्बळाक राखपी, जशें तिणे आपल्या फुडल्या पायांच्या आदारान, त्या व्हडल्याचें भाशण जाल्ले राती, त्या निमाण्या येतल्या बतकाच्या पोरांक सांबाळून राखून घेतिल्लीं. हें जावचे सुवातेर – कित्याक काय तें जाता हें तिका समजनाशिल्लें तीं अश्या वेळार पाविल्लीं जेन्ना कोणूच आपलें मन उग्तें करुन सांगूंक धाडजनाशिल्लो, जेन्ना उज्या-रागीश्ट, घरघरावपी सुणीं सगळे कडेन हेडटालीं आनी जेन्ना धक्को-दिवपी जिवमारें खून केल्यात म्हणपाचें कुमसार (कबुल) केल्या उप्रांत तुज्या सांगात्यांक वादऱ्यो करुन पिस्डून उडयल्ले तुवें पळेंवचे पडटालें. बंडायेचो वा दिल्ल्या हुकुमाक पाळो दिनासतना रावपाचो तिच्या मनांत केन्नाच विचार आयलो ना. तिका खबर आशिल्ली कि आतां आसा ते परिस्थितींत लेगित, तीं जोन्साच्या वेळार आशिल्लीं ताचे परस आतां जायतीं बरीं आसलीं, सगळचां परस गरजेचें म्हळचार मनश्यांक परतीं येनां तशीं आडावपाची चड गरज आशिल्ली. कितेंय जालें जाल्यार आपूण तर विस्वाशी रावतली आशिल्ली, कश्ट करुन वावर करतली आसली, आपल्याक दिल्ले हुकूम पाळटली आसली, आनी नापोल्यांवांचें फुडारीपण मान्य करतली आसली. पुण तरी आसतना, सगळी आस्त जी तिणें आनी मोनजातींनीं बाळगिल्ली आनी तिचे खातीर ताणीं कश्ट काडिल्ले, ते असल्या कारभारा खातीर म्हणून ताणीं करूंक ना. तें गिरगिऱ्या-दांतें ताणीं हे खातीर बांदूंक ना आनी हें मेळचे पासत जोन्साच्यो आर्मां-गुळयो खांवक नांत. हीं तिचीं चिंतनां आसलीं जरी तीं उचारपाक तिका फावो तीं उतरां मेळळीनांत.

निमाणेकडेन, तिचे लागीं उचारुंक जायनाशिल्ल्या उतरांचे बदलीक म्हणून येवजून, 'अिंग्लंडची मोनजात' हें पद ती गावूंक लागली. तिचे भोंवतणीं बशिल्ल्या मोनजातींनींय तें गावपाक सुरू केलें. ताणीं तें अेकामेकार तीन

फावटीं गायलें - बरें करून तालार, आनी ल्हव-ल्हवान आनी दुखेस्तपणीं; ह्या आदीं केन्नाच गावंक नाशिल्लें तसल्या ताळयान आनी मानान ताणीं तें गायलें.

तें पद तिसरे फावटीं ताणीं गावन सोंपयल्लें जेन्ना बोबाटियो, बांगडा दोगां सुण्यांक घेवून, तांच्या म्हऱ्यांत आयलो, तांकां कितें तरी म्हत्वाचें सांगूंक आयिल्ले भशेन. ताणें जाहीर केलें कि सांगाती नापोल्यांवाच्या खाश्या फर्मावणेन 'अिंग्लंडची मोनजात' हें पद रद्द करपांत आयिल्लें. आयच्यान ह्या फुडें तें गावपाचेर बंदी घाल्ली.

मोनजाती हें आयकून थक्क जाल्यो.
'कित्याक गा सायबा ?' मुरियेलान धिरान प्रस्न शेवटिलो.

'ताची आतां गरज उल्ली ना, सांगात्या' बोबाटियान कडक उतरांनीं सांगलें. "अिंग्लंडची मोनजात" हें बंडायेचें पद आशिल्लें- पुण बंडाय आतां तर पुराय जाल्ली आसा. आयज दनपरां घातमाऱ्यांक ख्यास्त लाबून जिते मारून उडयल्यात तो म्हळचार हे बंडायेचो निमाणो आक्त (पावल). भायल्या तशे भितल्ल्या दुस्मानांक आता हारोवन-विभाडून उडयल्यात. फुडाराक येतल्यां दिसांक आमकां हाचे परस बरो समाज फावो जांवचो हे आमचे आंवडे आमीं 'अिंग्लंडची मोनजात' ह्या पदांत पर्गटायल्ले. पुण तो समाज आतां स्थापून जालो. देखून सारकें पळेल्यार ह्या पदाक आतां कसलोच हेतू उल्लो ना.'

जरी जनावरां भियेवन कांपरेल्लीं, तांतलीं कांय जाणां घडये निशेद पर्गटायतलीं आशिल्लीं, पुण ह्या खिणा मेंडऱ्यांनी आपणाचें सदांचें रडणें-वाजंतरें सुरू केलें - "चार पांय बरे, दोन पांय वायट," जें पेपारें साबार मिनिट चल्लें आनी ताणें भासाभास विस्कटून बंद करून उडयली.

अशें 'अिंग्लंडची मोनजात' हें पद आनीक आयकूंक आयलें ना. त्या जाग्यार मिनिमस, ह्या दुकर-कवीन आनीक अेक पद घडून हाडिल्लें जें अशें सुरू जातालें :

मोनजाती घरभाटा, मोनजाती घरभाटा,

म्हज्या वरवीं तुं केन्ना येवचें ना वायटा!"

आनी हें पद दर-अेका आयतारा सकाळीं बावटो वयर चडयल्या उप्रांत मोनजाती गायताल्यो. पुण, तरीय आसतना, कशेंय आसूं, ताजो ताल तशी ल्हय न्हय म्हण उतरां 'अिंग्लंडची मोनजात' ह्या पदाक आशिल्ल्या येदचा उंच पांवडया लागीं पावता अशें मोनजातींक केन्नाच दिसलें ना.

आवेस्वर-८

थोडयां दिसां उप्रांत, जेन्ना मोनजातींक जिवानशीं मारून उडयल्यात म्हणून निर्माण जाल्ली आकांताची भिरांत उणी जावन नपय-तशी जाल्ली तेन्ना कांय मोनजातींक याद जाली वो याद जाली-शीं दिसली--कि तांचो सवो उपदेस अशें फर्मायतालो : " खंयच्याच मोनजातीन हेरा खंयच्याच मोनजातीक मारुन उडोंवक जायना ". आनी जरी कोणेंच दुकरांच्या वो सुण्यांच्या कानार पडपा सारकें तें म्हणूंक ना तरी अशें सगळयांक दिसलें कि निकतींच जींमर्णा करून उडयल्लीं तीं तर हृया उपदेसाक धरून नाशिल्लीं. क्लोवरीन बेन्जामीना लागीं मागलें कि ताणें तो सवो उपदेस आपल्याक वाचून दाखोंवचो. आनी जेन्ना बेन्जामीन, सदां भशेन, म्हणूं लागलो कि आपूण हृया असल्या गजालींनीं भानगडींनी पडना, तेन्ना तिणें मुरियेलाक आपोवन हाडली. मुरियेलान तो सवो उपदेस तिका वाचून दाखयलो. तो असो आशिल्लो : ' खंयच्याच मोनजातीन हेरा खंयच्याच मोनजातीक मारुन उडोंवची न्हय कारण नासतना.' कशींय तरी तीं निमाणीं दोन उतरां त्यां मोनजातींच्या उगडासांतल्यान घडये भायर पडिल्लीं. पुण आतां तांकां दिसुन आयलें कि तो उपदेस खरें म्हळयार मोडूंक नाशिल्लो, कित्याक स्नोबॉला लागीं कट करुन राविल्ल्या घातमाऱ्यांक मारुन उडोवपाक बरें कारण तर निश्चित आशिल्लें.

तें वरसूय-भर मोनजाती आदल्या वर्सा केल्ल्या वावरा परस लेगित चड कश्टांचो वावर करीत रावल्यो. गिरगिऱ्य-दांतें परतें बांदून हाडपाचें म्हळयार, आदल्या परस दोन-पटीं दाटायेच्यो वण्टी उबारप, आनी तो सगळो वावर थारायल्ल्या वेळार सोंपोवन हाडप, त्या भायर घरभाटातलो सदांचो

वावर करप म्हळचार मोटचा कश्टांचें काम आशिल्लें. केन्ना-केन्नाय असो वेळ येतालो जेन्ना मोनजातींक दिसतालें कि त्यो आदले परस चड वरां काम करतात आनी जोन्साच्या काळार तांकां जेवण-खाण मेळटालें ताचे परस बरें तर आतां मेळनाशिल्लें. आयताराच्या सकाळीं बोबाटियो आपल्या दावकुलान कागदाचो लांबदीक कुडको धरून, तांतल्यान आंखडयांच्यो वळेरी वाचतालो, जांचे प्रमाणे अशें सिद्ध जाल्लें कि जेवणा-खाणाच्या जिनसां जातीं प्रमाणे, तांचें उत्पन्न २०० टक्के, ३०० टक्के, वो ५०० टक्के अितलें वडून आयिल्लें. ताणें दिल्ली आंखडेवारी माहिती सारकी ना म्हणपाक मोनजातीं लागीं मुद्दे, कारणां नाशिल्लीं, चड करुन बंडाय जावचे आदी कितें कात परिस्थिती आशिल्ली हाची तांकां बरी याद जायनाशिल्ली. कशेंय आसू, अशेय दिस केन्ना येताले जेन्ना तांकां दिसतालें कि आंखडयांच्यो वळेरी थोडयो जाल्ल्यो जाल्यार आनी जेवण-खाण चड मेळिल्लें जाल्यार चड बरें जातलें आशिल्लें.

आतां सगळयो फर्मावण्यो बोबाटिया मार्फत वो दूकरां मदल्या अेकल्या कडल्यान जाहीर जावन भायर सरताल्यो. नापोल्यांव तर पद्रशेंत अेक फावट अितलो लेगित भोवसा मुखार दिसनाशिल्लो. तो जेन्ना दिसतालो, तेन्ना ताच्या वांगडा तागेलीं सुणींच न्हय तर काळो कोंबलो लेगित आसतालो. तो कोंबलो ताच्या मुखार चलतालो आनी कोर्नेत वाजयल्ल्या भशेन वागतालो, नापोल्यांव उलोंवचे आदीं व्हडल्या ताळयान "कोकोस कोस" म्हणून साद घालतालो. घरभाटाच्या म्हालघरांत लेगित, अशें सांगताले, कि नापोल्यांव हेरां पसून वेगळचा आशिल्ल्या कुडींत जियेतालो. तो आपलें जेवण अेकलो-अेकसुरोच जेवतालो, ताच्यो गरजो पळोवपाक दोंगां सुणीं आसलीं, आनी म्हालघराच्या सालांतल्या (वसऱ्यांतल्या) कांचेच्या आल्मारीत मेळिल्ल्या क्रौन डेर्बी जेवणा-बश्श्यांनी जेवण घेवन तो सदांच जेवतालो. त्या आर्म-बन्दूकांतल्यान दर वर्सा नापोल्यांवाच्या जाल्ल्या-दिसाक फार सोडटले आसले आनी तशेंच त्या आदीं सांगिल्ल्या दोन वर्धापन दिसांक करतले आसले.

नापोल्यांवाक आतां फकत 'नापोल्यांव' हचा साद्या नांवान उल्लेख करीनाशिल्ले. ताका आतां उपचारीक शैलीन म्हणून 'आमचो फुडारी, सांगाती नापोल्यांव' असो उल्लेखताले. आनी ताचे. खातीर म्हणून साबार नांवां वो बिरूदां घडोवन हाडूंक दुकरांक भोव बरें दिसतालें. तीं बिरुदां अश्या सारकेली आसली : सगळ्या मोनजातींचो बापाय, मनीसकुळांत भिरांत-

घालपी, मेंडऱ्यां-हिंडाचो राखणदार, बतकांचो ओश्ट, आनी हाचे सारकीं. आपल्या भाशणांनी, दोळ्यां पोल्यां वेल्यान दुकां गळयत, नापोल्यांव कितलो शाणो-बुदवंत, ताचें काळीज कितलें गोड बरें, आनी सगळेकडच्या मोनजातींचो ताका आशिल्लो कितलो खोल मोग, चड करुन हेरां घरभाटांनी अजून अजाणपणांत आनी बंदेपणांत जियेतल्या दुःखी मोनजातीं सवें लेगित ताचो मोग, हे विशीं बोबाटियो ल्हाय-लोसणी म्होंवाळ उतरांनीं उलयतालो. कसलेंय येस मेळ्ळें जाल्यार वो कितेंय बरें सार्थ जालें जाल्यार, वो भाग्याचें कितेंय सादलें जाल्यार, ताचें श्रेय नापोल्यांवाक दिवपाची आतां तर मानून आयिल्ली चाल जाल्ली. जायते फावटीं अेके कोंबयेन दुसरे कोंबयेक सांगिल्लें आयकूं येतालें : 'आमगेल्या फुडारी नापोल्यांवाच्या मार्गदर्शना खाल हांवें स दिसांनी पांच तांतयां घालीं; वो दोन गायो. उदका-वोंडयाकडेन उदक पियेत मौज मारतना अशे उद्गार काडटाल्यो, 'सांगाती नापोल्यांवाच्या फुडारी-पणाक लागून हें उदक पियेवंक कितलें सुवादीक बरें लागता !' घरभाटांत वसतली सर्वसाधारण सगळ्याक पातळिल्ली अशी भावना मिनिमसान घडोवन हाडिल्ले अेके कवितेंत बेस-बरी मांडिल्ली. तिचें नांव 'सांगाती नापोल्यांव' आसलें आनी तिचीं उतरां अशीं :

बापाय-नाशिल्ल्यांचो ओश्ट !
सुखाची गा झर तो !
धोणा धनी ! हा ! आत्मो म्हजो
पेट्टा उज्यान, जेन्ना तुज्या
शांत दमाळ पळेतां दोळ्यांत,
मळबार आसतो सूर्य कसो,
सांगाती आमचो नापोल्यांव गा !

तूं गा आमकां सगळें दिवपी
तुज्या ह्या प्राण्यांक आवडटा तें,
दिसाक दोनदां पोट-भर खाण,
नितळ सुकें-तण लोळपाक गा,
दर-अेक मोनजात, ल्हान वो व्हड जांव,
न्हिदता सवकास आपल्या गोठ्यांत,
सगळ्यांचेर गा तुजो दोळो,
सांगाती आमचो नापोल्यांव गा !

म्हाका जर दूद-पिवपी पेटो आसतो
तो वाडून व्हडलो जावचे पयलीं,
ल्हान बाटली येदो वो लाटणी येदो,
शिकूंक जाय गा ताणे बरे भशेन,
जांवक तुका विस्वाशी गा खरो,
व्हय, ताची पयली बोबाट-किळंच
जांवंक जाय गा 'सांगाती नापोल्यांव ! '

नापोल्यांवान हे कवितेक आपली मान्यताय दिली आनी व्हडल्या कडयाच्या वंण्टीचेर ती निवळ अक्षरान बरोंवक लायली, सात उपदेस बरयल्ले ताच्या सामखारच्या तोंकाक. ताचे वयर नापोल्यांवाचें चित्र चडयल्लें, आडवे वटेन पळेतना, जें बोबाटियान धव्या रंगान चितारिल्लें.

अितले म्हणसर, व्हिपराच्या दलाली वरवीं फ्रेडरिक आनी पिलकिंगटन, हांचे लागीं नापोल्यांव बुस्पागोंदळाच्या वाटाघाटींनी गुल्ल आशिल्लो. लांकडाचो दाळ अजून विकूंक नासतना उरिल्लो. तांच्या दोगां भितल्लो फ्रेडरिक तो दाळ व्हरूंक चड आशेल्लो, पुण तो फावता तसली रीतसर कीमत दिवपाक फुडें सरनाशिल्लो. त्याच वेळार अश्योय खबरो नव्यान पातळिल्ल्यो कि फ्रेडरिक आनी ताचे मानाय मोनजाती घरभाटाचेर घुरी घालपाचो आनी तें गिरगिऱ्या दांतें विभाडून उडोवपाचो कट करताले. तें दांतें बांदतात म्हणून आदींच तर फ्रेडरिकाक उचंबळायेची नसाय जाल्ली. स्नोबॉल तर पिंचफील्ड घरभाटांत अजून लिपून आसा म्हणून खबर आसली. गिमाळयाच्या मदल्या-अश्या काळार तीन कोंबयो फुडें आयिल्ल्यो आनी कुमसार जाल्ल्यो कि स्नोबॉलाची स्फूर्त घेवन नापोल्यांवाचो खून करपा खातीर ताणी खंय कट केल्लो. ही खबर आयकून मोनजातींक मोटो धक्को बसलो. त्या कोंबयांक रोखडयोच चरचरीत मारून उडयल्यो, आनी नापोल्यांवाचो सांबाळ करचे खातीर नवे कडक उपाय घेतले. चार सुणीं रातचीं ताची न्हिदपाची राज्ज राखतालीं, अेक-अेका कोनश्याक अेक सुणें. नापोल्यांवांक दिवपाचें आसलें तें सगळें जेवण-खाण, तांतूंत वीख बी घाल्लें आसत म्हणपाची काळजी घेवचे खातीर, तो खावचे आदीं तें चाखून पळोवपाचें काम पिंकी नांवाच्या अेका तन्न्या सालग-डुकराक दिल्लें.

ह्याच सुमाराक, अशी खबर भायर सोडिल्ली कि नापोल्यांवान तो

लांकडांचो दाळ पिलकिंगटन–बाबाक विकून दिवपाची वेवस्ता केल्ली; तेच भशेन मोनजाती घरभाट आनी फोक्षवूड घरभाटा मदीं जंय–थंय उत्पन्न जातल्यो अश्यो कांय वस्तू दिवप–घेवप नेमान करपा खातीर अेक कबलात तो घडोवन हाडूंक सोदतालो. नापोल्यांवा आनी पिलकिंगटना मदले संबंद, जरी ते फकत व्हिंपराच्या मार्फतीन चलताले, तरी आतां अिश्टागतीचे आसले म्हळचार जाता मनीस. हचा नात्यान, मोनजाती पिलकिंगटनाक पातयेनासल्यो, पुण फ्रेडरिका परस तो जायतो बरो आसा म्हणपाचें त्यो मानताल्यो. फ्रेडरिकाची नांकां भिरांत दिसताली तसो ताचो क्रोधूय आसलो. जसो गिमाळो फुडें वचत रावलो आनी गिरगिऱ्या दांतें बांदून सोंपत आयलें, तशें फुडें घडये रोखडी घातक्यांची घुरी पडत म्हणपाच्यो खबरो चड आनी चड खऱ्यो दिसपा सारक्यो आयकूंक येताल्यो. अशें म्हणटाले कि तांचे आड आर्मा–बंदुकां घेवन आयिल्ले वीस–अेक मनीस आपल्या भागाक घेवून फ्रेडरिक येवूंक सोदतालो. ताणें खंय जुविजांक (न्यायधीश) आनीं पुलिसेक लंच दिवन दवरिल्ले कि जेन्ना मोन–जाती घरभाटाचीं धनीपणाचीं कागदां अेकदां ताणें आपल्या ताब्यांत घेतलीं त्या उप्रांत ते आनीक कसलेच प्रस्न विचारचे नासले. त्या भायर, फ्रेडरिक आपल्या घरभाटांतल्या मोनजातींचेर भंयांकृत क्रूर करण्यो करता म्हणपाच्यो भिरांकूळ खबरो पिंचफील्ड घरभाटांतल्यान भायर पावताल्यो. ताणें खंय अेका म्हाताऱ्या घोडयाक शेलपावन–चाबकावन धाडाय–बडोवन जिवेशीं मारून उडयल्लो, आपल्या गायांक तो उपाशीं दवरतालो, ताणें जळटचा उज्याच्या खोनींत उडोवन अेका सुण्याक जितें मारिल्लें, तो खंय कोंब्यांच्या दोंकल्यांक खाडा–ब्लेडिचे कुडके लावन झगडीं मांडपाक लायतालो आनी तीं पळेवन आपलो सांजवेळ मौजेन सारतालो. आपल्या सांगात्यांचेर असल्यो क्रूरतायो जाल्ल्यो आयकून मोनजातींचें रगत रागान सळसळटालें, आनी केन्ना–केन्नाय तीं बोबाळ करून मागतालीं कि अेका बराबर जम्यान तांकां वचूंक दिवचीं आनी पिंचफील्ड घरभाटाचेर ताणीं झोंपय घालची, थंयच्यां मनश्यांक ताणीं धांवडावन धरचीं आनी तांतल्या मोनजातींक सुटका दिवची. पुण बोबाटियान तांकां बुद्द दिली कि ताणीं तसले उर्मट उपाय घेवचे न्हय पुण सांगाती नापोल्यांवाचे मांडणेंचेर–हिकमतीचेर विस्वास दवरचो.

तरी आसतना, फ्रेडरिका आड सगळयांची भावना तिडकीन उसळटाली. अेका आयतारा सकाळीं नापोल्यांव कडयांत आयलो आनी फोडणिशी करूं लागलो कि तो लांकडाचो दाळ फ्रेडरिकाक विकपाचो

म्हळचार आपणाचो केन्नाच बेत नाशिल्लो; ते तरेच्या दुश्ट नागोवण्या कडेन वेव्हार करपाचो म्हळचार आपूण आपणाल्या भौमाना खाला समजतां. बंडयेची खबर सगळ्याक पातळावपाक म्हणून ज्या कवडयांक अजून भायर धाडटाले, तांकां फोक्षवूड घरभाटांतल्या खंयच्याच जाग्यार पांय दवरपाचे मना केल्ले, तांचो आदलो नारो 'मनीसकुळाक मारुन उडयात' तांणीं सोडून दिवचो आनी 'फ्रेडरिकाक मारुन उडयात' हो धरचो म्हणून तांकां हुकूम दिल्लो. गिमाळ्याच्या शेवटा दिसांनीं स्नोबॉलाचें आनीक अेक कार-स्थान उक्ताडा आयलें. गंवांच्या शेतांत भरभरीत नेर किल्लून आयिल्लो, आनी अशें होलमून आयलें कि रातयांत दितले आपले अेके भेटेत स्नोबॉलान भाताच्या बियां मदीं नेराचीं बियां भरशिल्लीं. ताणें केल्ली ही करणी अेका बतकान खंय पळेल्ली आनी तें तांतूंत भेदी आशिल्ल्यान, ताणें आपलो गुन्यांव बोबटियाक सांगून मानून घेनिल्लो आनी रोखडेंच मागीर रातचीं विखाळ जातीचीं चारां – चुन्नां गिळून आत्महत्या करुन घेतिल्ली. स्नोबॉलाक 'मोनजाती वीर, पयलो वर्ग', हो मानाचो बिल्लो केन्नाच फावो जावंक नाशिल्लो, जशीं जायतीं जनावरां तो मेरेन सत्मानून आयिल्लीं, हेंय मोन-जातींक आतां कळून आयलें. ही खंय फकत अेक कल्पनीक काणी आशिल्ली जी गायां-गोठ्यांतल्या झुजा उप्रांत खाश्या स्नोबॉलानूच पसरायल्ली. देखून, ताका भोवमानाची पदवी दिवची सोडचे सोडून, झुजांत कूस माल्ली म्हणून ताका दूशण दिपांत आयिल्लें. आनीक अेक फावट अजाप जावन, गोंदळांत पडून कांय मोनजातींनीं हें आयकून घेतलें, पुण बोबाटियान तांकां रोखडें पटोवन दिलें कि तांकां बरोऽऽ उगडास जावंक नाशिल्लो.

ऑटम रुतूंत, आकांताचे, थकून पडपाचे कश्ट करुन – कित्याक लुवणेंचो धान्या – गोठो त्याच सुमाराक अेकटांय करुन घेवपाचो आसलो – गिरगिन्या – दांत्याचो वावर सोंपून आयिल्लो. यंत्रावळ तर अजून बसोवपाची आसली आनी ती विकती घेवून हाडपा विशीं व्हिपरें उलोवणीं करतालो. पुण दांत्याची बांदावळ पूर्ण जाल्ली. सगळ्यो अडचणी आडखळी आसुनूय, तांकां ह्या कामांत अणभव नाशिल्ल्यान लेगित, तांचीं आयीट्टां आदलीं – पोन्नीं आसतना पसून, तांकां बरें नशीब नाशिल्लें सुद्दां, आनी स्नोबॉलान घातकेपणां केल्लीं आसतनाय, तांचो वावर सामको थारायल्ल्या उपक्रमा प्रमाणें वेळार सोंपोवन हाडिल्लो! तीं थकून पडिल्लीं खरीं पूण अभिमानान फुलून आयिल्लीं. जनावरां आपणें केल्ल्या म्हान वावरा भोंवतणीं भौन भौन घुंवतालीं. तीं

बावर तांच्या दोळयांक आतां चडूच सोबीत दिसतालो, पयले फावट बांदिल्लें दांतें ताच्या परस सोबीत. खरें म्हळयार, ह्या गिरगिन्या दांत्याच्यो वण्टी आदल्या परस दुपेट दाटायेच्यो आशिल्ल्यो. हे फावटीक त्यो मोडून उडयतलो जाल्यार सुरींगां शिवाय आनीक कित्यानूच जावपाचें नाशिल्लें! आनी अितलो कश्टांचो बावर ताणी केल्लो ताचेर जेन्ना ताणीं नियाळ केलो, कितल्या निर्शेणी ताणीं कुशीक सारुंक ना, जेन्ना गिरगिन्या दांत्याचीं शीडां घुंवतलीं आसलीं आनी त्या बळार माकनां-यंत्रां चलूंक लागतलीं आसलीं तेन्ना तांच्या जिवितांत केदो व्हड फरक पडटलो आसलो – जेन्ना ताणीं हाचेर सगळयाचेर नियाळ केलो, तीं थकल्यांत म्हणपाचें लेगित विसल्लीं, आनी तीं दांत्या भोंवतणी खेळत-धांवत राबलीं, जैताच्यो हुयेली शिळोणीं घालीत. आपल्या सुण्यांच्या आनी कोंबल्याच्या सांगातान खाश्या नापोल्यांव तो बावर संपूर्ण जाल्लो तो पळोवन घेवपाक म्हूण सकला आयलो; मोनजातींनी येदें व्हडलें काम सार्थ केलें म्हणपाचीं ताणे तांकां खाश्या परबीं दिलीं, आनी त्या दांत्याक 'नापोल्यांव दांतें गिरणे हे नांव दितले म्हणून ताणें जाहीर केलें.

दोन दिसां उप्रांत कडयांत भरुन येनले अेके खास सभेंत मोनजातींनी अेकटांय येवचें म्हणपाचें तांकां आपोवणें धाडिल्लें. तीं अजापान धक्को बसून मोनीं जालीं जेन्ना नापोल्यांवान जाहीर केलें कि आपणें त्या लांकडाचो दाळ फ्रेडरिकाक विकून उडयल्लो. फाल्यां फ्रेडरिकाचे गाडे येतले आसले आनी तें लांकूड व्हांवोवपाक सुरु करतले आसले. वयल्या-वयर पिल्किंगटना कडेन अिश्टागतीन चलतल्या अश्या सगळ्या काळांत नापोल्यांव खरें म्हळयार फ्रेडरिका लागीं गुपीतपणीं उलोवणीं कबलात करून आशिल्लो.

आतां फोक्सवूडा कडेन सगळे संबंद तोडून उडयल्ले; पिल्किंगटनाक अपमान करुन सांगपी निरोप धाडिल्ले. कवडयांक सांगिल्लें कि ताणीं पिंच-फील्ड घरभाटांत वचें न्हय आनी तांचो आदलो नारो 'फ्रेडरिकाक मारुन उडयात' म्हणपाचो बदलून ताणीं तो आतां 'पिल्किंगटनाक मारुन उडयात' असो करचो. त्याच वेळार नापोल्यांवान मोनजातींक खात्री करून दिली कि मोनजाती-घरभाटाचेर घुरी पडपाची आसा म्हणटात त्यो खबरो साप फटी आशिल्ल्यो. आनी आपल्या मोनजातीं सवें केल्ल्या फ्रेडरिकाचे क्रूरतायेच्यो खबरो सामक्यो लटक्यो-फुगयल्ल्यो आसल्यो. ह्यो सगळ्यो चाडयो-खबरो घडये स्नोबॉल आनी ताच्या दलालां कडल्यान उपजल्या जातल्यो. आतां अशें

दिसुन आयलें कि खरें म्हळचार स्नोबॉल पिंचफील्ड घरभाटांत लिपून नाशिल्लोच. खरी गजाल सांगची जाल्यार तो आपल्या आख्ख्या जिवितांत थंय केन्नाच नाशिल्लो; तो खंय फोक्षवूड घरभाटांत मोटे मौजेन चैनीन जियेतालो, अशे म्हणटाले, आनी आतां कितलींशीच वर्सां जालीं तो खरें म्हळचार पिल्किंगटना-कडल्यान पेनशन घेतालो.

नापोल्यांवान आपूण अितलो टोक म्हणून दाखयल्ल्यान दुकरां खोश्येन भुरकुट्टालीं. आपूण पिल्किंगटना कडेन अिश्टागतीन भोंवता म्हणून वयल्या वयर दाखोवन, ताणे फ्रेडरिकाक आपली लांकडाची कीमत बारा पौंडांनी (पोवनांनी) वाडोवपाक फोर्स केल्लो. पुण नापोल्यांवांच्या उंचल्या मतीचो खाश्या गूण म्हळचार, बोबाटियो फोडणिशी करून सांगतालो, हांतूंत दिसतालो जेन्ना तो कोणाकूच पातयेनासलो. फ्रेडरिकाक लेगित न्हय. लांकडाची कीमत म्हणून फ्रेडरिक चेकी वरवीं फारीग करूंक सोदतालो. ती चेक म्हळचार अेक कागदा कुडको जाचेर फारीग करपाची बरोवन दिल्ली भास (उतर) आसता. पुण ताका नापोल्यांव चड शाणो-शिटूक सांपडलो. ताणे खऱ्या करकरीत पांच-पोवनांच्या नोटींनीं फारीग कर म्हणून मागलें आनी ते दुडू लांकूड उखलून व्हरचे आदीं दिवपाक जाय आसले. फ्रेडरिकान तशे फारीग करून उडयल्ले, आनी जे दुडू ताणे फारीग केल्ले ते गिरगिऱ्या-दांत्या गिन्नी खातीर बसोवपाची यंत्रावळ घेवपाक जिस्त पावताले.

अितले म्हणसर तें लांकूड गडगडीत उखलून गाडयांनी भरून व्हरताले. जेन्ना तें सगळे लांकूड व्हरून जालें, फ्रेडरिकाच्यो बेंक-नोटी बारकायेन पळेवन घेवपाक म्हणून कडचाच्या वसऱ्यांत मोनजातींची आनीक अेक व्हडली सभा घेतली. तोंडार खोश्येचें मंद हांशें खेळोवन आनी आपल्यो दोनूय बिल्ल्या-पदव्यो जेतान हडुयाक लावन, नापोल्यांव व्यासपिठाचेर केल्ल्या सुक्या-तणाचे बाज्जेर दबाज्यान विसवतालो. ताचे कुशीक दुडवांचो दाळ आशिल्लो. तो तर घरभाटांतल्या कुजनांतल्यान (रांदचे कुडींतल्यान) हाडिल्ल्या चीनी बश्शेंत बेस-बरे रीतीन मांडिल्लो. ताच्या फुडयांतल्यान सगळी मोनजात ल्हव-ल्हवान पासार जाली आनी अेक-अेकल्यान ते दुडू तोंड-भर पळेवन घेतले. आनी बोक्षरान त्यो बेंक नोटी हुंगून पळोवपाक म्हणून जेन्ना आपलें नाख फुडें केलें तेन्ना त्यो पातळ धव्यो वस्तू हाल्ल्यो आनी ताच्या उस्वासान सरसल्ल्यो.

तीन दिसां उप्रांत आकांताचो व्हडलो बोवाळ जालो. सामकें शेळेल्लें

मुखामळ करुन व्हिवर आपले सायकलीचेर बसून धांवत धापेत घरभाटांत आयलो, ती सायकल आंगणांत शेवटून उडयली, आनी सोंमतीच नीट ताणें म्हालघरांत धांव माल्ली. रोखडेंच उप्रांत नापोल्यांवाच्या बिराडातल्यान गळो-चेपून रागान-भरिल्लें रडणें आयकूं येवूंक लागलें. कितें काय जाल्ले ताजी खबर घरभाटांतल्यान उडट्या उज्या भशेन धांवत सूटली. बेंकेच्यो नोटी खोटयो आशिल्ल्यो ! तें लांकूड फ्रेडरिकाक फुंकट मेळिल्लें !

नापोल्यांवान रोखडींच जनावरांक अेकटांय आपयलीं आनी भंयांकृत अश्या आवाजान फ्रेडरिकाचेर मर्णाचें फर्मण माल्लें. फ्रेडरिकाक धल्ल्या उप्रांत, ताणें म्हळें, जीतोच उकडून काडचो. त्याच वेळा तांकां ताणें शिटकावणी दिली, कि ह्या घातक्याचे करणेन हें सोंपचेंना. हाचे परस चड वायट येवूं येतालें. आतां खंयच्याय वेळार फ्रेडरिक आनी ताचे मनीस अितलो तेंप अपेक्षीत आशिल्ली धुरी धडये आतां घालीत आसले. घरभाटांत येवपाच्या सगळ्या वाटांचेर आर्माद सशस्त्र शिपायक दवरिल्ले. ह्या भायर, चार कवड्यांक बरेंपण-खवस्तकाय परती जोडपाचो अेक निरोप घेवून फोक्सवूड घरभाटांत धाडिल्ले, जाचे वरवीं पिलकिंगटना लागीं परते बरे संबंद जोडटले म्हणपाचो आस्त आशिल्ली.

रोखडेंच दुसऱ्या सकाळीं नेटाळ धुरी आयली. जनावरां नस्तो करतालीं. बुजीर सावन पळोवपी अेक खबर सांगूंक आयले कि फ्रेडरिक आनी ताचे मनीस त्या पाच-आडांबे आशिल्ल्या दारवंटयांतल्यान भितर आयिल्ले. सगळी मोनजात तांकां फुडो करपाक धिटायेन भायर सल्ली, पुण हे फावटीं तांकां जशें गायां-गोठयांतल्या झुजांत जैत मेळिल्लें तशें सोंपे-पणीं जैत मेळ्ळेंना. स बंदुकां घेवून आयिल्ले पंदरा दादले आशिल्ले आनी तांचे पसुन पंदरा वांवाच्या अंतराचेर पावना फुडें ताणीं फार सोडले. त्या आकांताच्या भंयांकृत स्फोटाक आनी तापून दूख दिवपी मुनिसांवांक मोन-जातींच्यान फुडो करुंक जायना जालें. आनी तांकां अेकटांय हाडपाक नापोल्यांवान आनी बोक्सरान अितले प्रयत्न केल्ले आसतलाय, मनश्यांनीं तांकां रोखडींच धांवडावन फाटीं उडयलीं. तांतलीं जायतीं जनावरां तर आदींच दुखाविल्लीं. ताणीं घरभाटाच्या अिमरतींनी आसरो घेतलो आनी साबाळून बारीक चिलींतल्यान आनी बुराखांतल्यान बिसबिशीत दोळ्यांनी तीं फुडलें प्रकरण पळोंवक लागलीं. सगळें येदें व्हडलें चरवा-मळ, गिरगिऱ्या-दांतें गिरण धरून, आतां दुस्मानाच्या हातांत पडिल्लें. त्या खिणा नापोल्यांव

लेगित अजापान तटाकून पडला दिसतालो. तो हेवटेन तेवटेन पासयो मारतालो, अेक मीटी फोडिनासता, ताची शेंपडी नीट-निबर वातड आनी फडफडीत जाल्ली. फोक्षवूड घरभाटा वटेन ताच्यो चुरचुऱ्यांच्यो झळको पडटाल्यो. जर पिलकिंगटन आनी ताचे मनीस हया आकांताक ताच्या आदाराक आयिल्ले, तर आयच्या दिसा अजून जैत जोडूं येतालें. पुण, ह्या वेळार, त्या आदल्या दिसा जे कवडे भायर धाडिल्ले ते परते आयले आनी अेकल्याच्या तोंडांत पिलकिंगटना कडल्यान आयिल्लो कागदाचो अेक चिटारो आशिल्लो. ताचेर लापसान अशें बरयल्लें आसलें : " हें तुमका फावो ".

अितले म्हणसर फ्रेडरिक आनी ताचे मनीस गिरगिऱ्या – दांत्या भोंवतणी मांडून राविल्ले. मोनजाती तांकां पळेताल्यो आनी आपले मदींच गुणगुण्टाल्यो. तांतल्या दोगां मनश्यांनी लोखणाची अेक पारय आनी व्हडलो अेक तुतयो भायर काडलो. ते आतां गिरगिऱ्या – दांतें गिरण मोडून उडो-वपाचे आसले.

'तें कशेंच जांवचें ना!' नापोल्यांवान बोब मारून सांगलें. 'आमीं त्यो वण्टी चड दाट बांदल्यात. तें अितलें सोंपेपणीं जांवचेंच ना. अेका सातोळ्यान लेगित तो गिरण तांचे कडेन मोडून उडोंवक जावची ना. धीर धरात, सांगात्यांनो!'

पुण बेन्जामीन त्या मनश्यांच्यो हालचाली बारकायेन मन लावन कोरा करून पळेतालो. जे दोग मनीस पारय आनी तुतयो घेवून आयिल्ले ते आतां गिरगिऱ्या – दांत्या गिरणीच्या मुळाक बीण मारताले. ल्हवान, आनी मौजेच्या अश्या मनान बेन्जामीनान आपलें लांबदोक सोंड हालयलें.

'म्हाकाय तेंच दिसतालें,' ताणें म्हळें. 'ते कितें करतात तें तुमकां दिसना, व्हय? आनीक अेका खिणांत स्फोट करपाची दारवे – पूड ते त्या बिणांत घालतले.'

भिरांतीन कांपरुन मोनजाती वाट पळत रावल्यो. आतां त्या अिमारतींच्या आसऱ्या – भायर वचूंक धाडजूंचें म्हळ्यार जाय नाशिल्लें. आनीक थोड्यां मिनटां उप्रांत मनीस सगळ्या दिश्यांनी धांविल्ले दिसताले. मागीर, काना-कानसुलां फोडून उडयता तसलो आकांताचो खोजनो उसळून

फुटिल्ल्याचो धणधणीत आवाज जालो - कवडे वाऱ्यावेल्यान उडून फडफडले, आनी सगळीं जनावरां, नापोलयांव सोडून, पोटाचेर सरपटून पडलीं आनी ताणीं आपलीं तोंडां धांपुन घेतलीं. जेन्ना तीं परतीं उठलीं, तेन्ना जंय गिरगिऱ्या-दांतें गिरण उबी आशिल्ली थंय काळया धुंवराचें अेक वरीश्ट कूप तयार जाल्लें. तें कूप वाऱ्यान ल्हव-ल्हवान पयस भिरकटावन व्हेलें. गिरगिऱ्या-दांतें गिरण ना-नपश्यात जाल्ली!

हें पळेना फुडें जनावरांचो धीर तांकां परतो आयलो. अेका खिणा आदीं जी भिरांत आनी निर्शेणी तांच्यांत आयिल्ली ती ते दुश्ट तिरस्कार - करपी करणेंत बुडून नांच जाल्ली. हे करणेची सूड घेवची म्हणपाची व्हडली-वरीश्ट बोब-हुयेल आयकूंक आयली आनी हे विशीं आनीक हुकुम मेळचो म्हणपाची वाट पळेनासतना तीं सगळीं अेका आंगान सरळ दुस्मानाच्या आंगार वचून पडलीं. ह्या वेळार बरफा-फातुल्ल्यां भशेन तांच्या आंगार पडटल्या क्रूर तापतल्या मुनिसांवांची ताणीं पर्वा केली ना. तें झूज खरायेचें आनी कोडू-कडकडोत जाल्लें. मनीस परत परत फार मारूंक लागले, आनी जेन्ना जनावरां तांचे लागीं पावलीं तेन्ना ताणीं बडियांनी आनी बुटांच्या लाटींनी तांचेर मार शेवटीलो. अेक गाय, तीन मेंडरे आनी दोन बतकां जिवेशीं मरून गेल्लीं, आनी चड - शीं जनावरां घायाळ जाल्लीं. फाटल्यान उबो रावून दिश्या दितल्या नापोल्यांवाच्या शेंपडेचें लेगित अेक पोंत अेका फारा-मुनिसांवान लासून करपायल्लें. पुण दुसरे बटेन ते मनीस सामके वाटावले नांत. बोक्षराचे लाटीन तीगां जाणांच्यो तकल्यो फोडिल्ल्यो; अेके गायेन आनीक अेकल्या मनश्याचें पोट आपल्या शिंगांनी धोमसावन - तोपून उडयल्लें, आनी जेस्सी आनी ब्ल्युबेलान आनीक अेका मनश्याचें कालसांव पिंजून उडयल्लें म्हळयार जाता. आनी जेन्ना नापोल्यांवांचीं खास सरशीं-रावपी राखणदार णव सुणीं, जांकां आडे-वंयां आडोसाक रावून सगळे कडेन पळोवन घेयात म्हणपाचें ताणें फर्मायल्लें, अवचित त्या मनश्यांच्या कुशीक अेकदम फुडयांत उबीं जालीं आनी खरायेन भोंकूंक लागलीं, तेन्ना मनीस सामके घाबरून गेले. ताणी स्पश्ट पळेलें कि तांकां घेरो पडपाची भिरांत आशिल्ली. फ्रेडरिकान बोब मारून आपल्या मनश्यांक सांगलें कि परिस्थिती बरी आसतनाच ताणी भायर सरिल्लें बरें - आनी तेन्ना रोखडेंच ते बेजूड दुस्मान जीव आसल्यार भोक मागून खायत म्हणून थंयच्यान पळटाले. शेताच्या निमण्या खरी मेरेन मोनजातींनी तांची फाट घेतली, आनी जेन्ना ते कांटयांच्या वंयेंतल्यान बळान भायर सरताले तेन्ना ताणी तांचेर निमाण्यो-अश्यो जायत्यो

खोंटो फापर माल्ल्यो.

जनावरां जिखून आयिल्लीं खरीं पुण तीं थकून पडिल्लीं आनी तांच्या आंगां–मासांतल्यान रगतां व्हांवतालीं. तीं ल्हव–ल्हवान घरभाटा वटेन खुंटत खुंटत परतलीं. मरून त्या तणाचेर पातळून पडिल्ल्या आपल्या सांगात्यांक पळोवन जनावरांतलीं कांय जाणां बुटबुटीत रडुंक लागलीं. आनी जंय आदीं गिरगिऱ्या दांतें गिरण उबी आशिल्ली थंय पावतकूच ताणी थांबून थोडें खीण मोवन पाळळें. व्हय, ती दांतें–गिरण खऱ्यानीच गेल्ली, तांच्या वावराची निमाणी खुणा लेगित पुसून गेल्ली ! ताची बुन्याद लेगित कांय वांटच्यान विभाड जाल्ली. अशें आसून, तें दांतें परतें बांदून हाडपाक तांच्यांनी. जशें आदीं केल्ले, त्या आड पडिल्ल्या फातरांचो उपयोग करूंक जायनाशिल्लो. हया वेळार फातर लेगित ना-नपश्यात जाल्ले. स्फोटाच्या तोलान आनी नेटान तांकां शेंबरांच्या वांवां पैस शेवटून उडयल्ले. अशें दिसतालें कि गिरगिऱ्या दांतें थंय केन्नाच उबें नाशिल्लें.

जशीं तीं घरभाटाच्या म्हालघराकडेन पावलीं तसो बोबाटियो, जो झूज चलता आसतना दिसुंक नाशिल्लो आनी खंय गेला म्हणपाचो जाचो पत्तो नाशिल्लो, उडयो मारीत, शेंपडी हालयत आनी समाधानाचें हांशें खेळयत, तांचे वटेन–असो आयलो. आनी तेन्ना घरभाटाच्या अिमारतीं कडल्यान अेके नाळयेचो ड्रूभ आवाज धणधणीत कानार सादलो.

‘ ती नाळी–कान्यांव कित्याक फार सोडटा काय ? ’ बोक्षरान प्रस्न उबो केलो.

‘ आमचें जैत समारंभचे खातीर ! ’ बोबाटियान फोडणिशी करून सांगलें.

‘ कसलें गा जैत ? ’ बोक्षरान प्रस्न काडलो. ताच्यो दिंबयो तर रगतान भरिल्ल्यो, ताच्या पांयांचो अेक लोखणा–मोचो निखळून गेल्लो आनी ताची लाट चिरून गेल्ली आनी ताच्या फाटल्या पांयांत दूज–भर तरी मुनीसांवां शिरकल्लीं.

‘ कसलें जैत म्हणून तुं विचारता, सांगात्या ? हया पवित्र आमच्या

बरभाटाच्या जमनीवेलो आमी दुस्मानाक धांवडावन धरुंक ना, व्हय गा ?'

' पुण ताणीं आमची गिरगिऱ्या-दांतें गिरण बिभाडली न्हय गा. आनी ती बांदपाच्या वावरांत आमी दोन वर्सां कश्टांचो श्रम केल्लो !'

' कसली बिशाद ? आमी दुसरी गिरगिऱ्या-दांतें गिरण बांदचीं ! आमी स गिरगिऱ्या-दांतीं बांदचीं, आमकां तशें दिसलें जाल्यार. आमी केदें व्हडलें साहस जोडलां तें तुमगेल्या लक्षांत आयलें ना, सांगात्यांनो. जे सुवातेर आमी आतां उबीं आसांत ती सुवात दुस्मान आपल्या ताब्यांत घेवुन आशिल्लो आनी आतां- सांगाती नापोल्यांवाच्या फुडारीपणाक लागून - आमी तांतलो प्रत्येक ओंच परतून जिखून घेतलो ! '

' तशें जाल्यार, आदीं आमचे लागीं आशिल्लें तें आमी परतें जिखून घेतलें' बोक्षरान म्हळें.

' तेंच गा आमचें जैत !' बोबाटियान सांगलें.

मोनजाती खुंटत खुंटत आंगणांत गेल्यो. बोक्षराच्या पांयांच्या काती पोंदाक गेल्लीं मुनीसांवां दुखाभरीत जावन सणसणटालीं. आपल्या फुडें आशिल्लो गिरगिऱ्या-दांत्याचो बुन्यादी पसून परतें बांदून हाडपाचो वावर ताच्या दोळ्यां मुखार उबो जातालो आनी ह्या वावरा खातीर करपाची आसली ती कडकडीत मेहनत तो कल्पेनेंतल्यान येवजून घेतालो. पुण तेन्ना पयलेच फावट ताच्या लक्षांत आयलें कि आपूण आतां अकरा वर्सांचे पिरायेचो जाल्लो आनी आपल्यो घटमूठ व्हडल्यो पोवटो आदीं आशिल्ल्यो ते भशेन घडये अितल्यो बळीश्ट नाशिल्ल्यो.

पुण जेन्ना मोनजातींनी पांचवो बावटो उबयल्लो पळेलो आनी ते नाळयेचो परतो सोडिल्लो फार आयकलो - तो फार सगळे मेळून सात फावटीं सोडिल्लो - आनी नापोल्यांवान केल्लें भाशण आयकून घेतलें. तांच्या वागणुके बद्दल तांकां ताणे परबीं दिल्लीं तीं नियाळ्ळीं. तेन्ना निमाणेकडेन येवजून तांकां दिसूंक लागलें कि ताणीं खऱ्यांनीच व्हडलें जैत जोडिल्लें. झुजांत मेल्ल्या मोनाजातींचो दबाजीक रीतीन अितेर्र जालो. काशांवाची गाडी (मर्णाचें प्रेत ओडटली) बोक्षर आनी क्लोवर ओडटालीं; आनी खाश्या नापोल्यांव मिरवणुकेच्या माथ्या मुखार चलतालो. ही परब समारंभाचे

खातीर दोन आख्खे दिस दवरिल्ले. पदां, भाशणां आसलीं, आनी नाळी-गुळयांचे आनीक खोजने आसले, आनी दर-अेकल्या मोनजातीक केळवण म्हणून अेक--अेक आपोल (सफरचंद) दिल्लो, आनी दर-अेका सुखण्या-सवण्याक धान्या-कणयांचीं दोन ओंसां आनी दर--अेका सुण्याक तीन बिस्किटी. अशें जाहीर जाल्लें कि ह्या झुजाक गिरगिऱ्या--दांत्या झूज म्हणटले. नापोल्यांवान अेक नवो बिल्लो. तयार केल्लो. तो म्हळचार पांचव्या बावटयाचें ब्रिरुद, जें ताणे आपुण जावन आपणाकूच भेटयल्लें. त्या सर्व--सगट खोश्ये--नादार खोटया-फटीग बेंक-नोटींचें दुर्दैवी प्रकरण विसरायेंत पडिल्लें.

ह्या उप्रांतच्या थोडयां दिसांनी घरभाटांतल्या म्हालघराच्या धर्तरे-पोंदच्या कुडांत (Cellar) दुकराक व्हिस्की सोऱ्याची अेक काश सांपडली. जेन्ना त्या घरांत बिराड करपाक ते पयलेच फावट आयिल्ले तेन्ना हें कोणाच्याच लक्षांत आयलें ना. ते राती, घरभाटाच्या म्हालघरांतल्यान व्हडल्या ताळयान गावपाचो आवाज आयकूंक येतालो, ज्या पदां भितर, सगळीं आयकून अजाप जाल्लीं, 'अिंग्लंडची मोनजात' ह्या मना केल्ल्या पदाचे लेगित सूर मिसळ जाल्ले दिसताले. रातच्या सुमार साडे-णवांक, नापोल्यांव जोन्साचें पोन्नें व्हडलें चेपें माथ्याक घालून दारांतल्यान भायर सल्लो, आंगणांतल्यान गडगडीत उडक्यो मारीत धांवलो आनी परतो भितर धांवून यवन नांच जालो, हें तर मोनजातींनी निश्चित पळेलें. पुण सकाळ उजवाडटा म्हळचार त्या म्हाल-घराचेर खोल मोवन उमकळटालें. तांतल्यान अेक दुकर हालिल्लो दिसनासलो. सुमार णव वरां जाता म्हळचार कि बोबाटियो भायर दिसलो. तो ल्हवान आनी निर्शेल्ल्या पडिल्ल्या भशेन चलतालो. ताचे दोळे झेमताले, ताची शेंपडी फाटल्यान मेंगी-अशी लांबताली, आनी खरें म्हळचार कितें तरी गंभीर अशी ताका पिडा लागल्या दिसताली. ताणें सगळया जनावरांक अेकटांय आपयलीं आनी तांकां सांगलें कि दुखेस्त आकांताची अेक खबर कळीत करपाची आसली. ती म्हळचार सांगाती नापोल्यांव मर्णाचे तणीर पाविल्लो !

हें आयकना फुडें सगळेकडच्यान दुःखाभरीत परवणी गुणगुणत आयकूंक आयली. घरभाटाच्या म्हालघराच्या दारा मुखार सुकें-तण ताणीं मातयल्लें आनीं थंय जनावरां दुखेस्त रीतीन आवाज करीनासतना आपल्या पांयां--बोटांचेर ल्हव ल्हवान चलूंक लागली. दोळयांनी दुकां व्हांवयत तीं

अेकामेका लागीं विचार करतालीं कि तांचो हो फुडारी तांकां असो सोडून गेलो जाल्यार ताणी फुडें कितें करपाचें. अशीय खबर पसरून गेल्ली कि खऱ्यांनीच स्नोबॉलान नापोल्यांवाच्या जेवण-खाणांत वीख घाल्लें. अकरा वरां जाता म्हळचार बोबाटियो आनीक अेक घोशणा करपाक भायर आयलो. हे धर्तरेचेर आपली निमाणी करणी म्हणून सांगाती नापोल्यांवान दबाज्यान अेक कायदो काडिल्लो : 'सोरो पियेता ताका मर्णाचें फर्मण मारचें.'

सांजवेळ येता म्हळचार नापोल्यांवाच्या जिवाक अिल्ले बरें दिसूंक लागिल्लें. दुसरे दिसा सकाळ उजवाडटा म्हळचार बोबाटियो हेरां मोनाजातींक सांगूंक शकलो कि आतां नापोल्यांव बरो जावपाचे वाटेर आसलो. त्या दिसा सांजवेळा मेरेन नापोल्यांव परतो कामार आयलो. दुसरे दिसा अशें कळून आयलें कि विलिंगडन शारांत वचून व्हिंपरान सोरो काडपाचेर कांय पुस्तिका विकत्यो घेवन हाडच्यो म्हणपाचे ताका सांगिल्ले. अेका सातोळ्या उप्रांत नापोल्यांवान हूकूम सोडले कि फळां--बागींतल्या पेल्यान आशिल्ले वंये भितल्ल्या ल्हान कुणग्यांत जी सुवात कांय-वावर-करूंक-जाय-नाशिल्ल्या जनावरां खातीर चरवा-मळ कशें राखून दवरिल्ली ती खणून काडपाची आसली; अशी खबर पातळायल्ली कि तें चरवा-मळ वापरुन खर्शेत शक्तीन सोंपून आयिल्लें आनी तांतूंत परतें बीं--बियाणें घालपाची गरज आसली. पुण रोखडेंच अशें गमून आयलें कि नापोल्यांव थंय 'बारली' रोवुंक सोदतालो.

ह्या सुमाराक अेक आथवीच घडणी घडून आयली, जिचो अर्थ भोव थोड्यांच्या लक्षांत आयलो. अेके राती, मदयानीचेर अशें, व्हडल्यान खड खड करून घडघडून पडिल्ल्याचो आकांताचो आवाज गाजलो आनी तो आयकून जनावरां आपल्या गोठ्यांतलीं धांवून भायर सरुन आयलीं. चान्न्याची रात आसली. व्हडल्या कड्याच्या निमाणे वण्टीच्या मुळाक, जंय सात उपदेस बरयल्ले आसले, दोन कुडक्यांनी मोडून पडिल्ली अेक निसण आसली. अिल्लो-सो तटाकून पडून न्हिन्नल्लो बोबाटियो तिचे कुशीक पडून पातळिल्लो आसलो. ताचे कुशीक अेक लांपयांव आसलो, रंगाचें पिशोल आनी धव्या रंगाचो आडवो पडिल्लो अेक धब्बो. बोबाटिया भोंवतणी सुण्यांनी रोखडोच अेक घेरो घालो आनी तो उठून चलुंक लागतकूच रोखडोच ताका आपले सांगाता घरभाटाच्या म्हालघरांत व्हेलो. खंयच्याच मोनजाती कडेन हे घडणेचो अर्थ लावंक जायना जालो भायरावन जाण्टो बेन्जामीन, जाणे आपलें सोंड जाणातले अशे नुरेन हालयलें आनी ताका कितें तरी निश्चित समजलां

दिसतालें, पुण तो कांय अेक म्हण ना जालो.

पुण आनीक कांय दिसां उप्रांत, ते सात उपदेस आपुण आपणाकडेनूच मुरियेल वाचीत आसतना, तिचे अशे नदरेक आयलें कि तांतलो आनीक अेक उपदेस आसलो जाचोय मोनजातींक सारको बरो उगडास उल्लो ना. तांकां दिशिल्लें कि पांचवो उपदेस म्हळचार “ खंयचीच मोनजात सोरो पियेंवची ना. ” पुण आतां तर तांतुत कांय उतरां अशीं आसलीं जांची तांकां घडये विचिरकाय उल्ली ना. खरें म्हळचार तो उपदेस अशें म्हणटालो : “ खंयचीच मोनजात चड सोरो पियेंवची ना. ”

आवेस्वर-९

बोक्षराची चिरुन गेल्ली लाट पेखून येवपाक जायतो तेंप लागलो. जैताचो समारंभ सोंपल्या उप्रांतच्या दिसा मोनजातींनी गिगिऱ्या--दांत्याचें बांदकाम परतें सुरू केलें. बोक्षर तर अेक दिस लेगित आपल्या वावरा वेल्यान कडसरना जालो. आनी आपुण दु:खीन वळवळटा म्हणपाचें कोणाक कळचें न्हय म्हणून काळजी घेवपाची आपल्या भौमानाची गजाल जावन आसा अशी धरून चलुंक लागलो. ती लाट आपल्याक चड त्रास दिता म्हणपाचें तो क्लोवरी लागीं सांजवेळचो मेळटना खाजगी रीतीन कबूल करतालो. झाडा-पाल्याचीं पाळां-मुळां हाडून, चाबून चाबडावन ताची पापां करून क्लोवर तीं ताच्या लाटिचेर घालताली. बोक्षरान आतां थोडो उणो वावर करचो म्हणून ती आनी बेन्जामीन ताका पराथतालीं. ती ताका अशी म्हणटाली : 'अेका घोडयाचें पोपीस सदां सर्वकाळ तगना.' पुण बोक्षर आयकना जालो. तो म्हणटालो आपल्याक अेकूच वान्सा उरिल्ली आसा. ती म्हळ्यार आपूण सेवानिवृत्त वो बसपागारी जावचे पयलीं त्या गिरगिऱ्या-दांत्याचे गिन्नीचें बांदकाम बरेंच फुडें पाविल्लें आपणाक पळोंवक जाय.

सुरवातेक, जेन्ना मोनजाती-घरभाटाची नेमांवळ पयलेच फावटीं घडोवपांत आयिल्ली, तेन्ना सेवानिवृत्त जावपाची पिराय घोडयांक आनी दुकरांक बारा, गायां-गोरवांक चौवदा, सुण्यांक णव, मेंढ्यां-शेळयांक सात आनी कोंबयांक आनी बतकांक-हांसांक पांच, अितलीं वर्सां केल्ली. सदळ हातान तांकां भोव उदार पेनशन दिवचें केल्लें. आतां मेरेन खंयचीच मोनजात बसपागारी जावंक नाशिल्ली. पुण हालींच्या तेंपार ह्या विशयाचेर चडांत चड

भासाभास जाताली. आतां जेन्ना फळां-बागीच्या पेल्यान आशिल्लें शेत बारली (barley) खातीर कुशीन दवारिल्लें, तेन्ना अश्यो खबरो जाताल्यो कि त्या चरवा-मळावेलो अेक कोनसो आडचा-वंये भितर घालतले आनी म्हातारीं जाल्ल्या जनावरां खातीर तें चरवामळ करतले आसले. अशें म्हणटाले कि घोडयां खातीर थारायल्लें पेनशन म्हळ्यार दिसाक पांच रात धान्या-गोटे आनी शियांच्या तेंपार पंदरा रात सुकें-तण, आनी सुटियेच्या दिसांनी घडये अेक मुळो वो आपोल (सफरचंद). बोक्षराचो बारावो जाल्लो-दिस (वाढ-दिस) फुडल्या वर्साच्या निमांण्यां अश्या दिसांनी गिमाळयाचो येतालो.

अितले म्हणसर घरभाटांतले जीवित बरेंच अवघड जाल्लें. निमाणे-कडेन थंडी पडिल्ली तेच भशेन हेय फावटीक जाल्ली, आनी तांकां जेवण-खाण फाटल्याय परस उणें पडटाले. आनीक अेक फावट सगळयांचें रेशन उणें केल्लें, भायरावन दुकरांचें आनी सुण्यांचें. रेशन वांटपांत चड नीट-अन्निल्लें अेकसारकेपण राखल्यार, बोबाटियो फोडणिशी करतालो, मोनजातीवादाच्या नेमां आड जातलें आसलें. कशेंय आसूं, हेरां मोनजातींक सिद्ध करुन दाखोवन दिवपाक ताका चड अडचण आयली ना. कित्याक घरभाटांत खरें म्हळयार जेवणा खाणाचो उणाव नाशिल्लो, कियलेय तशें भायल्या भायर दिसलें जाल्यार लेगित. सध्याच्या वेळार तरी, खऱ्यांनीच रेशनाचो आदल-बदल वो अॅडजस्तमेंट करपाची गरज पडिल्ली. (असली खबर करतना बोबाटियो सदांच 'आदल-बदल' आनी न्हय 'उणें करप', अशें उलयतालो). पुण जोन्सा काळा वेल्या दिसांक सर केल्यार, तांचे परिस्थितींत आतां जाल्ली सुधारणाल्तर आकांताच्या बरे-पणाची आसली. आपल्या बारकिल्या, सुटसुटीत ताळयान ते आंखडे वाचीत ताणें बारकायेन सांगून सिद्ध करून दाखयलें कि तांकां आतां आदल्या परस चड ओट्स खावंक मेळटाले, जोन्साच्या काळार मेळटाले त्या परस चड नाल्लाकोब आतां फावताले, तीं आतां उणीं वरां वावर करतालीं, तांचें पिवपाचें उदक बरें नितळ गुणी आशिल्लें, तीं आतां चड काळ जियेतालीं, तांच्या पोरां-पिलां मदलीं चड जाणां चड-काळ जितीं-जीवीं उरतालीं, आनी तांच्या गोठयांत आतां चड सुकें-तण मेळटालें आनी मुसां क्रिमसां झळारी पसून तीं आदल्या परस उण्यां त्रासांत पडटालीं. मोनजातींनी ताचें अेक-अेक उतर आयकून घेतलें आनी सत्मानलें. खरें सांगचें जाल्यार जोन्स आनी ताच्या काळा वेल्यो सगळयो गजाली तांच्या उगडासांतल्यान चडश्यो भायर पडिल्ल्यो. तीं अेकूच जाणा आसलीं कि आयच्या हया दिसांनी जीण सामकी कठीन, कडू आनी बोडकी जाल्ली, तीं जायते फावटीं भुकेल्लीं आसतालीं आनी खूबशे फावटीं थंडगार जावन कुडकुडटालीं आनी जेन्ना तीं न्हिदूंक

नाशिल्लीं तो सगळो वेळ तीं चड करुन कामांत रोंबिल्लीं आसतालीं. पुण दुबाव विरेत आदल्या दिसांनी परिस्थिती हाचे परस पाइट आशिल्ली. तांकां अशें सत्मानगाक बरें दिसतालें. त्या भायर आदल्या तेंपार तीं गुलाम आशिल्लीं आनी आतां तर तीं मेकळीं जाल्लीं. हांतूंत तर सगळो फरक पडटालो हें खरें, जसो बोबाटियो केन्नाच सांगनासतना सोडीनाशिल्लो.

आतां जायतीं अदीक तोंडां भरपाची आशिल्लीं. ऑटम रुतूंत चार दुकरीनी सगळ्यांनी अेका वांगडाच पेटे काडिल्ले, सगळीं मेळून अेकतीस नवीं दुकरां जलमाक आयिल्लीं. हे दुकरां पेटे काळ्या-धव्या खतांचे आशिल्ले, आनी नापोल्यांव तर घरभाटांत अेकलोच असलो रान-दुकर आशिल्ल्यान, तांचो बापाय कोण जायत म्हणपाचो रोखडेंच अदमास करूं येतालो. अशें जाहीर केल्लें कि जेन्ना वीट आनी लांकूड विकतें घेवपांत येतलें तेन्ना घरभाटाचे बागीत अिस्कोलाचो अेक कूड बांदतले आसले. संध्या खाश्या आपुण जावन नापोल्यांव त्या दुकरा-पेटयांक घरभाटा रांदचे-कुडींत शिक्षण दितालो. ते बागींत ते आपली कवायत करताले. हेर मोनजातींच्या पेटयां-पिल्यां वांगडा खेळपाक तांकां फुडें काडिनाशिल्ले. ह्याच सुमाराक, असो अेक नेम मांडपांत आयला कि जर पासय मारतना अेका दुकराक दुसरी खंयचीय अेक मोनजात वाटेक मेळ्ळी, तर ते दुसरे मोनजातीन कुशीक सरुन दुकराक वाट करुंक जाय. आनीक अेक चाल सुरू जाली : सगळ्यां दुकरांक, तीं मागीर खंयच्याय जातींचीं आनी पांवडयाचीं जांव, आयतारा दिसा शेंपडेक पांचवी फितां लावन न्हेसपाचो खासा भौमान मेळचो.

तें वरस घरभाटाक सुमाराच्या येशाचे जाल्लें, पुण तरीय दुडवांचो उणाव आशिल्लोच. वीट, रेंव आनी चुनो विकतो घेवपाचो आसलो. त्या भायर गिरगिऱ्या-दांत्या गिन्नी खातीर सगळी यंत्रावळ घेवपाची आसली. हाका लागून आनीक अेक फावट दुडू मोडपाचेर काटकसर करची गरज पडटली आसली. त्या भायर घरांच्या दिव्यांक तेल तशीच वातीची गरज पडटली आसली. नापोल्यांवाच्या स्वताच्या मेजाक साकर जाय आशिल्ली (ती साकर हेरां दुकरांक ताणें मना केल्ली तांकां मोटीं करतली म्हणपाच्या नीभान). त्या भायर दांतें परत बसयतना लागतल्यो सदांच्यो वस्तू जशीं आयिद्दां, खिळे, सूत, दोरी, कोळसो, तार, लोखणा ताळे-वाळे, आनीं सुण्यांच्यो बिस्किटी. सुक्या-तणाचें अेक कुडें आनी बटाटयांचे पिकेंतलो एक वांटो विकून

उडयल्लो, आनी तांतयां पुरवठ्या खातीर केल्ल्या करारांत आतां सयशीं तांतयां अतिलीं केल्लीं, कि आपलो आंखडो उणो म्हळयार आसा तितलोच राखपा खातीर तीं रोवांण्याक बसून कोंबयांनी फावो तितलीं पिलां काडलीं नांत. रेशन जें देझेंब्र म्हयन्यांत उणें केल्लें तें आनीक अेकदां फेबरेर म्हयन्यांत तरीय उणे केले, आनी पेतरोल तेलाचो सांबाळ करचे खातीर गोठ्यांत लायिल्ले लांपयांव पेटोवपाचे मना केल्ले. पुण दुकरां जाल्यार फावो ते भशेन खोशी-धादोशी तर दिसतालीं आनी खरें म्हळयार तीं दिसानदीस दाटीं-मोटीं जायत वेतालीं अेका दनपारच्या वेळार, फेबरेराच्या निमाण्या अश्या दिसांनी उब-दिवपी, खतखतीत, दाट-असो, घमघमीत वास, जसो मोनजातींनी ह्या आदीं केन्नाच हुंगूंक नाशिल्लो, त्या सोरो-काडपा भट्टीच्या धाकट्ल्या घरांतल्यान आंगणांत भायर पावलो. ती सोरो-काडपा भट्टी जोन्साच्या काळार वापरीनासतना उरिल्ली आनी ती रांदचे-कुडीच्या पेल्यान उरताली. तो वास बारली शिजत घाल्या ताचो जायत अशें कोणें तरी म्हळें. तो घमघमीत वास मोनजातींनी भोव आशेन भुकेल्ल्या नाखान हुंगून घेतलो आनी आपल्या रातच्या जेवणा खातीर गरम खास पदार्थ तयार जायना, मू, अशे गोड रीतीन त्यो येवजूंक लागल्यो. पुण जेवणा वेळ आयलो आनी कसलेंच गरम जेवण तांकां आयलें ना. वेल्यान फुडल्या आयतारा अशें जाहीर जालें कि ह्या फुडें सगळी बारलीची पीक दुकरांक राखून दवरिल्ली. फळां-बागींतल्या पेल्यान आशिल्लें शेत तर ह्या आदींच बारलीन रोवून काडिल्लें. आनी अश्यो खबरो भायर सल्ल्यो कि दर-अेका दुकराक आतां दिसपट्टें बियेराचें अेक पायंट रेशन मेळटलें, आनी नापोल्यावांक जाल्यार स्वताक अर्दो गॅलन-भर बीयेर राखून दवरिल्लें. तें ताका सदांच क्रौन डेर्बी सोपाच्या तेरींनांत (कांचेच्या मेजार दवरच्या व्हडल्या आयदनांत) वाडटाले.

पुण जरी तांकां जायते कश्ट काडपाचे आसले तरी तांचें प्रमाण आदल्या परस उणें आशिल्लें. अेक गजाल खरी आसली ती ही कि आदल्या परस ह्या दिसांनी तांकां जायतो बरो आप-मान आसलो. आदले परस आतां जायतीं कांतरां पदां आसलीं, चड भाशणां, चड मिरवणुको आसल्यो. नापो-ल्यांवान अशेंय फर्मायल्लें कि सातोळ्याक अेकदां 'उमळशीके प्रदर्शण' म्हणपाचें किते तरी करपाक जाय, जाचो हेतू आसलो मोनजाती-घरभाटाचे संघर्श आनी जोडिल्लें जैत, हांचो सत्कार करपाचो. थारायल्ल्या अेका वेळार जनावरां आपलो वावर सोडून दितलीं आसलीं आनी फौजीचे रीतीन अेकटांय जावन घरभाटाच्या भोंवतणी तीं भोंवाडे मारतलीं आसलीं. ते कसरतींत

सगळ्यां मुखार दुकरां आसतलीं आसलीं, उप्रांत घोडे, मागीर गायो-गोरवां, मागीर मेंडरे आनी तांचे फाटल्यान कोंबयो आसतल्यो आसल्यो. मिरवणुकेचे दोनूय कुशींनीं सुणीं आसलीं आनी सगळ्यांच्या मुखार नापोल्यांवाचो काळो कोंबलो मार्च करतालो. बोक्षर आनी क्लोवर आपले मदेकत अेक पांचवो बावटो धरून व्हरतालीं, जाचेर लाट आनी शींग तसोच "नापोल्यांव सांगात्याक लांब औख मेळचें" हो माथाळो चित्रायल्लो. मागीर नापोल्यांवाच्या मानान केल्ल्यो कविता म्हणपांत येताल्यो आनी उप्रांत बोब्राटियाचें भाशण जातालें, जांतूंत तो घरभाटांतल्या चडिल्ल्या उत्पन्नाचें निमाणें अशें आंखडे सांगतालो आनी निमित्ताक धरून ते नाळयेंतलो अेक फार साडटालो. ह्या 'उमळशीके वो आप-खोश्येच्या प्रदर्शनां-चे व्हडले भक्त आशिल्ले ते मेंडरे. जर कोणेंय हाचे विशीं तक्रार केली (जशीं थोडीं जनावरां करतालीं जेन्ना दुकरां वो सुणीं लागीं नासतालीं) कि त्या प्रदर्शनाक लागून बेस्टो वेळ वगडावतालो आनी तांकां थंड-गार हवेंत भायर उबें रावचें पडटालें. "चार पांय बरे, दोन पांय वायट" अशें आपणाचें आकांताचें रडणें करून मेंडरे तर असल्यांक खात्रेन बंद करून उडयताले. पुण चड-श्या मोनजातींक ही परब पाळपाक आवडटाली. जेन्ना तांकां उगडास करून सांगताले कि आतां तर तीं आप-आपलीं खरेलीं धनयां जावन आसलीं आनी तीं जो आतां वावर करतालीं तो तर तांच्याच फायद्याचो आसलो, तेन्ना तांकां अिल्ली धादासकाय भोगताली. अशें आसून, कांतरां-पदां, मिरवणुको, बोब्राटियाच्यो आंखड्यांच्यो यादी, नाळी गुळयांचो घडघडाट, कोंबल्याचो साद, बावट्यांचो सरसराट, ह्या सगळ्या बोवाळा म्हालवजार तांचें पोट कांय वेळा तरी रीतें उरतालें म्हणपाचें तांच्यांनीं अिल्लें तरी विसरूं येतालें.

आब्रील म्हयन्यांत, मोनजाती-घरभाट अेक लोकराज्य म्हणून जाहीर करपांत आयलें, आनी अशें आसून ताचे खातीर अेक राष्ट्रपती वेंचून काडपाची गरज पडली. त्या जाग्याक अेकूच उमेदवार आसलो आनी तो म्हळ्यार नापोल्यांव, जाका अेकमत्तान वेंचून काडलो. त्याच दिसा अश्यो खबरो पातळ्ळ्यो कि कांय नवे दाखले-दोकुमेंत हातमल्ले जे स्नोबॉल जोन्साकडेन भेदी आशिल्लो म्हणपाच्यो आनींक फुडल्यो अिल्ल्यान अिल्ल्यो बारीकसाणी दिताले. आतां अशें दिसून येतालें कि स्नोबॉल, जशें आदीं मोनजातींनी येवजिल्लें, फकत गायां-गोठ्यांच्या झुजांतूच तांकां हार खावोंवची म्हणून टोकपणी मांडण्यो करून वावुरतालो. अितलेंच न्हय तर तो जोन्साचे वटेन उगतेपणी झुजतालो. खरें म्हळ्यार तोच खंय कि मनश्यांचे फौजीचो मुखेल फुडारी आशिल्लो, आनी जो 'मनीस-

कुळाक जैत', अशें आपल्या ओंठांतल्यान मागून त्या झुजांत घुरी घालून, धांवून गेल्लो. स्नोबॉलाचे फाटीर जे घाये जाल्ले, जे थोडचा मोनजातींनी आपल्या दोळयांनी पळेल्ले म्हणपाची तांकां अजून याद आसली, ते तर नापोल्यांवांच्या करकरीत दांतांनी केल्ले खंय.

गिमाळचाच्या मदल्या काळार, मोजेस कावळो जो साबार वर्सां जाल्लीं नांच जाल्लो तो घरभाटांत अवचित दिसलो तो तर चड-सो बदलुंक नाशिल्लो, अजून कांय अेक काम करीनासलो आनी अजून आदले भशेनूच साकरे-बाळा पर्वताच्यो खबरो करतालो. तो अेका झाडा खांदयार बसतालो, आपलीं काळीं पाखां फडफडायतालो आनी कोणूय ताचें आयकतलो मेळळचार वरांचीं वरां उलयत सुट्टालो. 'हें पळे वयर थंय, सांगात्यांनो,' तो दबाजीक अशे रीतीन सांगतालो, आपले लांबशीक तोंचीन मळबाकडेन दाखोवन, 'हें पळे वयर थंय, हें तुमकां दिसता त्या काळख्या कुपाच्या जिस्त दुसऱ्या अर्दान, साकर-बाळांचो पर्वत थंय आसा, तो सुखाळ देस जंय आमच्या सारक्या दुर्बळ-दुबळचा मोनजातींक, आमच्या श्रमांतली सुटका मेळून, सासणाक विसव मेळटलो ! ' आपणें केल्लया कांय उंच उंचायेच्या उडणां वेळार आपूण थंय पावलां म्हणपाचो तो बडबाचार सांगतालो, तशींच तीं सासणाच्या फुलां-तणाचीं शेतां आनी थंयच्या आडे-वंयांचेर पिकतली पेंड आनी खडी-साकर आपणें आपल्याच्या दोळयांनी खाश्या पळेल्या म्हणून तो गर्वान सांगतालो. जायतीं जनावरां तो सांगतालो तें सत्मानतालीं तांचें आतांचें जीवित तर भुकेचें आनी श्रमदायक आसलें, तीं तर्क लायतालीं, दुसरे कडेन खंय तरी हाचे परस बरो अेक संवसार आसतलो, अशें खरें आनी नीतीवंत मानूंक जायनासलें, व्हय ? मोजेसा विशीं दुकरांचें मन कितें आशिल्लें तें थारावपाक कठीन लागतालें. दुकर ताच्या सांगण्यांचो तिरस्कार करताले कि ताच्यो साकर-बाळा पर्वताच्यो काणयो खबरो सगळयो फटो आसल्यो. आनी तरी आसतना ताका ताणीं घरभाटांत कसो, कांय अेक काम करीनासतना, रावूंक दिवचो, ताका बियेराचो अेक घोट-भर पसून राखून दवरी मेरेन. हेंच कुवाडें कशेंच सुटनासलें.

बोक्सराची लाट पेखून आयल्या उप्रांत, ह्या आदीं केन्नाच करूंक नाशिल्लें तितलें खरायेन तो आतां वावर करूंक लागलो. खऱ्यांनीच सगळीं जनावरां त्या वर्सा चाकरां-बंद्यां भशेन वावर करतालीं. घरभाटाचें नेमाचें काम तर आसलेंच. त्या भायर गिरगिऱ्या-दांतें परतें बांदून हाडपाचो वावर

आसलो, मार्साच्या म्हयन्यांत सुरू केल्लें दुकरां-पेटचां खातीर येवजिल्ली साळ बांदपाचें कामूय आसलें. तीं लांबदीक वरां कश्ट करून आनी गरजे परस उणी उंडी पोटांत घालून, हें सोंसचें म्हळ्यार केन्ना केन्नाय भोव मारेकार दिसतालें, पुण तरीय बोक्षर कामाक केन्नाच फाटीं पडलो ना. ताकत ताची आदल्या परस उणी जाल्या वो ताच्यान कश्ट करुंक जायना, अशें तो वावर करतलो रेखूत वो तो कितेंय म्हणटा तें पळोंवन कोणूच म्हणचो नाशिल्लो. ताका बारकायेन पळेल्यार मात अशें कळटालें कि ताच्या दिसपांत अिल्लो बदल घडोवन आयिल्लो; ताच्या आंगावेलें चांबडें जशें आदीं तेजान तिकतिकीत दिसतालें तशें दिसनासलें; ताचें उबार बेंड आनी कचकचीत कुले भागून बावल्या दिसताले. हेर जनावरां म्हणटालीं कि बोक्षर परतो सारको जातलो जेन्नां वसंत-रुतुचें पांचवें रसरशीत तण वयर सरतलें. पुण वसंत-रुतू आयलो आनी बोक्षर आशिल्लो त्या परस अिल्लोय मोटो जालो ना. केन्ना-केन्नांय खणी कडेन वचपाचे चडटेर आसतना, जेन्ना तो आपल्यो पौवटो खंयच्याय व्हडल्या खडपाच्या वजना कडेन घालतालो, तेन्ना ताच्या निश्चय-निर्धारा शिवाय ताच्यां पांयांक उबो रावपाक व्हडलीशी शक्तत्यो पौवटो दिनासल्यो. अश्या वेळार, ताच्या ओंठांर हीं उतरां 'हांव चड मन लावन कश्ट करुन वावर करतलों' उदेल्लीं दिसतालीं; ताच्या ताळ्याचो आवाज आनीक उल्लो ना. आनीक अेक फावट क्लोवर आनी बेन्जामीन भलायकेची जतनाय घे म्हणपाची ताका शिटकावणी दितालो; पुण बोक्षराक हाचें कांय अेक पडूंक नाशिल्लें. ताचो बारावो जाल्लो-दिस लागीं येतालो. आतां कितें जातलें ताची ताका पर्वा नाशिल्ली, फकत आपूण पेनशनाचेर पडचे पयलीं जाय तितली फातरांची रास थंय अेकटांय जावंक जाय आसली.

गिमाळ्याच्या अेका सांजवेळच्या भोव उसरां, अवचित अेक खबर घरभाटांतल्यान धांवत सुटली कि बोक्षराक कितें तरी वायट अपघात घडला. गिरगिऱ्या-दांत्या मेरेन फातरांची अेक रास तरी हाडची हे हेतून तो अेकलोच भायर सरून गेल्लो खंय. आनी खात्रेन ती खबर खरी आसली. थोडयाच खीणां उप्रांत दोन कवडे अेक खबर घेवून धांवत-धापेत आयले : "बोक्षर सकला पडला ! तो आपले कुशींचेर आड पडला आनी ताच्यान उठूंक जायना ! "

घरभाटांत आशिल्लीं सुमार अर्दीं जनावरां जंय गिरगिऱ्या-दांतें आसलें ते दोंगुल्लेचेर धांवत आयलीं. थंय आसलो बोक्षर गाडयाच्या दोनूय

चाखां मदेकत, ताची गोमटी फुडे पातळिल्ली, तकली उखलुंक लेगित ताचे लागीं जायनाशिल्लें. ताचे दोळे साय आयिल्ल्या हारश्या भशेन दिसताले, ताच्यो कुशी हुमेन बुडिल्ल्यो आनी तांचे वेली ल्हंव बुळबुळीत घामान दाटेल्ली. ताच्या तोंडांतल्यान बारीक रगताचो पाट गळटालो. क्लोवर रोखडीच ताचे कुशीक दिंबयेर पडली.

"बोक्षर!" तिणें रडून विचाल्लें, "तुज्या जिवाक आतां कशें दिसता रे ?"

"तें म्हजें पोपीस गो, पाडेलें," बोक्षरान अशक्त ताळच्यान म्हळें. "कांय पर्वा ना. म्हाका दिसता म्हजे शिवाय तुमचे लागीं तें गिरगिऱ्या-दांतें बांदून करूंक जातलें. जायतो बरो फातर अेकटांय केल्लो आसा. म्हाका तर, कसोय जाल्यार, अेकूच म्हयनो उरिल्लो. तुमकां खरें सांगचें जाल्यार, हांव केन्ना सेवानिवृत्त जातलों ताची वाट पळेतालों. आनी घडये, बेन्जामीनूय म्हजेच भशेन म्हातारो जायत आसा, हांव जाता त्याच वेळार ताकाय सेवानिवृत्त जावंक दितले म्हणपाची आस्त बाळगितां आनी तेन्ना तो म्हाका म्हज्या सांगाताक मेळटलो."

"आमी रोखडीच मदत मागून हाडुंक जाय," क्लोवरीन सांगले. कोणूय तरी धांव मारात आनी हें कितें घडलां तें बोबाटियाक रोखडें सांगात ..."

बोबाटियाक ही खबर दिवचे खातीर सगळ्या मोनजातीनी घरभाटाच्या म्हालघराकडेन धांव माल्ली. फकत क्लोवर ताचे फुडच्यांत रावली आनी तसोच बेन्जामीन, जो बोक्षराच्या कुशीक बशिल्लो आसलो आनी, जाप काडिनासतना, आपले लांब शेंपडे उदेशीं मुसांक आंबडून धावडावन पैस दवरतालो. सुमार पंदरां मिनटां उप्रांत बोबाटियो दिसलो, दुखाभरीत-असो आनी सहानुभुतीन भरिल्लो. ताणें सांगलें कि आपल्या घरभाटांतल्या सगळ्यांत भक्ती-निश्टेवंत वावराड्याक हें दुर्भाग्य घडून आयलें म्हणपाचें कळून आयिल्ल्यान सांगाती नापोल्यांवाक व्हडलें दुःख भोगलां आनी ताचो फावो तो अिलाज जावचो म्हणून ताका व्हरुन विलिंगडन शारांतल्या अिस्पटलांत घालपाची तो तयारी करता. हें आयकून मोनजातींक जबर-शें बरें दिसुंक ना. मोली आनी स्नोबॉल सोडल्यार खंयचेंच जनावर घरभाटांत-ल्यान केन्नाच भायर सरून वचुंक ना. आनी आपलो पिडेस्त सांगाती

मनश्यांच्या हातांत पडचो म्हणपाची येवजण तर तांकां निखालुस बरी लागली ना. तरीय आसतना, बोब्राटियान तांकां सोंपेपणीं पटोवन दिलें कि विलिंगड-नांतलो मोनजातीं-वैज हांगा घरभाटांत जातले ताच्या परस बरे रीतीन बोक्षराचेर फाव ते उपाय-अिलाज घेतलो आसलो. आनी आनीक अेका अर्ध्या वरा उप्रांत, जेन्ना बोक्षर मात्सो बरो-सो जाल्लो दिसतालो, मोटे अडचणीन ताका ताणीं पांयांचेर उबो केलो, आनी तो आपल्या गोठ्या मेरेन खुंटत खुंटत कशेय भाशेन गेलो. थंय क्लोवर आनी बेन्जामीन, हाणीं ताचे खातीर सुक्या-तणाची बेस-बरी बाज्ज तयार केल्ली.

फुडल्या दोन दिसांक बोक्षर आपल्या गोठ्यांतूच रावलो. दुकरांनी ताका गुलाबी रंगाच्या वाखदाची अेक बाटली धाडून दिल्ली जी खंय तांकां न्हाण्येंत आशिल्ले अेके काशींत मेळिल्ली. क्लोवर तें वखद बोक्षराक जेवणा उप्रांत दिसाक दोन फावटीं दिताली. सांजेची ती ताच्या फुडयांत गोठ्यांत आड पडटाली आनी ताचे लागीं उलयताली, जाल्यार बेन्जामीन ताचेवेले मूस आंबडून पैस दवरतालो जें कितें घडलें ताका लागून आपणाक निखालूस खंत भोगली ना म्हणपाचें बोक्षर दाखोंवक सोदतालो. जर तो हांतल्यान बरे भशेन उखलून भलायकेन बरो जालो तर तो आनीक तीन-अेक वसौं जियेतलो म्हणपाची ताका अपेक्षा आसली. आनी तेन्ना त्या व्हडल्या चरवा-मळावेल्या कोनश्याक बसून आपुण सवस्तकायेचे दिस सारतलों म्हणपाच्या फुडारा दिसांची तो उमळशीकेन वाट पळेतालो. पयलेच फावट असो वेळ तांकां गावतलो आसलो, ज्या वेळांत ताका आपली मत सुधारपाक आनी अभ्यास करपाक उसरपत मेळटली आसली. अक्षरांवळीचीं उरिल्लीं बावीस अक्षरां शिकचे खातीर आपलें उल्लां तें जिवीत भेटोवपाची ताची येवजण आसा, अशें तो म्हणटालो.

तरी आसतना बेन्जामीन आनी क्लोवर वावराच्या वरां उप्रांतूच बोक्षरा फुडयांत रावूंक येतालीं. आनी दिसाच्या मदल्या वरांर बोक्षराक भायर व्हरपाक म्हणून अेक मोटरवॅन आयलें. मोनजाती सगळ्यो कामार आसल्यो, दुकरांच्या देखरेखी खाल नाल्लाकोब सांखाळायताल्यो, जेन्ना घरभाटाच्या म्हालघरांकडल्यान व्हडल्या ताळयान बोबाट मारीत धांवत येतल्या बेन्जामीनाक पळोवन तीं अजापान तटाकून पडलीं. पयलेच फावट ताणीं बेन्जामीनाक असो उचंबळ जाल्लो पळेल्लो. खऱ्यांनीच पयलेच फावट असो उडयो मारीत धांविल्लो ताका कोणेंय पळेल्लो. 'बेगीन, 'बेगीन!' तो

बोब हूयेल मारतालो. 'रोखडचा रोखडीं सगळीं येयात! बोक्षराक भायर व्हरतात!' दुकरां कडल्यान हुकूम मेळसर रावनासतना, जनावरांनी आपआपलें काम सोडून दिलें आनी तीं घरभाटाच्या म्हालघरा कडेन धांवत सुटलीं. खरेंच, त्या आंगणांत धांपिल्लें वॅन-मोटर आसलें; दोन घोडे तें ओडटाले, ताच्या कुशींनी कितें तरी बरयल्लें आसलें आनी थंय असोऽऽऽ चोर-कसो दिसतलो अेक मनीस, जाच्या माथ्यार चेपटें-अशें चेपें आशिल्लें, शोफेराचे (ड्रायवेराचे) बसकेर बशिल्लो आसलो. आनी बोक्षराचो गोठो तर रीतो-रिकामो आसलो.

जनावरां वॅन-मोटरा भोंवतणी गर्दी करून जमलीं, 'बरे भशेन वच, बोक्षरा!' तीं सगळीं अेका-ताळयान म्हणूं लागलीं, 'बरे भशेन वच!'

'पिश्यांनो! मूर्खांनो!' बेन्जामीन बोब मारुन ओडुतालो, तांचे भोंवतणी उडणां मारुन आनी आपल्या ल्हान लाटींनी सताप येवून धर्तरी धाडावन, 'पिश्यांनो! त्या वॅनाचे कुशींर कितें बरयलां तें तुमी पुळोंवक नांत, व्हय?'

हें आयकना फुडें मोनजाती अेकदम थंड शांत जाल्यो. आनी सगळ्चो सामक्यो ओग्गी पडल्यो. मुरियेल तीं वॅनाचेर बरयल्लीं उतरां वाचूंक लागले. पुण बेन्जामीनान ताका कुशीक साल्लें आनी त्या मर्णाच्या सारक्या मोवनाच्या वातावरणांत आपणें तांकां कळकळीत ताळयान तें वाचून दाखयलें.

"आल्फ्रेड सिमंदस, घोडयांक-मारपी आनी गोम तयार करपी, विलिंगडन. चांवडें आनी हाडां-खावळ मेळटा. सुण्या-पेटयांचोय पुरवटो करता" हाचो सगळ्याचो अर्थ कितें तो तुमकां समजना, व्हय? बोक्षराक ते घोडे-मारतल्यागेर व्हरतात.'

सगळ्या मोनजाती कडच्यान आकांताची भंयांकृत बोब-हुयेल जाली. ह्याच खिणा शोफेराचे बसकेर आशिल्ल्या मनश्यान आपल्या गाडये-घोडयांचेर चाबूक माल्लें आनी तें वॅन ल्हवान चलून आंगणांतलें भायर सल्लें सगळीं जनावरां व्हडल्यान रडारड करून ताच्या फाटोफाट गेलीं क्लोवर आपुण धांवत फुडें गेली तेन्ना तें वॅन ल्हवू ल्हवू आपलो वेग चडयत गेलें. क्लोवरीन घटमूठ दोंके उबाल्ले आनी उडयो मारीत तिणें वॅना फाटल्यान धांव माल्ली. पुण धांवप जमलें ना. 'बोक्षर!' ती आडुताली. 'बोक्षर, बोक्षर, बोक्षर!'

आनी त्या खिणा, भायर जाल्लो बोवाळ ताच्या कानार पडिल्ले भशेन, बोक्षराचो चेरो, ताच्या नाखा सकला धवी पट्टी मारुन, वॅनाच्या फाटल्या भागांतल्या ल्हान जनेला कडेन दिश्टी पडलो.

'बोक्षर!' आकांताच्या रडकुळचा आवाजान क्लोवरीन म्हळें. 'बोक्षर! भायर सर! रोखडो भायर सर! तुका ते जितो मारुंक व्हरतात!'

सगळ्या मोनजातींनी बोबाट मारपाची धल्ली म्हणून : 'भायर सर, बोक्षर, भायर सर!' पुण वॅन तर आतां वेगान धांवतालें आनी तांचे पसून पैस पैस वेतालें क्लोवरीन कितें सांगलां तें बोक्षर समजला कि ना, ही कोणाक सारकी खबर नाशिल्ली. पुण अेका खिणा उप्रांत ताचो चेरो जनेला कडेन दिसना जालो आनी मागीर वॅन भितर धाडाय–बडय करता ताच्या घडघडाटाचो आवाज आयकुं येवुं लागलो. तो खोंटो मारून आपली भायर सरपाची वाट करूंक सोदतालो. असो अेक काळ आसलो जेन्ना बोक्षराच्या लाटिंच्यो थोडयोच खोंटो पडल्यार वॅन-बिन सामकें फस्का भशेन चुरो जातलें आसलें. पुण कटा कटा! ताची ताकत–घटाय आतां तितली बळीश्ट उल्ली ना; आनी थोडच्याच खीणां उप्रांत धाडायतल्या लाटींचो घडघडाट उणो जायत गेलो आनी आखरेक नांच जालो. निर्शेल्ले अवस्तेंत जनावरां वॅन–ओडटल्या दोगां घोडच्यांक तें वॅन थांबयात म्हणपाचें मागणें करूं लागलीं. 'सांगात्यांनो, सांगात्यांनो!' तीं बोबो–हुयेली मारुन आडुतालीं. 'तुमगेल्याच भावाक तुमी मारून उडोवचे खातीर व्हरुं नाकात!' पुण ती कशीय जाल्यार अन्नाडी मोनजात! कितें घडटा ताची कल्पना करपाक ती चड अज्ञानी जाल्ल्यान, त्या घोडच्यांनी फकत आपले कान फाटीं फडफडले आनी आपली चाल अिल्ली सडसडीत केली. बोक्षराचो चेरो आनीक जनेलार दिसलो ना. चड उसरां कोणें तरी येवजिलें आनी सुचयलें कि फुडें धांवून तो पांच-आडांब्यांचो दारवंटो धांपून घेवचो; पुण आनीक अेका खिणांत तें वॅन त्या दारवंटच्यांतल्यान भायर सल्लें आनी रस्त्या वेल्यान झपझपीत धांवतालें आनी रोखडें नदरे भायर जालें. बोक्षर आनीक केन्नाच दिसलो ना.

तीन दिसां उप्रांत, अशें जाहीर जालें कि बोक्षर विलिंगडन शारां-तल्या अिस्पटलांत भायर पडलो, जरी अेका घोडच्याक फावो तितले ताचे खातीर सगळे परींचें वखद–विर्सद केल्लें. ती खबर हेरां मोनजातीक कळीत करचे खातीर खासा बोबाटियो आयलो. तो सांगुंक लागलो कि आपुण खाश्या

बोक्षराच्या निमाण्यां खीणां हाजीर आसलो.

'खऱ्यांनीच, ह्या आदीं केन्नाच हांवें पळोंवक नाशिल्ली अितली दु:खाभरीत आवतिकाय जाल्ली ताची ! ' बोबाटियो सांगतालो, आपलें दावकूल उखलून आनी अेका दोळ्यांतल्यान दूक गळटालें-शें तें पुसून. 'निमाण्या खिणा मेरेन हांव ताचे बाज्जे म्हऱ्यांत आसलों आनी निमाणे कडेन उलोवपाक तो चड अशक्त जाल्ल्यान ताणें म्हज्या कानांत ल्हवान फुतफुतलें कि गिरगिऱ्या दातें बांदून जांवचे आदीं आपणाक मरण येता, ही आपणाची अेकूच व्हड खंत जावन आसा. "फुडें वचात, सांगात्यांनो !" तो धीरान फुतफुतलो." बंडायेच्या नांवान फुडें वचात. मोनजाती घरभाट सदांच जिवंत उरूं ! सांगाती नापोल्यांवांक चड लांब औख मेळूं. नापोल्यांव सदांच सारकें सांगता." हीं तागेलीं निमाणीं उतरां आसलीं सांगात्यांनो. '

बोबाटियान फुडें म्हळें कि आपणाक अशें कळून आयलां कि बोक्षराक भायर व्हरताले तेन्ना कोणें तरी अेक दुश्ट खबर पातळायल्या. कांय मोनजातींनी पळेल्लें कि बोक्षराक घेवून वेतल्या वॅनाचेर 'घोडयांक मारपी' म्हणून बरयल्लें आसलें. ताका लागून उडयो मारीत, आकांताचो बोवाळ करून, बोक्षराक जीतो मारूंक व्हरतात म्हणपाचो ताणीं निष्कर्श काडिल्लो. आमच्या भितल्लीं खंयची मोनजात हें करपाक अितली अन्नाडी कशी जावंक शक्ता म्हणपाचें कशेंच सत्मानुंक जायनाशिल्लें. खऱ्यांनीच तर सगळीं जाणांत, तो आतां रागान म्हणटालो, आपली शेंपडी फडफडावन आनी हेवटेन तेवटेन उडक्यो मारीत, कि सांगाती नापोल्यांवाक, आमच्या फुडाऱ्याक, ताचे परस बरे अिलाज येवजुंक आयले नांत, व्हय ? पुण हाची फोडणिशी तर सामकी सोंपी. तें वॅन तर आदीं घोडयांक-मारप्याच्या धनीपणाचें, आनी तें मोनजाती-वैजान विकतें घेतिल्लें. त्या वैजान तें आदलें नांव अजून पुसून काडुंक ना. ताका लागून ही समजणींत चूक जाल्ली

हे आयकून जायत्या मोनजातींच्या जिवाक सू दिसलें. आनी जेन्ना बोबाटियो फुडें काणयो सांगत सुटलो, बोक्षराचे मर्णा बाज्जे लागीं घडिल्ल्यो अिल्ल्यान अिल्ल्यो बारीसाणी, तोखणाय-करी-सारके उपाय--अिलाज जे ताचे खातीर घेतिल्ले, म्हारग वखदां जीं, तांची किमत पळेनासतना, नापोल्यांवान फारीग करून ताचे खातीर हाडिल्लीं, मोनजातींच्या मनांत घोळटले निमाणे-अशे दुबाव विरून बिर्गळून गेल्ले; आनी आपलो सांगाती

मेलो म्हणून जाल्ली तांची खंत आनी दुःख अिल्ली तरी व्हड जाल्ली येवजून कि उणेंच म्हळयार तो थोड्या सुखांत तरी मेल्लो.

फुडल्या आयतारा, सकाळीं जातले सभेंत खाश्या नापोल्यांव आयलो आनी ताणें बोक्षराच्या मानाक म्हणून अेक ल्हान-शी प्रार्थना जाहीर केली. दुखेस्त मर्णाक पाविल्ल्या तांच्या सांगात्याचें शव आनी अस्थी परत घरभाटांत हाडुंन पुरुंक शक्य जाल्यो नांत, तो म्हणटालो, पुण तरी आसतना घरभाटांतल्या बागींतल्या लॉरेल फुलांचो अेक मुकुट-झेलो आपणें करुंक लायल्लो आनी तो बोक्षराच्या फोंडार घालपाक धाडिल्लो. आनीक थोड्याच दिसांनी बोक्षराच्या मानाक म्हणून दुकरां ताच्या उगडासा नांवान अेक जेवण-मेजवानी करुंक येवजितालीं. आपलें भाशण सोंपयतना नापोल्यांवान बोक्षराच्या दोन आवडिच्या नाऱ्यांची तांकां सगळ्यांक याद करून दिली. ते आशिल्ले : 'हांव चड मन लावन आनी कश्ट करून वावर करतलों' आनी 'सांगाती नापोल्यांव सदांच सारकें करता.' ताणें फुडें सांगलें कि दर अेका मोनजातीन हे नारे आपल्याचे अशे म्हणून आपणांवचे.

मेजवानी खातीर थारायल्ल्या दिसा, विलिंगडन शारांत सावन पसरकाराचें अेक वॅन आयलें आनी ताणें घरभाटाच्या म्हालघरांत अेक व्हडली लांकडाची काश दिली. ते रातीं थंयसर व्हडल्या ताळ्यान गायिल्लीं आनी बोवाळान केल्लीं कांतरां-पदां आयकुंक येतालीं; ताच्या उप्रांत बरीच लटा-फटीचीं झगडीं चल्ल्यांत म्हणपाची करांदाय सादली. हो बोवाळ कांचेचे कुडके फुट्टात त्या आवाजान रातच्या सुमार अिकरां वरांचेर बडये सोंपलो. दुसरे दिसा दनपार जांवचे आदीं त्या घरांतलो कोणुच हाल्लो ना. आनी अश्यो खबरो जाल्यो कि आपणा खातीर आनीक अेक व्हिस्की सोऱ्याची काश घेवपाक म्हणून दुकरांनी खंयच्यान तरी दुडू अेकटांय करून हाडिल्ले-

आवेस्वर–10

साबार वर्सां बलांडून गेलीं. रुतू आयले, रुतू गेले. मोनजातींचीं मोटवीं जिवीतां धांवत सोंपत गेलीं. असो एक काळ आयलो जेन्ना बंडायेच्या आदल्या दिसांची याद आशिल्लो घरभाटांत कोणूच उल्लो ना भायरावन क्लोवर, बेन्जामीन, मोजेस कावळो आनी कितलींशींच दुकरां, अितलींच.

मुरियेल मरुन गेल्ली; ब्लूबेल, जेस्सी आनी पिंचर हांय मरून गेल्लीं. जोन्सूय मरून गेल्लो खंय– देसाच्या दुसऱ्या एका भागांत तो बेबदया–सुरांडयां घरांत मेल्लो. स्नोबॉलाच्या खबरेचो कोणाक उगडास उल्लो ना. बोक्षराक चडशे विसरिल्ले भायरावन थोडेच जे ताका लागशिल्ल्यांन वळखताले. क्लोवर आतां जाण्टी जड–मोटी घोडी जाल्ली, तिचे सांधे निबर–वानड जाल्ले, आनी तिचे दोळे साय येवून उदकाळे जाल्ले. सेवानिवृत्तीची पिराय जावन दोन वर्सां जाल्लीं खरीं पुण खरे म्हळयार खयचीच मोनजात सेवानिवृत्त म्हणून जाली ना. सेवानिवृत्त जाल्ल्यां मोनजातीं खातीर राखून दवरिल्लो चरवा मळा वेलो एक कोनसो आसलो ताची खबर उलोवपाचो सोडून दिल्ल्याक जायतो तेंप जाल्लो. नापोल्यांव आतां जाण्टो पिकिल्लो देडशें वयर किलो वजनाचो रान–दुकर जाल्लो. बोबाटियो आतां अितलो मातून मोटो जाल्लो कि ताचे दोळे सामके पुरुन गेल्ले आनी मोटे अडचणींन ताका दिश्टी पडटालें. फक्त जाण्टो बेन्जामीन आपलो सदां भशेन तेच स्थितींत आसलो. ताच्या संडा भोंवतणी मात अिरलो गोबराचो रंग येवून ची ल्हंवकर पिकिल्ली दिसताली, आनी बोक्षर मेल्ल्याक तो आदले परस चड जडाविल्ले भाशेन आनी कोणाक मिटी फोडीनासतना मोनेपणान वागतालो.

आतां घरभाटांत आनीक जायते प्राणी आशिल्ले,जरी आदल्या वर्सांनी अपेक्षा केल्ली तितली चड वाढ जांवक नासली. जायतीं जनावरीं जल्माक आयिल्ली जांका ती बंडाय म्हळयार परंपरेच्चें व्हय न्हंयशें फकत अेक जोगूल जाल्ले भाशेन आसलें, जी खबर अेकाच्या तोंडांतल्यान दुसऱ्याच्या कानांत वचून फुडें गेल्ली. आनीक हेरां जनावरांक थंय विकतीं घेवून हाडिल्लीं जाणीं हांगा येवचे आदीं तसली खबर केन्नाच आयकूंक नाशिल्ली. क्लोवेरी भायर आतां घरभाटांत तीन घोडे आशिल्ले. ते सोबीत, नीट उबे रावपी घोडे आसले, खोश्येन वावर करपी आनी बरे सांगाती, पुण सामके अन्नाडी. बोक्षरान शिकून घेतिल्लें त्या पेल्यान तांच्यांतल्या अेकल्याकय जमलें. ना. बंडाये विशीं तांकां जें कितें सांगलें तें ताणीं सोल सैत घाबलें. तशीच मोनजातीदा नेमांवळ ते चड करुन क्लोवरी कडल्यान शिकले. तिका त पुत जसा आवयक मान दिता तसो दिताले. पुण तांतलें तांकां कितलेंशें समजल्लें ताचो तर दुबावूच आशिल्लो.

आतां घरभाट चड प्रगतीशील अशें दिसतालें आनी जायतें बरें संघटीत जाल्ले. पिलांकिंगटना कडल्यांन घेतिल्ल्या दोन शेतां वरवीं आतां ताचो आवांठ वाडोवन लेगित घेतिल्लो. निमाणेकडेन गिरगिऱ्या दांते यशस्वीपणान बांदून जाल्लें, आनी घरभाटाच्या धनीपणाचें आतां मळणेंचे यंत्र आनी सुकें-तण उखलून व्हरपाचें खासा स्वताचें यंत्र आशिल्लें, आनी ताका साबार नव्यो अमारती बांदून जोडिल्यो. व्हिंपरान आपल्या खातीर सुण्यांनी ओडिल्लो गाडो घेतिल्लो. पुण तरी आसतना गिरगिऱ्या दांतें अजून बिजली तयार करपाच्या कामांत उपकारांवक नाशिल्लें. तें धान्या-गोठो दळचे खातीर उपकारायल्लें आनी दुडवांच्यो कचकचीत नोटी भरुन फायदो हाडटालें. आनीक अेक गिरगिऱ्या दातें बांदपाच्या वावरांत खरायेन जनावरां काम करतालीं; जेन्ना तें बांदून जातलें आसलें तेन्ना, अशें म्हणटालीं, थंय बिजली तयार करपाचो डायनमो बसयतले आसले. पुण मौजे चैनीच्यो गजाली ज्यो स्नोबॉलान तांकां अेकदां सपनेंवक शिकयल्ल्यो ते विशीं तर आतां कोणूच उलयनाशिल्लो. त्यो कल्पना मोनजातीवादा आड आसात म्हणपाचें नापोल्यां-वान तांकां दूशण दिल्लें. खरेले सूख, ताणे सांगिल्लें, मन लावन कश्टांचो वावर करपांत आनी सांबाळून अिल्लें अिल्लें जेवण खाण खावन जियेवपांत आसा.

कशेंय जाल्यार, अशें दिसतालें कि घरभाट ताण गिरेस्त-श्रीमंत जाल्लें पुण जनावरांक ताणें व्हडलींशीं गिरेस्त करूंक नाशिल्लीं, भायरावन, खरें पळोंवक गेल्यार, दुकरांक आनी सुण्यांक. घडये थोडया भोव ह्याच कारणाक लागून

र्थय अितली दुकरां आनी कितलींशींच सुणीं आसलीं. आपआपले परीन हे प्राणी काम करीनाशिल्ले अशें तर, निखालूस न्हय! जसो बोबाटियो म्हणत आसलो, थकून पडसर फोडणिशी करीत आसलो,कि फकत देखरेख करपांत आनी घरभाटाच्या संघटनेचे काम करपांत जायतो वावर लागतालो. हांतलो चडसो वावर अशे तरेचो जो चडश्या मोनजातींच्या लक्षांत येनाशिल्लो,त्यो अज्ञानी जाल्ल्यान. देखीक, बोबाटियान तांकां सांगले, दिसपट्टी दुकरांनी कांय गुडार्थ-अश्या गजालींचेर जांकां फायल्स, रिपोर्ट्स, मिनिट्स, आनी मेमोरंडा म्हणटात असो जायतो वावर करचो पडयालो. जायत्यो व्हडल्यो फोली आसल्यो जांचेर बारीक बरोवन त्यो भरुन हाडूंक जाय आसल्यो आनी त्यो अश्यो भल्ल्या उप्रात, त्यो उज्याचे भट्टींत उडयताले. हें सगळें घरभाटाच्या बरेपणा खातीर चड महत्वाचें आशिल्लें, बोबाटियान विस्वासान कळीत केलें. पुण कशेंय आसू, सुणीं तशीं दुकरां आपल्या स्वताच्या प्रयत्नांनी वो वावरान जेवणाचें तरी कांय अेक उत्पन्न करीनासलीं. अशीं आनीक कितलींशींच जनावरां आसलीं, पुण तांचीं तोंडां आनी रुची तर सदांच खतखतीत, बऱ्यो आसल्यो.

हेरांचें सांगचें जाल्यार, तांचें जीविन जशीं तीं आतां मेरेन जियेवन आयिल्लीं तेच भशेन, कांय अेक फरक नासतना, चलतालें. तीं चडशीं भुकेन वळवळून आसतालीं, सुक्यातणाचेर हिन्दतालीं, त्या उदका-वोंडयांतलें तीं पियेतालीं, शेतांत कश्ट करतालीं, हिंवटे-शियां दिसांनी थंडीयेक लागून तांका भोव त्रास जाताले, आनी गिमाळयांत तांकां मूस-झळारी सतायताल्यो. तांतलीं जाण्टेलीं जनावरां केन्ना-केन्नांय आपल्या उगडासांतलीं व्हय-न्हयशीं पोन्नीं पानां उस्तीतालीं, आनी जोन्साक घरभाटांतल्यान धांवडायल्या उप्रांत, रोखडेंच, बंडायेच्या पयल्या-वयल्यां दिसांनी परिस्थिती आयचे परस बरी कि वायट आशिल्ली, हाचेर निर्णय घेवपाक प्रयत्न करतालीं. तांकां व्हडलीशी विचिरकाय उल्ली ना. तांचे लागी कांयच जोख नाशिल्ले भायरावन बोबाटियान सांगिल्ल्यो आंखडयांच्यो वळेरी ज्यो चड करुन फुगोवन दाखोवन दिताल्यो कि दिसानदीस सगळें बरें आनी चड बरें जायत वेतालें. हें कुवाडें सोडोवचें अशें मोनजातींक दिसनासलें. कशेंय आसू, असल्या गजालीचेर पैज मांडचें म्हळ्यार तांचे लागीं भोव थोडो आयतो उसरपाति वेळ आसलो. फकत जाण्टो बेंजामीन आपल्या लांबदोक जिविताची आपणाक दर-अेक बारीकसाणीची याद आसा म्हणून सांगतालो. आतां आसा ते परस चड बऱ्यो वो चड वायट गजाली केन्नाच हया आदीं जांवक नांत वो हया फुडें केन्ना जांवच्योनांत, तो आपुण जाणा म्हणटालो, कित्याक भूक, त्रास आनी निर्शेणी आसची, हो

जिविताचो बदलूं नज अमो कायदो-नेम जावन आसा.

तरीय आसतना मोनजातींनी केन्नाच आस्त सोडली ना. ताचे घरसूय चड म्हळयार, आपुण मोनजाती घरभाटा वांगडी जाल्ल्यान आपलो भोवमान आनी खाशेलो जागो आसा म्हणचें तांच्या लक्षांतलें केन्नाच, अेका खिणाक लेगित, उडलें ना. आख्ख्या जिल्ल्यात-आख्ख्या अिंगलंड देसांत-तें आसलें. अेकूच घरभाट जें मोनजातीच्या धनीपणाचें आसलें आनी ताणीच चलयल्लें. तांतलें अेकले लेगित, तांतलें सगळयांत सुपुल्लें ल्हान पसून, धावो वीस मैलांच्या अंतरा पैस सावन हाडिल्लीं नवीं जनावरां लेगित, केन्नाच हे गजाली विशीं अजाप दाखयल्ले शिवाय रावनाशिल्लीं. आनी जेन्ना तीं नाळी फार सोडटना आयकतालीं आनी माडयेचेर पांचवो बावटो फडफडटालो तो पळेतालीं,तेन्ना तांचीं काळजां केन्नाच नाश जावचो ना तसल्या अभिमानान फुलून येतालीं. तेन्ना तांच्यो गजालीं आदल्या त्या वीरकायेच्या दिसांकडेन वळटाल्यो, जोन्साक कसो धांवडावन उडयलो, सात उपदेस कशे बरयले, आकांताचीं झुजां जांतूंत चूरी-घालूंक येवपी मनश्यांचो कसो पराभव केल्लो.आदल्या सपनांतले खंयचेच अेक सपन लेगित सोडून दिवूंक नाशिल्ले, त्या व्हडल्यान फुडार पारखून सांगितलें तें मोनजातो लोकराज्य जेन्ना अिंगलंडच्या पांचव्या शेतांचेर मनश्यांचीं पावलां पडचीं ना, तांतूंत ती अजूनूय सत्मानतालीं, केन्नाय अेक दिस तें येतलेंच आसलें. तें घडये बेगीन येत नाशिल्लें, घडये आयज जियेतल्या अेका मोनजातीच्या जिवितांत येवपाचें नाशिल्ले, पुण तरी आसतना तें येतलेंच आसलें. 'अिंग्लंडची मोनजात'ही सूर लेगित तीं गुपीतपणी हांगा-थंय गुणगणटालीं. कशेंय आसूं, अेक तर खरी गजाल आसली कि घरभाटांतली प्रत्येक मोनजात तें पद जाणा आशिल्ली, जरी ते व्हडल्यान गावपाक कोणूच धाडजनाशिल्लो. तांचें जीवित भोव कठीन आसलें जांवये आनी सगळयो तांच्यो आशा-आकांक्षा पुरायेन भागल्यो नांत जांवये; पुण तांकां भोवूच खबर आसली कि तीं हेरां मोनजातीं भशेन न्हयत. जर तीं उपाशीं उल्लीं जाल्यार जुलूमदारी मनश्यांक खावयल्ल्या करणांक न्हय; जर तीं चड कश्ट करून वावर करतालीं. जाल्यार उगें म्हळयार ती आपल्याच खातीर वावर करताली तांच्या भितल्ले खंयचेंच प्राणी दोन पायांचेर चलनासलें. खंयचेंत्र प्राणी हेर प्राण्यांक 'धनी-बाब' म्हण-नासलें. सगळी मोनजात अेकसारकी आसली.

गिमाळयाच्या पयल्या-वयल्या अेका दिसा बोबाटियान मेंड्यांक-शेळयांक आपले फाटोफाट येंयात म्हण रचें फर्मायलें आनी तांकां घरभाटाच्या

दुसऱ्या तोंकाक आसतल्या पडांग जमनीच्या कुण्याकडेन व्हेली. तो कुणगो बर्च झाडांच्या रोंगुल्यांनी वाडून मातून आयिल्लो. थंय मेडऱ्यांनी शेळयांनी आख्खो दिस साल्लो आनी बोबाटियाचे देखरेखी खाल तीं पाना पालो चाबडायत रावलीं. सांज पडटा म्हळयार बोबाटियो आपुण घराभाटाकडेन परतलो, पुण भायर उबेची हवा आशिल्ल्यान ताणे मेंडऱ्या शेळयांक आसात थंय रावात म्हणपाचें सांगलें. तीं तर थंयच एक आख्खे सातोळो भर उल्लीं, जितलोय काळ हेरां मोनजतींक तांचो पत्तोच लागलो ना. दर–एका दिसा चडश्या वेळार बोबाटियो ताचव्यच वांगडा आसतालो. आपुण तांकां एक नवें पद शिकयतां, तो म्हणटालो, जाका लागून सामको एकांत जाय आनी कोणाची मिजगत उपकारना.

मेंडरे-शेळयो निकत्योच परत्यो घरभाटांत आयिल्ल्यो. सांजवेळ भोव शितळ वाऱ्याची आसली. मोनजाती आपआपलीं कामां करून घरभाटाच्या अिमारतीं वटेन आपली वाट तांकताल्यो. त्या वेळार आंगणांतल्यान एका घोडयाचें आकांताळे रडणें आयकूंक येवंु लागलें. अजापान तटाकून पडिल्ल्यान जनावरां थंयचे थंयच थांबलीं. तो ताळो तर क्लोवरीचो आसलो. ती परती हांबेंवक–रेंकावक लागली, आनी सगळीं जनावरां उडयो मारीत धांव मारून आंगणांत गेलीं. तेन्ना क्लोवरीन पळेल्लें तें सगींय पळेलें.

तें प्रकरण म्हळयार एक दुकर आपल्या फाटल्या पांयांनी उबो रावून चलतालो.

व्हय. खऱ्यांनीच तो बोबाटियो आशिल्लो. थोडो खांकडून खरो, जसो काय ते स्थितींत आपलें दाटें मोटें आंग–पांग सांबाळुन घेवपाक फावो तितली ताका संवय नाशिल्ले भशेन, पुण आपलो संपूर्ण समतोल राखून तो आंगणांतल्यान पासय मारतालो. आनी एका खिणा उप्रांत, म्हालघराच्या दारांतल्यान भायर सरून दुकरांची एक व्हडली रांग आयली. ते सगळे फाटऱ्या पांयांनी उब्रयां चलताले. कांय जाण हेरां परस बरे भशेन चालताले, तांतलो एका–दुकलो तोल सांबाळपाक मात्सो लंवडतालो आनी अशें दिसतालें कि तांकां धरून एका रोताचो (दांडयाचो)आदार जाय-सो, पुण तांतल्या दर एकल्यान आंगणाचो पुराय भोंवाडो यशस्वीपणीं माल्लो. आनी निमाणे कडेन सुणीं आकांताच्च्या बोवाळान भोंक–भोंकली आनी काळया कोंबल्याचो साद आयकूंक आयलो आनी तेन्ना स्वता नापोलयांव भायर सरून आयलो, राजा

भशेन थाटा-माटान नीट उबो, हेवटेंन तेवटेन गर्वीश्ट नदर उडोवन, आनी तागेलीं सुणीं ताचे भोंवतणी खेळत मिरयत येंतालीं.

तो आपल्या दावकुलांत अेक चाबुक घेवून चलतालो.

मर्णाचें-अशें मोवन पडिल्लें. तटाकून पडिल्ल्यान, भिरांतीन कांपरेल्ल्या अेकामेकाक तेंकून जमिल्ल्या जनावरांनी आंगणांक ल्हवान भोंवाडो मारीत मार्च करतल्या दुकरांची लांबदीक रांग पळोवन घेतली. अशें दिसतालें कि हो संवसार आरतो-परतो जाल्लो. मागीर असो अेक वेळ आयलो जेन्ना तांकां तो पयलो धक्को बशिल्लो ताचो प्रभाव अिल्लो ल्हव उणो जाल्लो, जेन्ना तीं कितेंय जालें जाल्यार, तांकां सुण्यांची भयंकर भिरांत दिसता आसतनाय, आनी कितेंय घडलें जाल्यार केन्नाच तक्रार करपाची ना, टिका करपाची ना, अशी कितल्याश्याच लांब वर्सांनी तयार केल्ली संवंय आसतनाय, तरीय निशेदाचीं कांय उतरां तरी पर्गटायतलीं आसलीं. पुण जिस्तूच त्या वेळार, तांकां अेक खुणा केल्ली तिका पाळो दिल्ले भशेन, सगळचा मेंडऱ्यां-शेळयांनी आकांताच्या आवाजान रडणें सुरू केलें अशें : चार पांय बरे गा, दोन पांय ताचे परस बरे ! चार पांय बरे गा, दोन पांय ताचे परस बरे ! ”

ते अशेच पांच-अेक मिनिट थांबनासतना रडत रावले. आनी जेन्ना ते मेंडरे थांबत आयलें, कोणूय निशेद मारतलो म्हळचार ती संद ताचे कडल्यान गेल्ली कित्याक तितले म्हणसर सगळीं दुकरां मार्च करून परतीं म्हालघरा -भितर पाविल्लीं.

बेन्जामीनाक आपल्या खांदयाकडेन कोणाचें तरी नाख धोंसता अशें दिसलें. ताणे वळून पळेलें. ती म्हळचार क्लोवर आशिल्ली. तिचे जाण्टे दोळे आदीं दिसताले त्या परस कितलेशेच बावते व्हय-न्हय-शे जाल्ले. कांय अेक म्हणनासतना, तिणें ताचे मानेक धरून मंदतायेन ताका ओडलो आनी जंय सात उपदेस बरयल्ले आसले थंय व्हडल्या कडचाच्या तोंकाक ताका अेक भोंवाडो मारुन व्हेलो. अेक-दोन मिनिट तीं थंय उबी रावलीं आनी धव्या अक्षरांनी बरयल्ल्या दामरायल्ल्या वण्टी कडेन तीं कोरा करून पळोंवक लागलीं.

'म्हज्या दोळयांक आतां बरें दिसना', तिणें निमाणे कडेन म्हळें :

'हांव तन्नीं आसतना लेगित जें थंय बरयल्लें आसलें तें म्हज्यान बरे भशेनें वाचुंक जायनाशिल्लें. पुण म्हाका तरी दिसता ते वण्टीर बरयल्लें आसा तें तेन्ना वेगळे भशेन दिसतालें. बेन्जामींना, ते सात उपदेस आदीं आशिल्ले तशेच आसात रे, व्हय ? '.

ह्या वेळार तर बेन्जामीन आपणें आपणाकूच घाल्लो कायदो मोडपाक कबूल जालो, आनी वण्टीर बरयल्लें आसलें तें ताणें तिका वाचून दाखयलें. तें अशें आसलें :

सगळयो मोनजाती अेकसारक्यो
पुण कांय मोनजाती हेरां परस
चड अेकसारक्यो जावन आसात.

ह्याच्या उप्रांत तर कितेंच आथवें वो विचित्र अशें दिसलें ना जेन्ना फुडल्या दिसा घरभाटांतल्या वावराची देखरेख करतलीं सगळीं दुकरां आपल्या दावकुलांनी चाबकां घेवून आसलीं. दुकरांनी आपल्या खातीर अेक बिन-तार (वायरलेस) सेट विकतो घेतिल्लो, टेलेफोन बसोवपाक तयार करतालीं, आनी 'जोन बुल', 'टिट-बिट्स' आनी 'डॅली मिरर' ह्या नेमाळयांचे खातीर ताणीं वर्गणी भरिल्ली. हें सगळें कळळें म्हणून कांय आथवेंच दिसनासलें. जेन्ना नापोल्यांव तोंडांत गुड-गुडी-पायप ओडीत घरभाटाच्या बागींतल्यान पासय मारतालो तो दिसलो, तेन्ना तें कोणाक विचित्र अशें दिसलें ना. जेन्ना जोन्स-बाबाचें आंगाचें आरमारींतल्यान काडून तें दुकरां न्हेसलीं, नापोल्यांव आपुण काळया कोटांत, हुंदीर-धरतल्या टायट कालसांवान आनी चांबडयाच्या मोच्यांनी न्हेशिल्लो, आनी ताच्या आवडिची बायल दुकर उदकान-बुडयल्ल्या अश्या रेशमी विस्तीदान, जो जोन्साची बायल आयताराची न्हेसताली, अशी दिसली, तर तेन्ना लेगित कोणाक विचित्र अशें दिसलें ना.

अेका सातोळया उप्रांत, दनपारां जातलीं, सुण्यांनी-ओडिल्ले जायतें गाडे घरभाटांत आयिल्ले दिसले. शेजारच्या शेतकामत्यांच्या अेका शिश्ट मंडलान येवून घरभाटाची पळोवणीं करची म्हणपाचो खंय तांकां आपोवणो धाडिल्लो. तांकां घरभाटांतल्या सगळया दिकांनी दाखोवंक व्हेले आनी सगळें जें ताणीं पळेलें ताची ताणीं व्हडा खोश्येन तोखणाय केली, चड करून

गिरगिऱ्या-दांत्याची. नाल्ला-कोबाच्या पोरसांत मोनजाती नंडगी कडटाल्यो. त्यो मन लांबन वाबर करताल्यो, जमनीवेलें तोंड वयर काडिनासतना लेगित, आनी तांकां चड भिरांत डुकरांची दिसताली वो त्या भेट-दिवपाक आयिल्ल्या मनश्यांची, हेंच तांकां बाबड्यांक कळनाशिल्लें.

ते सांजे मोठ्या आवाजान पोट फुटसर खळखळटलो हांसो आनी गावपाची करांदाय घरभाटांतल्यान गाजत आयली. आनी अकस्मात, अेकामेकाक मिसळ जाल्ले ताळे असो आवाज आयकून, कितें जालां तर काय म्हणून पळोवन घेवपाची मोनजातींक उमळशीक लागली. आतां जेन्ना मोनजात आनी मनीस पयलेच फावट अेकसारकेपणाचे पातळिचेर अेकामेकाक मेळटालीं, तेन्ना थंय भितर तर कितें घडटा जायत काय, हें पळोवंक सगळीं अेकाच फाराक कबूल जाल्ल्यान, तांकता तितले सवकासायेन आवाज करीनासतना, तीं घरभाटाच्या बागींत अेका फाटल्यान अेक भितर वचूंक लागलीं.

दारवंटया कडेन पावना फुडें तीं मात्शीं रावलीं, फुडें चांट मारपाक अर्दीं-भियेल्लीं अशीं, पुण क्लोवर तांकां घेवन फुडें सल्ली. तीं ल्हवान पांयांचो आवाज करीनासतना म्हालघराकडेन गेलीं आनी तांतल्या उंच आशिल्ल्या जनावरांनी तकली वयर काडून जेवणा-कुडीच्या जनेलांतल्यान घरा भितर नदर माल्लो. पळे जाल्यार, थंय त्या व्हडल्या लांबदीक मेजा भोंवतणी, अर्दी-दूझ (स) शेतकामती आनी अर्दी दूझ व्हडले-शे डुकर बशिल्ले आसले; मेजा-माथ्यावेल्या तोंकाक नापोल्यांव स्वता मानाची सुवात आडायतालो. त्या आप-आपल्या कदेलांचेर ते डुकर सामके सूरत बशिल्ले आसले. ते सगळे अिस्पिकांचो (Cards) खेळ खेळून मौज मारताले, पुण साऊद करून सोरो पिवपा खातीर अेका खिणा ते बंद जाल्ले, अशें दिसतालें. व्हडलें अेक जग अेकामेकाकडेन मेजार दिताले आनी सगळ्यांचीं मगां परतीं बियेरान भरिल्लीं दिश्टी पडटालीं. जनेलांतल्यान भितर पळोवन अजापून गेल्ल्या जनावरांचीं तोंडां तर कोणाच्याच नदरेक पडलीं नांत.

आपलें मग हातांत घेवन फोक्षवूड घरभाटांतलो पिल्किंगटन-बाब उबो राविल्लो. थोडयाच वेळान, ताणें म्हळें, आपुण हांगा जमिल्ल्यां सगळ्यांनी साऊद करून हो सोरो पियेवचो म्हणपाचें तांचे लागीं मागतलो आसलों. पुण तें करचे पयलीं थोडीं उतरां अशीं आसलीं जीं ताणें उलोंवचीं अशें ताका गरजेचें दिसतालें.

व्हड सुखा–समाधानाची अेक गजाल म्हळयार, तो म्हणटालो, ताका खोस भागताली–आनी, हाजीर आशिल्ल्यांकूय तशेंच दिसतलें म्हणपाची ताका खात्री आसली – कि तांचे मदेकत अितलो लांब काळ वसतल्या गैरसमजाचो आनी अविस्वासाचो काळ तर आतां सोंपून आयिल्लो. असो अेक काळ आसलो-तो आपुण वो हांगा आशिल्ल्यांत कोणूय तसल्यो भावना बाळगितालो अशें तर निखालुस न्हय – पुण असो अेक काळ तेन्ना आसलो जेन्ना मोनजाती घरभाटाच्या मानादीक धनयांक तांचे मनीस-शेजारी, आपुण दुस्मानकायेन म्हणचो नासलों, पुण घडये थोडचा भोव अविस्वासान पळेताले. दुदैवाच्यो कांय घडण्यो घडून आयिल्ल्यो, कांय चुकिच्यो कल्पना अेक वेळ वसताल्यो. कांय लोकांक अशें दिशिल्लें कि दुकरांच्या धनिपणाचें आनी ताणींच चलयल्लें घरभाट कशें तरी सबावीक न्हय, सामान्या भायलें आसलें आनी अशें आसून शेजारच्या कुळांचेर ताचो वायट घडघडावपी परिणाम जांव येतालो. जायत्या शेतकाऱ्यांनी सुमार केल्लो, फावो ती चवकशी करीनासतना, कि असल्या घरभाटांत तर सामकें उगतें मेकळिकेचें आनी बेशिस्तीचें वातावरण चड वसतलें आसलें. हाचो परिणाम आपल्याच्या जनावरांचेर जायत वो आपल्या मनीस–चाकर--मानायांचेर लेगित कितलो जायत म्हणपाचें येवजून ते सामके घाबरुन गेल्ले. पुण ते विशीं सगळे दुबाव आतां ना–नपश्यात जावन गेल्ले. आयज स्वता आपुण आनी आपणाच्या अिश्टांनी मोनजाती–घरभाटाक भेट दिवन आपल्या खाशेल्या दोळयांनी तांतली अेकान अेक अींच जमीन आनी वस्तु पळोवन तपासून घेतिल्ली आनी तांकां कितें गा मेळ्ळें? सगळयांत आधुनीक अश्यो पद्धतीच न्हय तर येदी-व्हड शीस्त आनी सु–वेवस्ता जी सगळेकडच्या शेतकाऱ्यांक देखदिणी जावन आसली. मोनजाती–घरभाटांतली सकयले जातीची मोनजात त्या जिल्ल्यांतल्या खंयच्याय मोनजाती परस चड वावर करताली आनी तांच्या परस उणें जेवण खाण खाताली, अशें मानपांत आपणाक तर सारकें दिसतालें. खरें म्हळयार, ताणें आनी ताच्या वांगडा भेटेक आयिल्ल्यांनी घरभाटांत जायत्यो बऱ्यो गजाली पळेल्ल्यो ज्यो आप–आपल्या घरभाटांनी रोखडचोच वेव्हारांत हाडपाक ते गंभीरतायेन येवजीताले.

मोनजाती–घरभाटा आनी ताच्या शेजाऱ्यां मदेकत ज्यो अिश्टागतीच्यो भावना आशिल्ल्यो आनी जश्यो त्यो आसूंक जायच, तांचेर आनीक अेक फावट भर दिवन आपुण, तो म्हणटालो, आपलीं हीं कांय उतरां सोंपयतां. दुकरां आनी मनश्यां मदेकत कसलींच आवडी-निवडीचीं केस्तांवां झगडीं

नाशिल्लीं आनी तशीं तीं आसुंकूय फावनांत. तांच्यो धडपडी-खटपटी, संघर्श आनी अडचणी अेकेच भाशेच्यो आसल्यो. वावराडयांचो प्रस्न तर सगळेकडेन अेकूच नाशिल्लो, व्हय? हांगा पावतकूच अशें दिसतालें कि पिल्किंगटन-बाब जतनायेन तयार करुन हाडिल्ली, विनोदी अशी गजाल हाजीर आशिल्ल्यांचेर उडोंवक सोदतालो पुण खिण-भर खोशाल-मौजेन अितलो भारावन आयिल्ल्यान ती उच्चारपाक ताका उतरां सुटलीं नांत. जायतो चेपून-फुगार जावन, जेदे वेळार ताच्यो साबार खाडकयो जांबळया रंगाच्यो जाल्ल्यो, ताणें निमाणें कडेन कशेंय करुन अशें भायर काडलें: 'तुमचे लागीं तर तुमकां फुडो करतल्यो मोनजाती आसात' ताणें म्हळें, 'जाल्यार आमचे लागीं आमकां फुडो करतल्यो आमगेल्यो सकयल्यो जाती आसात!' मुदयेर थीक कशी ही उतरां मांडावळ म्हणना फुडें मेज-भर बशिल्ले सगळे जाण पोट-फुटसर खळखळयांनी हांसले; आनी मोनजाती घटभाटांत आपणांक दिश्टी पडिल्लें उणें जेवणा-खाणा रेशन, लांबदीक वावरा वेळ आनी कोणाचेच लाग करीनासतना दिल्ली वागणूक, हाका लागून पिल्किंगटन बाबान आनीक अेकदां दुकरांक आपलीं आपलेपणाचीं हुनहुनीत परबीं दिलीं.

आनी आतां, ताणें निमाणेकडेन म्हळें, हांगा हाजीर आशिल्ल्या सगळयांनी उठचें आनी आप-आपले सोऱ्या-ग्लास भरिल्ले आसात म्हणापाची ताणीं खात्री करची, अशें ताणें तांचे लागीं मागलें. 'सज्जनांनो,' पिल्किंगटन बाबान अशें सोंपयलें, 'सज्ज्नांनो, तुमकां साऊद करपाक हांव अेक नवें उतर दितां : मोनजाती घरभाटाच्या भरभराटी खातीर.'

हें म्हणना फुडें सगळयांनी उर्बेन आनी उत्साहान 'वीवा' म्हळें आनी हात पांय धाडायले. नापोल्यांव अितलो भारावन धादोशी जालो कि ताणें आपलो जागो सोडलो आनी आपल्याचें सोऱ्याचें मग पियेवन सोंपोंवचे आदीं मेजा भोंवतणी येवन तें मग पिल्किंगटन-बाबाच्या मगाक तेंकयलें. जेन्ना वीवांचो बोवाळ सोंपलो, तेन्ना उबोच राविल्ल्या नापोल्यांवान कळीत केलें कि आपणाकूय थोडीं भोव उतरां सांगपाचीं आसात.

नापोल्यांवाच्या सगळयां भाशणां भशेन, तें भाशण ल्हान-सानूच आनी गरजे-मुद्द्याक धरुन आसलें. ताणें म्हळें कि हो गैरसमजाचो काळ तर सोंपून आयिल्ल्यान आपुण तर भोव खोशी जालों. आतां जायतो काळ पसून अश्यो खबरो जाल्ल्यो - खंयच्या तरी पाडया दुस्मानान त्यो पसरायल्ल्यो

जांवक जाय, ताका तशें दिसपाक कारण आशिल्लें – कि आपणाचे आनी आपल्या वांगडयांचे जिणे कडेन पळोवपाचे नदरेन कितें तरी वायट–करपाचें आनी क्रांतीकारी लेगित आशिल्लें. शेजारच्या घरभाटांतल्या जनावरां मदीं बंडाय उप्रासावपाक आपूण प्रयत्न करतां म्हणपाचें आपल्याक श्रेय दिताले. खऱ्या–सत्या पैस-पेल्यान तर हाचे अितली फटींग गजालूच नाशिल्ली. आयज जशी फाटल्या काळांत, आपल्या शेजाऱ्यां लागीं सामान्य वेव्हार करून आनी सवस्तकायेन जियेवपाची ताची अेकली–अेकूच अित्सा आसली. हें घरभाट. जें चलोवपाचो भोवमान आपणाक आशिल्लो, ताणें फुडें म्हळें, तें तर सगळयांच्या सहकार्यान उबारिल्लो उद्योग. घरभाटाच्या धनीपणाचे दाखले जे ताच्या स्वताच्या ताब्यांत आशिल्ले, ते तर जोड रीतीन सगळयां दुकरांच्या रासवळ मालकीचे.

आपुण मानीना, ताणें म्हळें, कि आदीं आशिल्ले तांतले खंयचेय दुबाव अजून उरल्यात, पुण घरभाटाच्या वावरावळींत हालींच कांय बदल करून हाडिल्ले आसात, जांकां लागून आमच्यांत तुमीं अदीक विस्वास दवरचे नदरेन भोवूच फायद्याक पडटलें आसलें. घरभाटांतल्या जनावरां मदीं अेकामेकांक 'सांगाती' म्हणून हटकुपाची पिश्यांची–अशी आतां मेरेन अेक चाल आसली. ती चाल आतां रद्द करतले आसले. आनीक अेक आथवी विचित्र चाल आसली, ती कशी सुरू जाली तें कोणूच नकळ. ती म्हळचार बागींत पुरुन आशिल्ले माडचेक खिळायल्ल्या दुकराच्या अेका कट्टयाच्या फुडयांतल्यान दर आयतारा सकाळीं सगळीं जनावरां मार्च करून वचपाची. हाय चाल नाकारुन उडोवपाचे आसले आनी तें कट्टें तर आदींच पूरुन उडयल्लें. माडयेच्या माथ्यावेल्यान फडफडटलो पांचवो बावटोय आपल्याक भेट दिवंक येवपी मनश्यांनी पळेला जातलो. तशें ताणीं पळेलां जाल्यार, तांचे नदरेक येतलें आसलें कि ताचेर चित्रायल्ली धवी लाट आनी शींग आतां काडून उडयल्लीं आसलीं. आयच्यान ह्या फुडें तें फकत निखटें पांचवें बन्देर (बावटो) उरतलें आसलें.

ताणें म्हळें कि पिलकिंगटन–बाबाच्या उत्तम आनी बऱ्या–शेजार–पणाच्या भाशणाची आपणाक अेकूच टिका करपाची आसली. पिलकिंगटन बाबान आपल्या भाशणांत सतत 'मोनजाती घरभाटा–' चो उल्लेख केल्लो. ताका तर खरें म्हळयार कळचें नाशिल्लेंच – कित्याक आपुण, नापोल्य तर तें आतां पयलेच फावट जाहीर करतालों – कि 'मोनजाती घरभाट' हें नांव आतां काडून उडयल्लें. आयच्यान ह्या फुडें ताका 'मॅनर फार्म' वो

व्हडलें घरभाट म्हणून वळखतले आसले. तेंच तर, ताका कळून आयिल्लें, त्या घरभाटाचें सारकें आनी मूळ नांव जावन आशिल्लें.

'सज्जनांनो,' नापोल्यांवान सोंपोवन हाडलें, 'हांव तुमकां साऊद करूंक आदीं सांगिल्लेंच उतर दितां, पुण वेगळ्या रुपान. तुमचे ग्लास सामके सुयेंन भरात. बऱ्या मनश्यांनो, म्हजीं साऊदीचीं उतरां अशीं आसात: 'व्हडल्या घरभाटाच्या भरभराटी खातीर!'

आदले भाशेनूच आतांय जायतो बोवाळ आनी 'वीवा' म्हणून व्हडले उर्बेन सगळ्यांनी ताळ्यांचो खळखळाट केलो, आना आप-आपलीं सोऱ्याचीं मगां ताणीं पियेवून सामकीं चुरचुरीत पुसून उडयलीं. पुण जेन्ना भायल्यान-च्यान पळेतल्या मोनजातींनी ह्या देखाव्याचेर नदर लायली, तेन्ना तांकां कितें तरी विचित्र-आथवेंच घडून येता अशें दिसलें. दुकरांच्या चेऱ्यांचेर कसलो कितें तरी बदल घडोवन आयिल्लो? क्लोवरी-चे साय-आयिल्ले व्हय-व्हय-शे पळेतले दोळे एका चेऱ्या-तोंडाचेर सावन उडून दुसऱ्या चेऱ्या तोंडाचेर लागताले. तांतल्या कांय जाणांक पांच खाडकयो आसल्यो, कांय जाणांक चार आसल्यो, कांय जाणांक तीन आसल्यो. आनी तांतलें जें कडून विर्गळटालें आनी बदलतालें तें रे बाबा कितें! मागीर ताळयो पेटपाचो, वीवा मारपाचो बोवाळ बंद जाल्ल्यान, हाजीर आशिल्ल्यांनी आपलो अिस्पिकांचो खेळ परतो हातांत घेतलो, जो ताणीं बंद करून दवरिल्लो, आनी हेर जनावरां बाबडीं ल्हवान आप-आपलीं मोनेपणीं थंयच्यान कडसरुन गेलीं.

पुण तीं वीस वांवां परस पैस घडये वचूंक नाशिल्लीं जेन्ना तीं अवचित थांबलीं. घरभाटांतल्या म्हालघरांतल्यान व्हडल्यान मारिल्ल्या बोबो-हुयलींचो जायतो बोवाळ आयकूं यतालो. ताणीं परती म्हालघराकडेन धांव माल्ली आनी नव्यान जनेलांतल्यान भितर पळोवन घेतलें. व्हय, खरें म्हळ्यार हिंसक जाल्लें एक झगडें पेटिल्लें तें चालू आसलें. एकामेकाचेर बोब मारताले, मेजां धाडायताले, खरायेन एकामेकाक दुबावाच्यो झळको उडयताले, रागान एकामेकांचें नाकारताले. नापोल्यांव आनी पिल्किंगटन-बाब अकेच बरोबर तोच अिस्पिकांचो पासो-दाव (ace of spades)खेळिल्ले म्हणून खंय हें झगडें घडून आयिल्लें.

बारा ताळे एकाच वांगडा रागान बोब मारताले, आनी ते सगळेच एक-

सारके कशें आसले. दुकरांच्या तोंडा-सोंडांक कितें जाल्लें काय म्हणपाचो आतां प्रस्न करपाची गरजूच नाशिल्ली. भायर राविल्ल्या प्राण्यांनी दुकराक सावन मनश्याक पळोवन घतलो आनी मनश्या कडच्यान दूकराच्या तोंडाक पळेलें, आनी परत दुकराक सावन मनश्या कडेन; पुण येन्नाच तर खंयचें तोंड कोणाचें हें सांगपाचें म्हळयार जायना जाल्लें.

डॉ. ओलिव्हींन गोमिश्

जल्म जुव्यां (सांतईश्तेव्हां), गोंय, १९४३.
मुळावें आनी उंचलें लिसेवाचें शिकप पुर्तुगेजिंतल्यान;
इंग्लेजिंतल्यान पणजे डोन बोस्को आनी
पुणे, कर्नाटक आनी शिवाजी विद्यापीठांतल्यान—
साहित्य, समाजशास्त्र, मनशास्त्र.
गोंयच्या समाजीक बांदावळी आनी बदला विशीं प्रबंध दिवून
समाजशास्त्रांत डॉक्टोरेट Ph. D. फाव जाल्या.
गोंयच्या सरकारी सचिवालयांत भाशांतर-करपी म्हणून वावुर्ले.
आकाशवाणीवेल्यान उलोवपां, रूपकां कथा, कविता वितरायल्यांत.
गोंयच्या आनी गोंया-भायल्या खबरेपत्रां आनी
नेमाळ्यांनी बरोवपां उजवाडाक आयल्यांत.
U. S. Library of Congress, Washington D. C. अिचे
वळेरींत तांचीं पुस्तकां आस्पावतात.

१९६९ वर्सांतले आय. ए. एस. (I. A. S.) परिक्षेंत
वेंचून आयिल्ल्यान सोलापूर, रत्नागिरी, दिल्ली सचिवाल्यांत,
गोंयांत, नाशिक आनी आतां औरंगाबादेंत केंद्र सरकाराच्या उंचल्या कारभारांत
वावुरतात.

तांचीं हेर पुस्तकां :

- **Dr. Francisco Luis Gomes** – जीवितकथा (रोमींत) (सोंपलें)
- **पुंजायिल्ल्यो पाकळ्या** – कवितां झेलो (सोंपलें) (कला अकादमी पुरस्कार)
- **मेघदूत** – कालिदासांचें कोंकणीं काव्य रूपांतर
- **सुपुल्लो काणयां पांट्लो** – भुरग्यां काणयो (सोंपलें)
- **मन वोडटा वोडना** – कथां घोंस (कों. भा. मां. पुरस्कार)
- **शाकुंतल** – (रोमींत) काणये रूपांतर (सोंपलें) (कों. केंद्र पुरस्कार)
- **भारत आमचो देस** – भुरग्यांक (कला अकादमी पुरस्कार)
- **प्रेमचंद** – भाशांतर–साहित्य अकादमी उजवाडावप
- **हुस्कारे** – कवितां झेलो
- **डॉ. फ्रा. लू. गोमिश्** – भुरग्यांक जिवीतकथा (कों. भा. मंडळ पुरस्कार)